चित्र स्वयंवर

पुंडलीक नायक



अथश्री, फोंडें निर्मित -
'चित्रस्वयंवर' (2003)...



कलाकार : दिलीप देसाय, व्यंकटेश गावणेकार, प्रियांका बिडये, गौतम बखले आनी सुशांत सरदेसाय.



कलाकार : चंद्रानंद नायक, श्रुती देसाय, व्यंकटेश गावणेकार, सुशांत सरदेसाय, दयानंद नाडकर्णी, गौतम बखले आनी रवीन्द्र नाईक.

चित्र स्वयंवर



पुंडलीक नारायण नायक

हांगेलीं रंगमाचयेर आयिल्लीं नाटकां

1)	खण खण माती	1977
2)	रक्तखेव	1978
3)	राखण	1979
4)	देमांद	1980
5)	मुक्ताय	1980
6)	सूर्यसांवट	1981
7)	शबै शबै भौजन समाज	1981
8)	सुरींग	1982
9)	मनशाळी मोनजात (रुपांतरीत)	1982
10)	पिंपळ पेटला	1984
11)	श्री विचित्राची जात्रा	1986
12)	दायज	1990
13)	चैतन्याक मठ ना	1991
14)	आत्मवंचना	1992
15)	परिक्रमा	1993
16)	दिश्टदौलत	1995
17)	तकली तड्डकी (रुपांतरीत)	1998
18)	तिरंगी चक्राचक्री	1998
19)	प्रेमजागोर	1999
20)	शिरी रे शिरी! अधांतरी!	1999
21)	काळजाची काणी	2000
22)	प्रेमयुद्ध	2000
23)	दिव्या दिव्या दिपत्कार	2000
24)	अंता घरा भगवंता	2001
25)	कांसुलो	2002
26)	धनयां देंवचारा	2003
27)	चित्र स्वयंवर	2003
28)	सांगोड	2004
29)	चतुरंगा	2005
30)	कथा अस्तुरी	2008
31)	फिंर्गी फटास	2011

* चत्राय : नाटकाच्या मुखावयलें वर्स नाटक रंगमाचयेर आयलां तें वर्स.

चित्र स्वयंवर

पुंडलीक नारायण नायक



CHITRA SWAYANWAR Konkani Play
by PUNDALIK NARAYAN NAIK

प्रकाशन क्र. : 91

पयली उजवाडावणी : 2012

उजवाडावपी :
हेमा पुंडलीक नायक
अपुरबाय प्रकाशन
वळवय, फोंडें,
गोंय : 403 401

छापपी :
हिरू नारायण नायक
रुतू ऑफसेट,
वळवय, फोंडें,
गोंय : 403 401

अक्षर जुळोवणी :
रिया ग्राफिक्स
ओल्ड-गोवा,
गोंय : 403 402

मुखचित्र :
श्रीधर कामत बांबोळकार

मोल : ₹ 100/-

ISBN : 81-86488-91-X

प्रिय रासयकार भावोजी...

(धर्मू बाबुसो नायक)

म्हज्या प्रोंम्टींगच्या भरवंशार
तूं नाटक करतालो.

आपणाले खिलाडूवृत्तीन वता थंय
उमेद आनी खोस निर्माण करपी तूं
जितें जिवें 'पात्र' आशिल्लो.

तुज्या उगडासाक!

– दादा

चित्र स्वयंवर जांवचे पयलीं...

1994 वर्सा 'अपुरबाय चित्र'चे वतीन 'देखणी दुराय' ह्या व्हिडिओ फिल्माची निर्मिती जाली. फिल्माची कथा, पटकथा, संवाद आनी गितां सगळे म्हजेंच आसलें. हेमा फिल्माची मुखेल निर्माती आशिल्लें. फिल्माचें भौतेक सगळेंच शुटिंग काणकोणा चलतालें. एक बरें चार चौक्याचें पोरणें घर आमकां शुटिंगा खातीर मेळिल्ले. फिल्माचो मुखेल भाग त्याच घरांत चलतालो.

हरशीं फिल्म पळोवपाक बरें दिसता पूण फिल्माचें शुटिंग पळोवप हो एक उबगणेचो भाग. दुसरी म्हत्वाची गजाल म्हणल्यार फिल्माच्या शुटिंगाक आरंभाक कोणूय आपणाले घरबी उमेदीन दिता. कारण आपलें घर फिल्मांत दिसतलें, अशी आशा आसता. पूण जशे जशे दीस वचपाक लागता तशें तशें घरकाराकूच आपलें घर परकें जावपाक लागता. कलाकार आनी तंत्रज्ञ घरांत आपणांक जायतशे वावुरतात. घराचे म्हण कांय नितीनेम आसतात. त्या नेमांचे ह्या परक्या 'सिनेमावाल्यां' कडल्यान पाळप जाल्लें नासता. आनी मागीर 'केन्ना काय हे एकदांचे तोंड घेवन वचूं' अशी घरकाराची आवतिकाय जाता. होच भाग कल्पनेन अतितायेन रंगोवन हांवें हें नाटक निर्माण केलें. नाटकाक गरज अशी एक कथाय तातुंतल्यान गुंथून काडली. नाटकांत जाणटेल्या नाट्य कलाकाराची एक भूमिका आसा. ताका शंकर अशें नांव दिलां. जायते जाणांनी आपले पिळगेंतल्या कृष्णा लक्ष्मण मोये ह्या नामनेच्या कलाकाराक पळयला जातलो. आकाशवाणीचेर कांय तेंप काम करताना आनी उपरांत म्हाका त्यांचो सहवास लाबिल्लो. शिवाय 'देखणी दुराय' ह्या फिल्मांत एक आंख्खें भक्तिगीत तांचेर चित्रित केल्लें. एक कलाकार म्हणून तांची व्यतिरेखा वैशिशट्यपूर्ण आसली. शंकराची भूमिका पळोवन कोणांकूय मोयेमामाची याद आयल्यार तो फक्त योगायोग न्हय, तर तें एक व्यक्तिचित्र रेखाटन अशें समजुचें.

'चित्रस्वयंवर' हें म्हगेलें सत्ताविसावें नाटक. हलके-फुलकें विनोदी नाटक म्हण ताचेकडेन पळोंव येता.

– पुंडलीक नारायण नायक

‘चित्र स्वयंवर’ नाटकाचो पयलो प्रयोग, अथश्री, फोंडें, हे संस्थेन, गोवा कला अकादमीचे 28 वे नाट्यसर्तींत, ता. 21 आक्टोबर 2003 दिसा, सां. 7.00 वरांचे पणजे कला अकादमीच्या मा. दिनानाथ मंगेशकर रंगमंदिरांत सादर केलो.

श्रेय नामावळ

1.	**दत्ता पणस**	: रविन्द्र नाईक
2.	**बुदो**	: चंद्रानंद नायक
3.	**अत्मा चिरेकार**	: संतोष देसाय
4.	**मा. गोमंतकुमार**	: व्यंकटेश गावणेकार
5.	**थाणू नायक**	: सुशांत सरदेसाय
6.	**शंकरमाम**	: दिलीप देसाय
7.	**दुर्गेश पर्वतकार**	: गौतम बखले
8.	**पौर्णिमा पै**	: प्रियांका बिडये
9.	**तिळू फुलकार**	: दयानंद नाडकर्णी
10.	**उद्देगमंत्री धना देसाय**	: सदानंद देसाय
11.	**चित्रांगदा**	: श्रुती देसाय
12.	**कॅमरामन**	: काशिनाथ सराफ
13.	**सावंड रिकोडीस्ट**	: जितेंद्र जोशी
14.	**स्पॉट बॉयज आनी हेर**	: मनोज देसाय, वर्धन सहकारी, हेमंत भांडणकार

दिग्दर्शक	: दिलीप देसाय
नेपथ्य	: सुशांत खेडेकार
उजवाडा येवजण	: चतुरा साकोर्डेकार
रंगभुशा	: लवलेश कवळेकार
वेशभुशा	: नीता देसाय
संगीत संकल्पना आनी पार्श्वसंगीत	: साईश देशपांडे
संगीत संयोजन	: विष्णू शिरोडकार
गावपी आनी वादक	: मनोज देसाय, सविता जोशी, बन्सी खेडेकार
ध्वनीमुद्रण	: गोदावरी ऑडिओ लॅब, ताळगांव
नृत्यसंकल्पना	: तन्वी देसाय

पात्रांची वळख

1.	**दत्ता पणस**	– गावांतलो एकाकाळावयलो भाटकार
2.	**बुदो**	– दत्तालो गोरवां राखणो
3.	**चित्रांगदा**	– दत्ताली वाडिल्ली मोनी धूव
4.	**अत्मा चिरेकार**	– फिल्म काडपाक मुखार सरिल्लो निर्मातो
5.	**शंकरमाम**	– आदल्या नाटकांतलो जाणटो कलाकार
6.	**थाणू नायक**	– सिनेमाचो लेखक
7.	**मा. गोमंतकुमार**	– सिनेमाचो निर्देशक
8.	**तिळू फुलकार**	– खलनायक
9.	**दुर्गेश पर्वतकार**	– सिनेमाचो नायक
10.	**पौर्णिमा पै**	– सिनेमाची नायिका
11.	**उद्योग मंत्री धना देसाय**	– उद्वेगमंत्री
12.	**कॅमेरामन**	– सिनेमाच्या युनिटांतलो
13.	**ध्वनिमुद्रक**	– सिनेमाच्या युनिटांतलो
14.	**स्पॉट बॉयज आनी हेर**	– सिनेमाच्या युनिटांतले

अंक : पयलो

(शिर्शक गीत)

वन टू थ्री रेडी सायलेन्स बियलेन्स
लायट सावंड कॅमेरा रोलींग ॲक्शन
– कट
ध्वनी–मौनाचें मीलन सुंदर
चित्र स्वयंवर! चित्र स्वयंवर!

असली नकली हो भवसागर
तरुन वतले धूर्त बिलंदर
सुवर्णसंदी जाणी शेणयली
तांकां नस्तो ताप भयंकर।।

दोन तडींचें केदें अंतर
जुळोवन हाडचें मारून मंतर
आपले गरयेन फारावन काडचो
कलावंत वा आसूं कलंदर।।

(दत्ता पणस हांगेलें गावांतलें चार चवक्यांचें आदलें घर. घर उठाणांक आयलां. ह्या घरांत आतां एका फिलमाचें शुटींग

जावपाचें आसा. दत्ता घरांत एकलोच बोवाळटा. पिरायेन 50/55 वर्सांचो. धोतर, खोमीस, खोमसावयर कोट, माथ्याक काळी (वा धवी) तोपी असो भेस. तो भायर सरपाचे तयारेंत आसा. बुद्याक उलो मारता. बुदो तागेल्या म्हशींचो राखणो. उलो मारतानाच ताका याद जाता, बुदो सोसायटींत दूद घालपाक गेला. इतल्यान भायरसावन बुदो येता. ताची पिराय 20/22 वर्सांची. मोटवें कलसांव, बानयान, खांदार तुवालो असो भेस. ताच्या हातांत दुदाचे रिते कॅन आसात. ताणें बरोबर आयचें दिसाळेंय हाडलां. तो आपलेच़ तनरेंत आसा. पद वो अभंग गुणगुणत आसा. घराच्या फाटसून म्हशींच्या हांबेवपाचो आवाज. बुदो येनाबरोबर हातांतलो पेपर दत्ताकडेन दिता.)

दत्ता : बुद्या, कितलो वेळ रे?

बुदो : वगत? भाटकारा, खंयचो वगत? ह्या पावलान गेलां तसो ह्या पावलान येयलां.

दत्ता : तरी पूण...

बुदो : सोसायटींत दूद घालप म्हणजे कितें तें कावथ्याच्या आळ्यांत उदीक रकोवन येवप? तेका चत्राय-बित्राय कांय ना तर?

दत्ता : आसा तर. सारखें रकोवन दिलां मरे?

बुदो : हय. सारखें पंचवीस लीटर.

दत्ता : इतलेंच?

बुदो : कालचे परस अर्द लीटर चड.

दत्ता : आनी फॅट्स?

बुदो : सात

दत्ता : इतलेच?

बुदो : तितलेंच आसता तें.

दत्ता : बुद्या, तुकां चक्रायना मरे तो?

बुदो : तो न्हू, तें. दूद घेवपाक सोसायटींत तें आसता. मोगऱ्यालें एस्वर्या!

दत्ता : तेखातीर तुकां परतुपाक उशीर जाता?
(बुद्याक ती गजाल मानवूंक ना. दत्ता विशय बदलता.) जावं कोणूय, तुका चक्रयत म्हण भंय.

बुदो : म्हाका चक्रोवपी शेणाचे गायरींत जल्मांक येवपाचो आसा. (परतून म्हशींच्या हांबेवपाचो आवाज येता. तो म्हशींक लेखून म्हणटा.) हीं एक, म्हाज्या पावलांचो आवाज सोड, म्हाजो वास लेगीत येयल्यार हीं हांबेवपाक लागता.

दत्ता : त्यो तुजो मोग करतात.

बुदो : (रागान) म्हशी म्हाजो मोग करता? भाटकारा, रेडो तर हांव?

दत्ता : बुद्या, तुकां फकाणांय कळना? (पेपर वाचपाक लागता.)

बुदो : राव, दाखयतां, तुकांय दाखयतां आनी त्या म्हशींकूय दाखयतां. आयज फोड फोडटलोंच म्हणून येयलां हांव.

दत्ता : (लक्ष पेपरांत) ते आजून फोड जातात तुकां? काण्णीच्या कांट्यान फोड.

बुदो : तसलो फोड न्हू.

दत्ता : मागीर कसलो? केस्तोड?

बुदो : हय केस्तोड. पूण म्हाज्या कुल्याक जावंना. मात तुमच्या कुल्याक जातलो. भाटकरा, तुमची अशी बोब पडटली, तुमकां खीणभर पासून जमनीक कुलो तेकोवपाक मेळचो ना.

दत्ता : (लक्ष पेपरांत) बरीं कॉमिकां वडयता मरे तूं. (दत्ता पेपरांत गुल्ल)

बुदो : वाच. पेपरां वाच. मागीर तिंवूय वाचपाक मेळचीं ना.

दत्ता : (वाचीत खोश्शेन) वा! वा!

बुदो : कितें जालें? कोणाली म्हस व्हियेली?

दत्ता : आरे, म्हशीच्या व्हिताच्यो खबरो येना पेपराचेर.

बुदो : सगळ्यो येता. कुकुडश्याच्या बारशाच्यो आनी माजराच्या सटयेच्यो पासून. मागीर म्हशींच्या व्हिताच्यो येवपाक कितें

जालां?

दत्ता : (वाचीत) बुद्या, ही खबर आयक. सरकाराची नवी सुवर्णधेनू योजना. हे येवजणेप्रमाण गरीब मनशाक पांच ते धा जनावरां घेवपाक सरकारी रीण मेळटलें. आनी वयल्यान सब्सिडी. बुद्या, तुजें सहकार्य जाय. पांचाचे पंचवीस करूंया. पावळेचें पाणी पाडसाक चडोवंया. गोठ्यांत आमच्यो पांच म्हशी आसात. आमी हे येवजणेचो लाब घेवंया. हांव धा म्हशींखातीर रीण मागतां. रीण मंजूर जातकूच मीरज या ओर्राद आनी पांच मुर्राद म्हसी घेवन गोंयांत येवंया. नव्यो पांच आनी आदल्यो पांच. कितल्यो जाल्यो? धा. सरकाराक धा म्हशींचो हिशोब दाखोवंया. गोरा-वासरांच्या बाजारांत हें अशेंच चलता. वा! वा! सुवर्णधेनू येवजण! भांगरांची तांतयां दिवपी कोंबये फाटोफाट ही येवजण! सुवर्णधेनू! गरीबांच्या उद्धाराखातीर!

बुदो : कोणाच्या कित्याखातीर?

दत्ता : गरीबांचो उखल करपाखातीर.

बुदो : पुरो! पुरो! गरीबांनी फक्त शेणाचे थापेच उबारपाचे!

दत्ता : शेणाचे थापे कित्याक? दुदाचे कॅन उबारपाचे. बुद्या, आमी ही येवजण उबारूंया. दुदाचे सोसायटींत हे येवजणेचीं फॉर्मीं येतलीं. घेवन यो. तूं बेकार तरनाटो. तुज्या नांवान भरूंया. फक्त नांवार तुज्या. सगळें हांव फारीक करतां.

बुदो : नाका. तूं दुसरें नांव सोद. तुज्यो म्हशी म्हाज्या नांवार कित्याक? कोणाच्यो म्हशी आनी कोणांक उठाबशी!

दत्ता : सांग बुद्या, तुकां ही सुवर्णधेनूची खबर आवडली काय ना?

बुदो : ना.

दत्ता : आरे, धा जनावरांक रीण. वयल्यान सब्सिडी. रीण फारीक करपाचें पाच वर्सांनी. आनी सरकारी रीण म्हणटकूच तें फारीक करपाक जाय अशेंय ना.

बुदो : म्हाका तें पडों ना. कारण तेचेपरस बरी खबर म्हाजेकडेन

आसा.

दत्ता : तुजेकडेन कसली खबर? (दुबावान) आमची खंयची म्हस गाबण आसा? सोसायटींत दुदाचो दर वाडला? गोरवांची खावड सवाय जाल्या? खंय बांदार पांचवो चरोव जाला?

बुदो : त्यो सगळ्यो खबरो शेळ्यो जाल्यो. म्हाका ह्या बुद्याक, तुजी म्हशींची शिर्विस नाका.

दत्ता : परत कॉमिकां करपाक लागलो.

बुदो : कॉमिकां-बिमिकां न्हू. सामकें खरें. आयज हांव तुकां ही नोटीस दितां.

दत्ता : नोटीस?

बुदो : हय. नोटीस. गोरवांक दायें तशें मनशाक उतर. एका उतरान तुजे शिर्विशेक रावलेलों. तश्याच उतरान तुकां शिटकावणी.

दत्ता : आरे बुद्या, हे शिर्विशेंत कितें वायट आसा? काय बरी शिर्विस!

बुदो : जयटा तेका कयटा. आनी म्हशींची शिर्वीस म्हणजे कितें दुदूच काडप न्हू. मुतूय काडचें पडटा, शेणूय काडचे पडटा.

दत्ता : पूण दूद काडपांतलें सूख!

बुदो : हांव चिवो पिळून म्हशिंचें दूद काडटां. पियेना. दूद काडपांतलें सूख! ओडून ओडून मनगटां भरता, भुजां भरता. उजवे कुशीच्या बरगड्यांचेर कसलो पेज येता जाणा! एकेच कुशीन दुखपाक लागता.

दत्ता : ते खातीर हांयें तुकां दोनूय हातांनी संवंय कर म्हणून सांगिल्लें.

बुदो : म्हणजे दोनूय कुशींनी दुखपाक बरें. दोन हात सोड, आतां तुवें म्हाका चार हात सुद्धा हाडून लायले जाल्यार ना तें ना. त्या दूद काडपाच्या, शेण काडपाच्या वावराची म्हाका आतां उबगण येयंल्या. सद्दा उठोन पेंड कालोवप, चरोव हाडप, उदक लावप, गोठो निवळ करप, म्हशींक निवळ करप. सगळें निवळ, हांव

मात म्हेळ्ळों.

दत्ता : आमी आतां नवो गोठो बांदुया. नव्यो म्हशी, नवो गोठो. गोठ्यांत सकयल शिमीट. वणटीक तिजुले. त्या म्हशींक गरमी सोंसना. गोठ्यांत चारीय वटेन फेन घालुंया. वारें तांकांय जालें, तुकांय जालें.

बुदो : भाटकारा, ह्या बुद्याक तुयें इतलें वारें घालपाची गरज ना. बुद्याचें थरलें म्हणजे थरलें. आतां वयल्यान ब्रह्मदेव जरी सकयल येयलो, आनी प्रत्यक्ष म्हशीच्या तोंडांतल्यान जरी उलोपाक लागलो तरी हो बुदो उखललेलें पावल फाटीं घेवपाक ना.

दत्ता : आरे, पूण तूं ही सिर्वीस सोडून करतलो कितें? शिर्विसो कितें अशोच पडल्या? तातूंत तू नॉनमॅट्रीक. तीन फावटीं मेट्रीक फेल.

बुदो : चार फावटीं.

दत्ता : भायर बेकारी कसली! खंय कसली शिर्वीस मेळटली तुकां?

बुदो : लांब कालसांवांची.

दत्ता : लांब कालसावांची?

बुदो : हय. काल भावोजी येवन गेला.

दत्ता : भावोजी?

बुदो : हय. गोदुआकाचो घोव. सरकारी ऑफीसांत क्लास फोरच्या हुद्यार आसता तो. आनी मंत्र्याचो घट. तेचें म्हणणें – आयच्या काळांत भाटकारागेर असो वावराडो म्हण रावप बरोबर न्हू. तेकाय थंय ऑफिसांत मेवण्याखातीर खालतेपण नाका.

दत्ता : म्हणून तूं नोकरी सोडटा? कसलें खूळ रे बाबा? आरे, तुमी सगळ्या काम करप्यांनी अशें थारायलें जाल्यार आमच्या सारख्यांनी कोणांक सोदपाचे?

बुदो : भाटकारा, हीं उतरां तुज्या तोंडांत सोबना आं. एका काळार तीं तुज्या बापायच्या बी तोंडान सोबतालीं. तूं कसलो भाटकार? नांवाचो भाटकार. सगळ्या मुंडकारांनी तुकां वयर आनी

सकयल वेवस्थीत बेणला आनी म्हशींच्या गोठयांत हाडून बांदला. भाटकारा, सांगतां म्हण रागार जावं नाका. आयच्या काळार कसलोय धंदो करतलो जाल्यार तातूंत आपलो मनीस जाय.

दत्ता : तुकां हावें आपलोच मनीस मानलेलो मरे. जाल्यार तूंच परतलो. आतां भाटकार-वावराडो असली बंडाची भास उलोवपाक लागलो.

बुदो : भाटकारा, ते खातीर तुजी शिर्वीस सोडटां अशें बी समजूं नाका आं. भावोजी कितेंय म्हणूं, तसो तुकां लागपी मनीस ह्या आसमंताक दुसरो ना.

दत्ता : जांव, तितलें तरी तुकां कळ्ळें तें नशीब म्हजें.

बुदो : भाटाकारा, हांवूय म्हाजें नशीब घडोवपाक वयतां.काल भावोजी येवन गेलो. तेणें सांगलां एके फॅक्टरीन लायतां म्हणोन.

दत्ता : फॅक्टरीन? कसली फॅक्टरी?

बुदो : आसना कसलीय! म्हाका कितें?

दत्ता : आरे, पूण तुकां थंय मेळून मेळून कितलो पगार मेळटलो? हांगासर तुकां पगाराक पगार आसा. चवथी दिवाळेक कपडे आसा. म्हशीच्या दर एका व्हिता फाटल्यान तुकां कितेंतरी समजतां हांव.

बुदो : तो सगळो हिशोब केलो हांयें. हांगा तुगेर चड जाता. सामकें दुपेटीन. पूण थंय फॅक्टरीन पगार उणो आसलो तरी दर आयताराच्या आयतारा सुटी आसता. जेवणाचो डबो थंय व्हरोन जेयपाक मेयटलें. बशीन येवपा-वचपाक मेयटलें. आनी हें सगळें लांब कालसांव घालून.

दत्ता : आरे लांब कालसांवाचीच ओड लागल्या जाल्यार हांगाय घाल. हांव दितां हाडून.

बुदो : आंनी तें घालून गोठ्यांत शेणा थापे लागीं करूं? त्या लांब कालसांवांक कितें रेस्पेद आसा काय ना? तें कांय ना. तुकां ही

नोटीस! आयच्यान केन्नाय हांव तुजी शिर्वीस सोडपाक शकतां. भावोजीचो रकाद येयना बरोबर हांयें बिटकी कवळ्ळी म्हणोन समज.

दत्ता : ह्या तुज्या भावोजीचें बरें जावं! एकदां तुजे भयणीक व्हेली आतां तुकां मेवण्याकूय व्हरता. बुद्या, हांव कितें म्हणटालों जाणां?

बुदो : तूं कितेंय म्हण. पूण म्हाजी आशा सोड. म्हाका तुजो घरजांवय पासून करपाचो थारायलो जाल्यार हांव ना.

दत्ता : (फकाणांनी) खऱ्यांनीच?

बुदो : (निश्चेवान पूण मोन्यांनी मान हालोवन सांगता.) खऱ्यांनीच.

दत्ता : बुद्या, हांव कितें म्हणटालो जाणां? मातसो ह्या दिसांनी म्हजेर उपकार कर.

बुदो : कसले उपकार? पांचांमदले एक्केय म्हशीचें व्हीत लागीं ना. लागीं आशिल्लें जाल्यार तुयें सांगचें आदींच आयकतलो आसलों. ते मनीसपण आसा म्हाका.

दत्ता : म्हशींखातीर न्हय रे बाबा. त्या रेड्याखातीर. अत्माराम चिरेकाराचो रकाद आयला.

बुदो : कसलो रकाद?

दत्ता : तो कसलें पिच्चर काय कितें काडटा न्हय? ताचें शूटींग करपाक आमगेर येवन हें घर पळोवन गेला तो. ह्या दिसांनी केन्नाय येतां म्हण सांगलां.

बुदो : ते ह्या घरान पिक्चर काडटले?

दत्ता : हय. कितें जालें?

बुदो : ह्या घरांत पिच्चर काडटले आनी भाटकारा तुजी लज काडटले. हें घर दशेचें आसा? जाणटेले म्हशीभशेन हें घर उठाणा आयलां. पिच्चरांतलीं घरां कशीं आसतात तीं पळयल्यां तुयें?

दत्ता : ना. तुवें पळयल्यां?

बुदो : हय.

दत्ता : खंय पळयल्यां?

बुदो : पिच्चरांनी.

दत्ता : आरे, तांकां असलेंच घर जाय खंय. घराक रंगबी काडपाचो सोड, घराचो घयरांव लेगीत काडूं नाका म्हण सांगलां खंय त्या डायरेक्टरान. बुद्या, तूं करतलो पिच्चरांत काम?

बुदो : वगीच म्हाजेमुखार म्हौंवाचीं बोटां नाचोवं नाका. म्हसींचो नाद सोडला हांये. दुसरो कसलो नाद नाका म्हाका. (म्हशीचें हांबेवप)

दत्ता : पळय बुद्या,तुवें म्हशींचो नाद सोडूं पूण ताणी तुजो नाद सोडूं ना. म्हाका समजायता तसो तांकांय वचून समजाय.

बुदो : मोनजात ती. पेंड घालूंक जाय तेंकां. तश्यो ह्या घरांत मोनजातीच चड! (शिटकायत) भाटकारा, नोटीस आं नोटीस. आयचे तारखेन नोटीस. (बुदो केन घेवन भितर वता.)

दत्ता : बुद्या! बुद्या कसली अवदीसा येवजली रे तुकां! (पेपर वाचीत) एकेवटेन ही सुवर्णधेनू, दुसरेवटेन ही तुजी नोटीस आनी (वाचीत) तिसरेवटीन ...अं...अं...अं... आरे, ह्या चिन्याकाराचेर धाम येवं. कसलो सांवार रे बाबा. रकाद अर्दकुटो... आज येता फाल्यां येता. ह्या दिसांनी येता... केन्नाय येता आनी कितें काय म्हणल्यार आजूच येता. (बोवाळान उलो मारीत) बुद्याऽऽ बुद्या

बुदो : (भितरसावन) भाटकारा, हांयें पेंडीचे कायलींत हात घातला.

दत्ता : कायलींतूच मरे? कुल्लेच्या बिळांत घालूं ना मरे? कायलींतलो हात सोडोवन मातसो हांगा यो.

बुदो : (गडबडयां येता.) आतां आनीक कितें जालां? सरकारान गरीबांखातीर आनीक कितें काडलां?

दत्ता : हें वाचलां तुवें?

बुदो : हांव फक्त पेपर पळयतां. म्हाका वाचपाची आवड ना. (थोमणो) मेट्रीक चार खेपो फेल!

दत्ता : तुजी मेट्रीक वयर काडपाक विचारूं ना रे हांवें. ह्या अत्मा चिऱ्याकारान कितें केलां पळय.

बुदो : कितें केलां?

दत्ता : तो तें फिल्माचें सगळें युनीट काय कितें म्हणटा तें घेवन हांगां येता. आमगेर.

बुदो : केन्ना?

दत्ता : आनी केन्ना? आयज. तशें पेपराचेर आयलां पळय. शूटींग दत्ता पणसाल्या चार चवक्यांच्या घरांत. म्हूर्त बी आयज आनी मंत्रीबी येतलो खंय.

बुदो : भाटकारा, हांयें तुकां आदींच सांगलां. एक म्हणजे, हांयें पयलींच तुकां नोटीस दिल्या. दुसरें तुगेल्या म्हशींचें करतां सवरतां म्हणसर म्हाका नाकयां शिंको येतात. आतां ह्या तुगेल्या फिल्मवाल्यांचें म्हाज्यान काडूंक जावचें ना.

दत्ता : आरे, तांचें कितें काडपाचें आसा? तें आपणाबरोबर रांदपा सरपाचें, खावपा जेवपाचें सगळें घेवन येतले. तांकां फक्त हें घर मेकळें करून दिवपाचें. कितेंय बारीक मोटें लागलें जाल्यार हातालागीं करून दिवपाचें. जालें.

बुदो : तें तितलें करपाक म्हाका कितचें धाड मारूं ना. पूण पयलीं म्हशीचें काम. (म्हशी हांबेतात). पळय, त्यो म्हाका कश्योच पातयेना. (थोमणो) मोग करतात न्हू त्यो म्हाजो! आनीक प्रेम करपी कोण ना घरांत म्हणोन म्हशी म्हाजो प्रेम करता.
(दोगूय हांसतात.)

दत्ता : जाणां बुद्या, आज बरी वॅळ आसा. थरिल्ल्या जाग्यार काम जावं येता म्हण हांव सकाळीफुडें भायर सरलेलों.

बुदो : यॅळ कोणाखातीर? बायेच्या कामांखातीर?

दत्ता : मागीर आनीक कोणाच्या कामाखातीर? बाबाच्या? भायर सरतलों म्हणल्यार जुस्त हो अत्मा चिऱ्याकार कडमडलो. इतले दीस येता येता म्हणून आयलोना. आयज म्हूर्त बरो मेळ्ळो हाका.

बुदो : आयज यॅळ बरी आसा न्हू!

दत्ता : (याद जावन) बरोबर. म्हाका बरी वॅळ ती ताकाय बरी वॅळ! पूण कसलो धांदळी मनीस रे हो! हो म्हगेर आयज येता ही खबर हांवें आयच्या पेपराचेर वाचप! राव, येवं दी ताका. सामको आडवो-उबो तासून काडटां, चिऱ्याक कसो.
(भायर ट्रकाचो आवाज)

बुदो : (भायर पळयत) भाटकारा, तुजें पिकान्नरें तयार दवर

दत्ता : कितें?

बुदो : चिरो येता. चिऱ्याकार अत्मा येता.

दत्ता : म्हणजे पावले? कितल्यो गाडयो आसात?

बुदो : गाडयो? एकूच व्हडली गाडी आसा.

दत्ता : बस? एकेच बसीन आयल्या दिसता.

बुदो : ना. सगळे चिरे एकाच ट्रकान येयल्या. हांव हिरोईणीचेर नदर मारून येतां. पळोवया कोणाभशेन दिसता ती.

दत्ता : नदर कित्याक? आतां हांगासरूच रावतली ती. तेन्ना दोळे भरून पळोवन घे.
(बुदो भायर वता.)

दत्ता : (ताका) तांका सामान देंवोवपाक मातशें हात-बोट घाल. हांगा थंय बोवाळटा. बसपा-उठपाचें हांगचें सामान थंय दवरता. भायर बोवाळ.थोड्या वेळान बुदो येता. ताच्या खांदार एक दोन बॅगां आसात. सिनेमांतलें पद म्हणत येता.)

बुदो : भाटकारा, सगळे लोक येयले खरे पूण म्हाका ह्या पिच्चराचें कांय धड लागना.

दत्ता : कित्याक म्हणटा तूं?

बुदो : हांव हिरोईनीचें बॅग घेवपाक गेल्लो जाल्यार–

दत्ता : जाल्यार कितें?

बुदो : जाल्यार! (दाखयत) हिरोईणीचें बॅग आसा पूण हिरोईन ना. हें हिरोईन नाशिल्लें बी पिच्चर न्हू मरे? तसें जाल्यार तें फॅट्स नाशिल्ल्या दुदाभशेन जालें.

दत्ता : हिरोईनीचें बरें आसा. तिगेलें बॅग सांबाळून दवर. कोणार्ची कसलीं कामां करचीं तें तुकां जुस्त कळटा.
(भितरसावन म्हशी हांबेतात.)

बुदो : पळय गोठ्यांत एकापरस पांच हिरोईनी म्हाजी वाट पळयतात.
(बॅगां घेवन भितर वता. वतना सिनेमांतलें पद म्हणटा. कांय वेळान भायरसावन फिल्माचें युनीट भितर येता. म्हणल्यार– एकलो कॅमरामन बी. प्रभाकर, सावंडरिकोडिस्ट पी. सुदेश, तीन–चार लायट्समन आनी स्पॉटबॉयज. हेरांमदीं अत्माराम चिरेकार. दत्ताचे पिरायेचो. मोटवें कालसांव, खोमीस, ताचेर कोट, तोपी असो भेस. हो फिल्माचो निर्मातो. दुसरो मा. गोमंतकुमार. नवे स्टायलीन. माथ्याक रूंद कडांचें चेपें बी घालून. हो फिल्माचो दिग्दर्शक. तिसरो लेखक थाणू नायक. पेंट, लांब सदरोबी असो भेस. मा. गोमंतकुमार आनी थाणू दोगूय तरनाटे पिरायेचे. तंत्रज्ञ भायर येनाफुडें माथ्यावयलें, हातांतलें सामान भितर व्हरून दवरतात. सामानांत कॅमरा, रिकोर्डर, लायट्स, रिफ्लेक्टर्स, मायक, केबल हांचो आस्पाव आसा. दत्ता हात जोडून सगळ्यांक नमस्कार करता. तेवूय नमस्कार करतात.)

दत्ता : यो यो अत्मा. येयात, येयात. (अत्माक) आतां म्हणलें आयज येता, फाल्यां येता म्हणटा ते खंय पावले? बेश्टोच दुबाव आयलो. हीं पिक्चरां म्हणजे माकडार्ची घरां काय म्हण. आनी बरो वस्ताद तूं. शूटींगाचो म्हूर्त आयज म्हज्या घरांत हें हांवे

आयच्या पेपराचेर वाचप?

अत्मा : आरे, निमाणो सगळो बोवाळूच जालो. कितें करूं? हो काय म्हजे संवकळीचो चिऱ्यांचो धंदो न्हय. पयलोच प्रयोग. म्हणटकूच गडबड बोवाळ जावपाचोच. आनी कळयतलों म्हणल्यार तुगेर फोन बीं कांय ना. एक घेवन वडय मरे. अशेच मेळटात. धांदळ जाली खरी. आतां तूं समजून घेवचो ना जाल्यार कोण समजून घेतलो? तुजो म्हशींचो धंदो कसो चलला? म्हशी वेवस्थीत दूद दिता काय ना? (दत्ता हयकार दिता.) पळय, सगळें लटांबर घेवन आयलां. पयली आमची आवय आमकां धा बारा भुरग्यांक घेवन मायाचे सुटयेंत अशी कुळारा येताली. म्हणजे तिगेलें कुळार आमगेलें मामाघर! मागीर आमी सगळें घर माथ्यार घेवपाचें!

दत्ता : आतांय तशेंच करपाचें. घर तुमचेंच अशें समजुपाचें. हरशीं हेवाटेन येता कोण? पिक्चराच्या निमतान तुमचो पांय आमच्या घराक लागता. एका काळार ह्या चार चवक्यांत जातालें ते म्हाळ आनी त्यो समराधना इतिहासजमा जाल्यो. जांव एका निमतान आमचें घर चार चौगांक दिसतलें.

अत्मा : चार चौगांक? पिसो! चारशीं चारशीं लोकांक एकाबरोबर. अशे हजारांनी न्हय, लाखांनी लोकांक! कितें?

(सगळ्या युनीटाक विचारता. सगळे मानो हालयतात.)

अत्मा : राव आं. हांची वळख करून दितां. हो बी. प्रभाकर. एक नंबरचो कॅमरामन.

सुदेश : मी सुदेश पित्रे. पी. सुदेश सावंडरिकोडिस्ट, ध्वनिमुद्रक.

अत्मा : हे दोगूय मुंबयचे. म्हणजे सगळें तंत्रीक युनीट मुंबयचें. (प्रभाकर, सुदेश आनी तकनिकी युनीटाक) देखो, देखो. ये है हमारे पात्रांव दत्ता पणस. हमारे दोस्त है! बडे जिवलग दोस्त. इनका घर हमारा घर समझनेका.

दत्ता : हां, हां. पुरा घर तुम्हारा. मागीलदारसे फुडल्या दारा तक

(तकनिकी पंगड आपल्या कामांक लागता. भितर वता.)

अत्मा : तर आतां हांची वळख करून दितां.

थाणू : (मुखार येवन. ताच्या हातांत पटकथेचो लांब कादेर्न आसा.) नमस्कार पणसबाब. हांव थाणू नायक. ह्या फिल्माचो लेखक. म्हणजे कथा, पटकथा, संवाद सगळें हावेंच बरयलां. कशे आसात तुमी पणसबाब?

दत्ता : पणसबाब! म्हजें आडनांव पणस. तुजो नायकबाब जाता तसो म्हजो पणसबाब जायना.

थाणू : आय एम सॉरी! म्हणजे चूक जाली. तुमी दत्ता पणस. दत्ताबाब पणस.

दत्ता : हय. पणस म्हणजे हे सकयले पायणींतले आंबिये, मागीर धेंपें भाटांतले माड कामत, मागीर पोरसुंबागंतले भेंडे हे सगळे आमचे दायजी. तातूंत थोडे बारा दिसांचे, थोडे तीन दिसांचे. तुमी नायक म्हणजे?

थाणू : म्हाका श्रीपाद नायक आनी रवी नायक दोगूय लागता. म्हणजे राजकारणांत लागना. नात्यांभितर.

दत्ता : ह्या पिच्चराची इस्टोरी बरोवप म्हणजे तोंडांत वडोवपाचें काम न्हय. नाजाल्यार हे सगळे नायक बरोवपी जातले आसले.

थाणू : (उमेदीन) हय तर. लेखक नांवाचे एका पाखाट्याचे मोर खूब जाण आसतात.

दत्ता : तुवें अशीं कितलीं पिक्चरां शापल्यांत तर?

थाणू : पिक्चर म्हजें पयलेंच. पूण तुमी म्हणटा तशीं नाटकां खूब शापल्यांत. कला अकादमी सर्तींत थाणू नायकाचें नाटक म्हणल्यार परीक्षकांक शेळो घाम सुट्टा. आतां पयलीं दुसरीं इनामां उणी मेळ्ळ्यांत. गोंयांत सगल्या काल्या जात्रांक म्हजींच नाटकां जातात. म्हाकाच म्हजी तोखणाय करपाक बरें दिसना. पूण म्हजीं नाटकां तशीं आसतात खरीं. म्हजें नाटक पळोवपाक आयिल्ली दर एकली बायलमनीस रडल्याबगर आनी दर एकलो

दादलो मनीस गाळी मारलेबगर रावना.

दत्ता : गाळी कोणांक? तुकां? थाणू नायकाक?

थाणू : ना. खलनायकाक.

दत्ता : अशें!

अत्मा : तागेले हें पिच्चरूय जबरदस्त आसा. दुकांचे व्हाळ आनी गाळयांचे शिंवोर हांगासरूय आसा.

थाणू : (उमेदीन) कितें स्टोरी आसा जाणां. गिरेस्त आनी गरीब हांचेमदलो संघर्श. पूण हिंदी सिनेमांतल्या भाशेन उखलापो आनी नकली न्हय. (तो फिल्मी स्टोरी सांगतलो म्हण अत्मा, गोमंतकुमार अस्वस्थ जातात.) तर जाता कितें-चार मिनाखणींचो धनी विघ्नराज. ताची एकली एकसुरी चली, बिपाशा. व्हडल्या बंगल्यांत रावपी, ती मोगांत पडटा. कोणाच्याकाय म्हणल्यार विक्रांताच्या. हो विक्रांत विनूमामालो चलो. विनूमाम गरीब आनी विघ्नराजाचे खणीर सादो मुकादम. मुकादमाच्या चल्याच्या मोगांत गिरेस्त मिनेराली चली! घे. खर विरोध. आकांत झगडीं. विघ्नराज विक्रांताक मारपाखातीर तरांतरांच्यो मांडण्यो काडटा. पूण विक्रांत सगल्यो पॉल करून वडयता. निमाणे विक्रांताक खणीर हाडून मारपाचो कट शिजता. खणीवयले पंचवीस ट्रक, शेवल, कॅटरपिलर, जीपी विक्रांताच्या फाटल्यान लागता. खणीचेर सगळो धुल्ल. सगळो घुस्पागोंदळ.

(सगळे बळजबरीन ताळयो मारतात.)

दत्ता : सगळो घुस्पागोंदळ आसा खरो!

थाणू : पूण सगळी स्टोरी कळटली जाल्यार फिल्मूच पळोवचें पडटलें.

दत्ता : तें आमकां चुकलां! तशी स्टोरी खऱ्यांनीच मस्त आसा आनी जबरदस्त आसा.

गोमंतकुमार: (विशिश्ट शैलींत) ती अदीक इफेक्टीव जावपाखातीर मूळ

स्टोरींत थोडो बदल केला.

अत्मा : (दत्ताक) हो फिल्माचो डायरेक्टर. मास्टर गोमंतकुमार.

दत्ता : हाकाय मुंबयसावन हाडला?

अत्मा : ना. ना. हाच्या भेसाचेर आनी भाशेचेर वचूं नाका. हेंवूय गोंयचेच खणींतलें एक रत्न.

दत्ता : (बारीकसाणेन) मास्टर गोमंतकुमार म्हणजे? तुमचो कुळदेवबी कोण?

गोमंतकु० : हांव हांगच्या थंयच्या देवांक मानिना. हम सिर्फ उपरवालेको मानते है.

दत्ता : तें जालेंच. निमाणें तो खरो. सकयले तागेले रुपकार. पूण चेहरो वळखिचोसो दिसलो म्हण विचारलें.

गोमंतकु० : म्हाका फिल्माशिवाय दुसरें कांयच विचारूं नाका. फिल्म म्हजो स्वास. फिल्म म्हजो उस्वास. फिल्म म्हजो प्राण!

दत्ता : बरींच फिल्मां केल्यां आसतलीं.

गोमंतकु० : आजून एकूय करूंना. हें पयलें आनी सगळी ताकद ह्या फिल्मांक लायतलों. गोंयांत इतलीं नाटकां जातात. पूण एक्काय नाटकाचे भानगडींत पडूंना. नाटकांतल्यान म्हजी हुशारी, म्हजे टॅलंट म्हाका वगडावपाचे नात. जें कितें दाखोवपाचें आसा तें फिल्मांतल्यान. हें फिल्म हांव अशा जाग्यार पावयतलों, जंय आजून कोणूच पावूंना.

दत्ता : (बारीकसाणेन नियाळून) पिक्चरापरसूय तुजी इत्साशक्त जबरदस्त आसा. म्हाका असले मनीस आवडटात. ते एकीकडेन घांस मारून रावतात आनी ती पकड कशीच सोडीना.

गोमंतकु० : हांवूय तातुंलोच.

दत्ता : पूण कोणालो कोण तें कळ्ळें ना.

गोमंतकु० : (फाट करून हात वावडून न्हयकार दिता.)

अत्मा : ऋशीचें कूळ आनी न्हंयचे मूळ विचारूं नये अशें म्हणटात.

तशेंच ह्या फिल्मवाल्यांचें. आमचें कितें? काम जालें म्हणटकूच जालें.

थाणू : (व्हदळसान हेच चिंतेंत आशिल्लो आतां गोमंतकुमाराक विचारता.) म्हाका सांग, म्हजे कथेंच बदल केला म्हण्टा तें कितें?

गोमंतकु० : हय. थोडो बदल केला पूण मूल कथासूत्राक कसलीच बाधा हाडूं ना.

थाणू : पूण बदल तरी कसलो?

गोमंतकु० : चार मिनाच्या खणिंच्या धनयांक चार चिऱ्यांखणिचो धनी केला.

थाणू : पूण म्हजी मूळ कथा मीनाखणीचेर आसा.

अत्मा : तुजी कथा बरी आसाच रे तशी. पूण ती म्हाका निर्मात्याक पेलूं नाका? मीनाच्यो खणी दाखोपाच्यो जाल्यार म्हाका धेंपो-चौगुलो आनी तिंबलो-साळगांवकर हांगेल्या पांया पडचें पडटलें. परत सगळें लटांबर घेवन तांगेल्या खणीर धांवचें पडटलें. तेपरस म्हज्यो चार चिऱ्यांच्यो खणी दाखोवप कितें वायट?

थाणू : मागीर विपाशा रावता त्या बंगल्याचें कितें? त्या बंगल्यांत अर्दें फिल्म घडटा.

अत्मा : बंगलो कित्याक जाय? चार चिऱ्यां खणीच्या धनयाचें हें चार चवक्यांचें घर खूब जालें.अर्दें कित्याक, अर्द्यावयर फिल्म हांगासर घडटा.

थाणू : आनी ते खणीवयले ट्रक्स, शॉवल तांचें कितें?

अत्मा : इतल्यो गाडयो, माकनां हांव खंयसावन हाडूं? आनी कथा बदलतकूच आतां तांची गरजूय ना. म्हजेकडेन एक ट्रक आसा. तो जाय थंय जाय तसो वापरपाचो.

थाणू : (गोमंतकुमाराक पळयत) पूण-

गोमंतकु० : तशे आनीकूय बारीक मोटे बदल केल्यात. पूण मूळ कथासुत्राक

कसलीच बाधा हाडीनासतना.

थाणू : पूण हें सगळें म्हजे परवानगेबगर कोणे केलें?

अत्मा : हें पळय, ह्या फिल्माचो 'कर्तो-सवर्तो' तो. (वयर बोट दाखोवन) पूण ह्या फिल्माचो कर्तो-निर्मातो वेवस्थापक-मॅनेजर सगळो हांव. म्हाका तांकता तेंच जातलें.

थाणू : पूण फिल्माचें नांव तरी-'खणींत मेळुंया मोगा!'

अत्मा : इतलो बदल जातकूच थोडें नांवूय बदलतलेंच न्हय.

गोमंतकु० : रायट. तुवें नांव दिल्लें, 'खणींत मेळुंया मोगा!' हें मातशें वेगळे पद्धतीन जालें. म्हणजे 'गीता गाती ज्ञानेश्वर', 'दुल्हन जो पिया मन भाये!'

थाणू : मागीर तातूंत कितें जालें? तातूंत काव्य आसा. 'खणींत मेळुंया मोगा!' काय बरी शिर्शक गीताची चाल लेगीत हांवें सुचयिल्ली. (गायत)

नाकां भिवुंया कोणा वागा
शिंयांत बसुंया उज्या धगा
खणींत मेळुंया मोगाऽऽ

गोमंतकु0 : काव्यबीव्य आसूं, पूण धडक ना. डॅशींगनेस ना. देखून आमी थोडो बदल केला. 'मोगाची खण'. तुजीं मोग आनी खण हीं दोनूय उतरां तश्शाक तशीं दवरल्यांत म्हणजे मूळ कथासुत्राक खंयच बादा हाडूं ना. आनी शिर्शकगीत जालां तें अशें-(गायत)

खण खण खण मोगाची खण
आंगार पडूं दी कितलेय घण

दत्ता : (ल्हवूच अत्माक) मोगाची खण काय मोगाचो खण?

अत्मा : हो देवतेक भेटयता तसलो व्हटयेचो खण-नाल्ल न्हय. खण म्हणजे म्हगेली चिऱ्यांची खण. चडसो मोग खणीचेरूय जाता म्हणून मोगाची खण.

दत्ता : वा! म्हणजे नांवानूच अर्दें राज्य जिखलें.

थाणू : म्हणजे आतां फिल्माचें नांव हेंच उरलें?' 'मोगाची खण?'

अत्मा : हय. हेंच आयच्या पेपराचेर (पेपराचें नांव) आयलां पळय.

थाणू : पेपराचेर पयलीं आयलां? आनी मागीर म्हाका कळटा? लेखकाक?

दत्ता : तातूंत कितें जालें? फिल्माचो म्हूर्त आमगेर आसा हें लेगीत म्हाका आयच्या पेपरांतल्यानूच कळ्ळें.

अत्मा : बरोबर. अशें जाता खरें. दत्तान समजून घेतलें ना? तशें दर एकल्यान समजून घेवपाचें. आनी (गोमंतकुमारक लेखून) डायरेक्टर म्हणटा तशें -

गोमंतकु० : मूळ कथासूत्राक बादा हाडिनासताना.

अत्मा : बरोबर. चलात. म्हूर्ताच्या शॉटाची तयारी करात. उद्देगमंत्री धना देसाय जुस्त वेळार येतलो.

दत्ता : मंत्री आनी वेळार येतलो? एक वेळ पावस येत.

अत्मा : ना. ना. हो तसो न्हय.

दत्ता : पूण सगळें सोडून म्हूर्ताखातीर उद्देगमंत्रीसो वेंचून काडलो? ते कला, संस्कृती, शिक्षण मंत्री बी आसताना?

अत्मा : म्हाका खणीच्या लायसनाखातीर तोच लागता न्हय? आनी फिल्म हो लेगीत गोयांत आतां उद्देग जाता न्हय? (गोमंतकुमाराक आनी थाणूक) आरे,असो वेळ काडूं नाका. म्हुर्ताच्या शॉटाची तयारी करात. म्हुर्ताचो शोट अशे तरेन जावंदी! मंत्री खुश! तो खुश जाल्यार मागीर आमी खूश!

गोमंतकु० : पूण हीं दोगांय येवंना. हांवें आदींच सांगिल्ले

अत्मा : दोगांय कोण?

गोमंतकु० : आनींक कोण? हिरो आनी हिरोईन.

दत्ता : आरे अत्मा, हांव तुकां तेंच विचारपाक सोदी. त्या हिरोचें बरें आसा. पूण तुगेल्या फिल्मांत बायलांची सवंगां दादलेच करतले काय कितें?

अत्मा : शे. फिल्म म्हणजे कितें दशावतारी खेळ समजलो तूं. टिवीवयलीं सगळीं खुमणीं तुकां ह्या फिल्मांत दिसतलीं. जंय जंय शूटींग आसा थंय थंय तीं येतलीं. हांगा फक्त हिरोईन.

दत्ता : पूण खंय रे तर ती?

अत्मा : दत्ता, तुकां जाणटेल्यांक इतली उमेद सोबना आं. येतली. ताणें ट्रकार बॅग धाडून दिलां.

दत्ता : तें पावलें भितर.

अत्मा : ती हिरोचे मोटारसायकलीर बसून येता. तांची हालींच वळख जाल्या. हालीं म्हणजे ह्या पिच्चराची- (आडखळटा)

गोमंतकु० : स्क्रीन टेस्ट.

अत्मा : आं. ती स्कीन टेस्ट घेतना हांची वळख जाली.

दत्ता : आनी इतले वळखीन रोखडींच मोटारसायकलीचेर?

अत्मा : तेचखातीर आसतात न्हय त्यो मोटारसायकली?

दत्ता : पूण मोटारसायकलीर येता जाल्यार तुगेल्या ट्रकाच्या पयलीं पावपाचीं न्हय?

अत्मा : ट्रकाक वाटेर आडेकडेक स्टॉप नाशिल्लो. मोटारसायकलीक आसा. समजलें?

दत्ता : समजलें. अणभव नासूं,पूण समजलें. तुगेली 'मोगाची खण' बरें रंगतलें. (थाणूचे फाटीर हात मारीत) मोगाची खण! (थाणूक नांव आवडूंक ना.)

अत्मा : कामांक लागात. तीं दोगांय वेळार हजर जातलीं. हें पळयात, गरज पडल्यार आनींक बदल करात पूण म्हूर्ताचो शॉट असो जावंदी - (दत्ताक) तुवें व्हदळ म्हणिल्लें तशें (याद करीत) अर्दें राज्य जिखलें!

गोमंतकु० : डोंट वरी. तूं भियेवं नाका. हांव पयल्याच शॉटांत आख्खें राज्य

जिखतां.

(गोमंतकुमार आनी थाणू भितर वतात.)

अत्मा : पोराचें डायरहेक्शन खंयूय पावं. आत्मविश्वास दोंगरायेदो!

दया : तोच म्हत्वाचो.

अत्मा : ह्या दोगांयनी बरें सहकार्य केल्यार पिच्चर खंयचे खंय पावतलें!

दत्ता : खंयचे खंय म्हणजे?

अत्मा : म्हणजे गोंयाभायर मुंबय, दिल्ली, दिल्लीभायर फ्रान्स बी. साता समुंदरा पलतडीं म्हटल्यार जाता. म्हणून म्हणटां त्या दोगांयचें बरें सहकार्य जाय.

दत्ता : दोगांयचें म्हणजे?

अत्मा : पौर्णिमा पै आनी दुर्गेश पर्वतकार. हिरोईन आनी हिरो! हिरोईनीचें विचारूंकच नाका. ती सगळ्यांक (आघाडीच्या कांय फिल्म नायीकांची नांवां) खातली. आनी हो पर्वतकारय फाटीं ना. तो त्या (आघाडीच्या कांय फिल्माच्या नायकांची नांवां) हिरोंक कसोच दवरीना.

दत्ता : अशें म्हणटा?

अत्मा : पळयशीत तूं. (भायलेवटेन कोणाचीतरी जाग येता. मोटारसायकलीचो आवाज.) आयलोसो दिसता. पयली गजाल म्हणल्यार जुनावपण आंगार कशें रसरसता. खणीर ताका उक्तोच दाखोवपाचो थारायला त्या सलमान खानाभशेन. तशें पळोवपाक गेल्यार त्या पौर्णिमाची कांय चूक ना. मुद्दाम चत्रायेन पळय.

(दत्ता उमळशिकेन भायर नदर लन रावत. कांयवेळान भायरसावन जाणटेलो शंकरमाम येता. धोतर, कोट,तोपी असो भेस. हातांत रोत, खांदाक शबनम बोटवो. तो येतना खांकत येता. दत्ता ताका पळोवन अजापता. दत्ता ताका वळखता.)

दत्ता : (उमेदीन) शंकरमाम! तूं? अत्मा, तुगेल्या पिच्चराचो हिरो हो?

(हांसता.)

शंकर : आरे दत्ता पणसा, कसो आसा रे बाबा? आदल्या असलोच जून आसा काय पिकला? (माथ्यार केंस पळयत) पिकला! पिकला! (दत्ताक) हांव पिच्चराचो हिरो? आरे सभाग्या, आमचे हिरो जावपाचे दीस हे? आमी जाल्या झिरो. (दोगांकूय लेखून) झिरो, झिरो, (अत्माचेर लक्ष वता. अत्मा खजिल जाला.) आरे, अत्मा कसलो निर्मातो काय बिर्मातो रे तूं? म्हाका सांडून येता?

अत्मा : चूक जाली शंकरमाम, ऐनवेळार सगळो बोवाळूच जालो. तुजी यादूच उरली ना.

शंकर : आतां पुता म्हजी याद कशी उरतली?

अत्मा : अशें कशें शंकरमाम, याद करून तुमकां पिच्चरान संवंग दिलें काय ना?

शंकर : दिलें रे बाबा, पूण म्हाका वाटेर कसो सांडलो तुमी? सकाळसावन मार्गार आसा मरे हांव.

अत्मा : हांव तेंच म्हणटां, आमचें एक बरें आसा. आमचो ट्रक दिसलो ना तुकां?

शंकर : ट्रक? तुमी सगळे ट्रकान आयल्या? तसो ट्रक पळयलो हांवें. आतां म्हणलें ट्रकार लोक आसात म्हणजे ट्रक कामदारांक घेवन खणीर बी वता आसतलो. सारखें दिसय ना न्हय.

दत्ता : शंकरमाम, तुजी कांय एक चूक ना आं.

अत्मा : म्हजेंच चुकलें तें. शंकरमाम, मातशें सांबाळून घेवपाचें.

शंकर : तें घेतलें हांवें. पायलट करून आयलां. भायर आसा तो. तागेले फारीक कर आनी सोड ताका.

अत्मा : बरें बरें. (अत्मा ताकतिकेन भायर वता.)

शंकर : दत्ता, तुगेर परत पावतलों आनी ह्या जाणटेपणांत अशें सपनांत लेगीत येवजूं नासलें. पूण नशिबांत योगायोग आसता. केन्ना केन्ना काळचक्र घुंवन घुंवन मूळ पदार येता. खूब बरें दिसलें.

ह्या घराची ओड वेगळीच. तुजी घरकान्न नासूं, पूण तिणें हे जिबेची केल्ली अर्थ अपुरबाय आजून यादस्तेंत तशीच आसा. तिगेलें खतखतें! हुमण! हुड्डमेथी! आजून हाताचो वास वचूंना कसो दिसता. त्या मानान हे धर्तरेवयल्या नाटकांतलो तिगेलो प्रवेश खूब बेगीन सोंपलो.

दत्ता : शंकरमाम आसूं तें.

शंकर : तुजो धंदो तोच मरे, म्हशींचो?

दत्ता : हय, दुदाचो. मनांत येवजिलां तें साध्य जालें जाल्यार त्या धंद्याक बरकत येत.

शंकर : येतली. कित्याक येवची ना. आनी तुजी एकलीच धूव. तिचें लग्न जालें?

दत्ता : तीच एक व्हडली चिंता.

शंकर : खंय जुळना?

दत्ता : पयलीं बेस बरें जुळटा. पूण तें नॉत कळटकच सोयरीक मोडटा.

शंकर : बरोबर. नॉत तरी अशें तशें? जल्माचें. जावं एका निमतान पोराचेर नदर घालपाक मेळटली.

दत्ता : खरेंच शंकरमाम, तुमी आयले आनी सगळ्यो फाटल्यो यादी सोपाणां चडून वयर आयल्यो. शिगम्याच्या नाटकांत म्हयनो देड म्हयनो तुमची पथारी आमगेरूच आसताली.

शंकर : तुमगेर म्हणजे (बसपाची एक जागा दाखयत.) ही हांगां. म्हजी वार पुरील्लेभशेन हांव हांगाच बसतालों. न्हीदतालों आनी आतांय हांव ही म्हजी जागा सोडपी न्हय. (खांदावयलो बोटवो थंय दवरता.) वा! कितें दीस आशिल्ले ते! आतां नाटकांक जाता तितले लोक तेन्ना येसायांक जाताले.

दत्ता : आनी नटी येता त्या दिसा दोब्राद.

शंकर : बरोबर.

दत्ता : आनी शंकरमाम, आठ नाटकांनी तुज्यो आठ भुमिका. तुज्या

वांगडा आमकांय बारीकमोटीं संवंगां.

शंकर : (याद करीत) 'संगीत संशयकल्लोळ' फाल्गुनराव, 'संगीत मृच्छकटीक' शकार, 'संगीत शारदा' भुजंगनाथ 'संगीत एकचप्याला' तळीराम, 'संगीत मानापमान' लक्ष्मीधर, 'संगीत विद्याहरण' शुक्राचार्य, 'संगीत द्रौपदीवस्त्रहरण' शकुनी आनी 'संगीत सौभद्र'–

दत्ता : (नाटकीपणान) नाऽऽ राऽयण!

शंकर : बरोबर. नारद

दत्ता : सौभद्रांतलो कळ लावपी नारद आनी द्रौपदी वस्त्रहरणांतलो भाच्यांक चिथावपी शकुनीमामा ह्यो तुमच्यो गाजिल्ल्यो भुमिका.

शंकर : सारकें. आजून म्हाका नारद आनी शकुनीमाम म्हण भर रस्त्यांत उलो मारपी लोक आसात.

दत्ता : आनी शंकरमाम, तूं आसाय बी तसो.

शंकर : जालें! तुंवूय लागलो फकाणां करपाक? (उस्वासान) नाटक झाले जन्माचे!

(भायरसावन अत्मा येता.)

शंकर : जालें! सोंपलो तो नाटकांचो काळ. आतां नाटकांचो सुकाळ जाला खरो. पूण ती ऐट ना.

दत्ता : आनी आतांचो काळ पिच्चरांचो. आतां चिऱ्यांकार लेगीत नवी खण सोदपाची सोडून पिच्चरां काडपाक लागले.

शंकर : काडूं रे बाबडे! काडूं! म्हजी तीच एक निमाणी इत्सा उरिल्ली. नाटकांनी इतलीं कामां केलीं, मरचेआदीं सिनेमांत एक काम करचें आनी सासणाचो त्या फिल्मांत जितो-जिवो तसोच उरचो. ह्या अत्म्याच्या आदारान म्हजें सपन फळाक आयलें. संवंग कितेंय आसूं, आंगूळभर, वेंतभर.

अत्मा : वेंतभर कित्याक? बरें हातभर – वांवभर आसा. तुकां उणें पडटा जाल्यार सांग. हांव त्या बरोवप्याक आनी डायरेक्टराक

सांगून वाडोवन दितां.

शंकर : नाका, नाका. तुर्ताक नाका. मागीर पळोवंया.

अत्मा : शंकरमाम, हे सगळे नवे पोर. नवे कावळे म्हटल्यार जाता. तांचेमदीं तुमी सगळ्यांत जाणटे. तुमी हांकां सांबाळून घेवपाचे.

शंकर : हांवें? सांबाळून घेवपाचे? आतांच्या पोरांक?

गोमंतकु० : (भायर येत–दिग्दर्शकाच्या तोऱ्यांत) मिस्टर शंकर, पयलींच तुमी उसरां आयल्यात. म्हुर्ताचो शॉट तुमचेर आसा. मेकपाक बसात. (भितर वता.)

शंकर : (दोगांकूय) पळयलें? हांकां हांवें सांबाळून घेवपाचे? हाणी आमच्या धोतराक हात घातलो ना म्हणटकूच जालें. जावं, नशिबान घोव खावचो म्हणटा तो असो – म्हुर्ताचो शॉट म्हजेर.

दत्ता : शंकरमाम, तुजोच मान तो.

शंकर : (गोमंतकुमाराक) पूण म्हजो खड्डो? खड्डो म्हणजे भाशण? संवाद?

गोमंतकु० : यू मीन डायलॉग? पयल्या सीनाक तुमकां डायलॉग ना.

शंकर : वा! एक हुस्को गेलो. सीनाक डायलॉग ना.

दत्ता : शंकरमाम, तुमकां तांगेले ते बरयिल्ले डायलॉग कित्याक जाय? तुमचो खोंटलोभर फाटलो अणभव. कातर भाजी!

शंकर : शे! शे! तें नाटकांनी, सिनेमांनी चलना.

गोमंतकु० : (दटायत) मिस्टर शंकर,

शंकर : यस, यस. फॉर मेकअप. (बेगीबेगीन आपली पिशवी घेवन भितर वता.)

गोमंतकु० : (अत्माक) प्रोड्युसर, दुर्गेश आनी पौर्णिमा आजून पावूंक ना. म्हाका हें असलें अजिबात चलचें ना. आय कान्ट टोलरेट इट. ही शिगम्याच्या नाटकाची येसाय न्हय. आनी तुमी म्हाकां कितें सांगिल्ले, जाय त्या मनशाक जाय तेन्ना हजर करतां म्हणून.

म्हाकां म्हुर्ताच्या शॉटाक हिरो आनी हिरोईन जाय. (सडसडीत भितर वता.)

दत्ता : बरो कडक आसा तुगेलो डायरेक्टर. हातांत बडी दिल्यार राखणो बरो सोबतलो. बस म्हणल्यार बस. ऊठ म्हणल्यार ऊठ. म्हाका हो पोर आवडलो. पूण वळख दाखयना.

अत्मा : ह्या दोगांकूय सकाळीफुडें कसली अवदीसा येवजली काय म्हणटां!

दत्ता : ते अवदिशेक वेळकाळ कांय लागना, तरणे पिरायेर.

अत्मा : (ना कळून) खंयचे अवदिशेक?

(मागीर दोगूय मोटमोट्यान हांसतात. इतल्यान भायरसावन एकलो धांवत येता. हाणें पारंपारीक खलनायकाक सोबपी भेस आनी मेकअप केला.)

तिळू : पणसालें घर हेंच?

दत्ता : कित्याक रे बाबा? कसलो रकाद घेवन आयला?

तिळू : हांव तिळू. तिळू फुलकार.

दत्ता : हांव पणस. दत्ता पणस.

तिळू : फिल्माचें शूटींग तुमगेर चलता?

दत्ता : हय. हो ताचो निर्मातो. अत्मा, अत्माराम.

तिळू : (खास स्टायलीन अत्म्याच्या पांयाक हात लावन नमस्कार करता.) हांव तिळू फुलकार. व्हिलन! हांवें स्क्रीन टेस्ट दिल्ली, हांव पास जालां. हांव खलनायकाचे भुमिकेखातीर सिलेक्ट जालां.

अत्मा : खबर आसा म्हाका.

तिळू : म्हजो रोल म्हाका दवरला न्हय?

अत्मा : रोल दवरला. कोणें खावंक ना. म्हणजे तुजो तुकांच.

तिळू : मातसो उशीर जालो.

अत्मा : योग्य वेळार पावलो.

तिळू : म्हजे डायलॉग खंय?

अत्मा : भितर आसा. तें सगळें युनीट भितर आसा. डायरेक्टरूय थंयच आसा. चल, पयलीं तोंडाक आलयाद काड.

तिळू : मेकअप? तो हांव करूनच आयलां. तेचखातीर उशीर जालो.

(अत्मा आनी दत्ता ताका चत्रायेन पळयतात. तो पॉज घेता.)

तिळू : कसो दिसता?

दत्ता : फस्कलास. तूं सगळ्यांक खातलो.

तिळू : थँक्यू! फिल्मांत म्हाका एक बलात्काराचो सीन आसा.

दत्ता : अशें!

तिळू : तशें हांवें जायते बलात्कार केल्या म्हणजे नाटकांनी बलात्काराचे सीन केल्या. तेचखातीर हांव चड फामाद आसां. सिनेमांत पयलेच खेप बलात्कार करतलों. कोणाचेर बलात्कार करपाचो?

अत्मा : तें तुकां भितर डायरेक्टर समजावन दितले.

दत्ता : तुज्या बलात्काराचे सीनाक आमचीं तुकां परबीं! आमच्यो शुभेच्छा!

तिळू : (आदलेच स्टायलींत दत्ताच्या पांयार घालून घेता.) थँक्यू!

दत्ता : चल, आतां भितर वचून डायरेक्टराच्या पांयार घालून घे.

(तिळू तेच स्टायलींत भितर वता. अत्मा घड्याळीकडेन पळोवन भायर वाट पळयता.)

दत्ता : आतां स्वतः निर्मात्यान ह्या हिरो आनी हिरोईनीची वाट पळोवप म्हणजे अती जालें.

अत्मा : हांव तांची वाट पळयना. तीं कित्यल्याय उसरां येवं. तांचेखातीर म्हजो म्हूर्त अडचो ना. एक सीन नाजाल्यार दुसरो. तितलें म्हाकांय कळटा.हांव ह्या डायरेक्टराचो बारसो जेवलां. हांव वाट पळयतां ती आमच्या उद्देगमंत्र्याची.

दत्ता : हे मंत्री म्हणल्यार तांगेले उद्देग असंख्य आनी खासा उद्देगमंत्री

म्हणजे विचारूंकच नाका. पूण वेळार येतलो म्हणटा तूं?

अत्मा : वेळार आयलो ना जाल्यार ताचोय उपाय आसा म्हजेकडेन.

दत्ता : तसो तूं चांडाळ रे अत्मा.

अत्मा : आनी तो आयलो ना जाल्यारूय कांय अडचें ना.

दत्ता : म्हणजे?

अत्मा : म्हणजे थारलेलें शूटींग चालू. मंत्री येता तेन्ना मदींच म्हूर्त जातलो.

दत्ता : म्हणजे पयलीं शूटींग आनी मागीर म्हूर्त.

अत्मा : हरशीं म्हण पिच्चरांच्या शुटींगान कितें सगलें एके लायनीन जाता? पयलीं भुरगें जाता. मागीर लग्न जाता. मागीर एडीट बिडीट करता तेन्ना एके लायनीर घालता.

दत्ता : बरेंच गिन्यान जोडलां मरे तुवें.

अत्मा : गरजेपुरतें जोडलां. रानांत पडलो म्हणटकूच राकेस जाता खंय! तशें. आनी तुजेसारखे सहकारी आसा म्हण हो खेळ.

दत्ता : जालेंच. घर सगळें तुज्या ताब्यांत. घरांत आमी इन मीन तीन म्हणटा तशीं. तुगेलें हें मातशें सुरवातीचें पळोवन मागीर मातसो भायर सरतलों म्हणटां.

अत्मा : बरेभाशेन. ही रोखडीच आतां म्हुर्ताची शॉट जातली.आमकां मातसो शुभ-अशुभाचो पास्सो आसा म्हणून हें करपाचें. आनी सगळेच करतात. तशें हांवें बाकिचें सगळें वेवस्थींत केलां. प्रसाद पाकळी जाल्या. कोणाक़ अभिशेक, कोणाक ज्योत,कोणाक सोरो-रोंट, सगळें जुस्ताज्युस्त आंगोवन दवरलां. शुभकार्याक कसली नखलामी नाका. हांव भितर गेलेबगर हांचें बेगीन जावपाचें ना. (अत्मा भितर वता. कांय वेळान भायर सावन दोग जाणां येतात. म्हणल्यार दुर्गेश पर्वतकार आनी पौर्णिमा पै. दुर्गेशान पौर्णिमाक उबारून हाडलां. पौर्णिमाचो पांय-पावल बँडेज केलां. जाल्यार दुर्गेशान शर्ट काडून खांदार वडयला. ताका भुजांक बी खरचटलां.)

दुर्गेश : पणसालें घर हेंच न्हय?

दत्ता : हय. हांवूच पणस. (दुबावान) तुमी –

दुर्गेश : हांव दुर्गेश पर्वतकार, हें पौर्णिमा पै.

दत्ता : बरोबर. तुमकां रावतात सगले. सुरवात तुमचेपासूनच जाता न्हय? (पळोवन) तुमीय भायलेभायर मेकअप करून आनी कपडे घालून–काडून आयल्यात. उशीर जावं. पूण बरें केलें. तितलोच वेळ वांचलो.

दुर्गेश : कसल्या वेळाचें घेवन बसल्यात तुमी? आमी दोगांय वांचलीं तें व्हडलें.

दत्ता : म्हणजे?

(इतल्यान अत्मा भायर येता. तांकां पळोवन)

अत्मा : आरे, दुर्गेश, पौर्णिमा हें कितें जालें?

दुर्गेश : वाटेर मोटारबायकाक ॲक्सिडेंट जालो.

अत्मा : शी बाबा. कोणें ठोकर दिली?

दुर्गेश : ना.आमीच पडलीं. बायक मर्दींच स्लीप जाली. पयलीं पौर्णिमा शेंवटून पडलें.

अत्मा : आगो, तूं ताका घट धरून बसपाचें न्हय?

पौर्णिमा : (रडत) तशेंच बशिल्लें. ताचो तोल गेलो. आनी ताणें ब्रेक मारलो. तेसरशीं हांव शेंवटलें.

दुर्गेश : ताका सांबाळपाचो यत्न करताना हांवूय पडलों. हांव पोंदा, मोटारसायकल वयर. शर्ट बी पिंजलो. तशींच दोतोराकडेन गेलीं. दोतोरान सांगलां, पांयांक फ्रॅक्चर ना.

पौर्णिमा : पूण म्हजो पांय कसोच जमनीक लागना. दोतोरान सांगलां, सात–आठ दीस तरी असोच उरतलो. (रडत) म्हजें आतां कितें जातलें?

दत्ता : भियेवं नाका. जातलो सारखो.

पौर्णिमा : म्हाका पांयाचें पडूं ना. म्हज्या रोलाचें पडलां.

अत्मा : रोलाचें पडिल्लें जाल्यार पयल्यान पयलीं हो पडपाचो पराक्रम

करपाइतली परिस्थिती हाडचें नाशिल्लें.

(पौर्णिमा रडटा. दुर्गेश ताका समजावपाचो यत्न करता.)

दत्ता : (समजायत) हें पळय, जिवावयलें इतलें पांयाचेर भागलें म्हण देवाचे उपकार मान. आनी भियेवं नाका. हो अत्मा मोटो हुशार मनीस. ताका वांकडो चिरोसुद्धां खपोवपाक कळटा. तो काडटलो कितेंतरी उपाय सोदून. चला, भितर चला. तो डायरेक्टर आदींच तापला.

(दोगांय भितर वतात. अत्मा चिंतेस्त.)

ती प्रसाद-पाकळी, आंगवणी-बिंगवणी, तेल-रोंट वेवस्थित केलां म्हण सांगतालो मरे तूं.

अत्मा : ते देव-देंवचार कोणा कोणाचेर म्हणून नदर दवरतले? आमचेरूच पयलीं आयला सांवार!

दत्ता : बरोबर.

(भितरसावन गोमंतकुमार रागान येता.)

गोमंतकु० : प्रोड्युसर, असली पांय मोडकी हिरोईन घेवन हांव कितें करूं?

अत्मा : तिचो पांय कितें हांवें मोडला? आनी मोडूना तो, तिरपला. सात-आठ दिसांनी सारखो जातलो. तूं तुजें काम चालू कर.

गोमंतकु० : काम चालू कर? आनी तिचें कितें करूं?

अत्मा : तिचें कितें करपाचें ती जापसालदारकी तिगेल्या सांगात्यान घेतल्या.

गोमंतकु० : तें म्हणना हांव. असली थोंटी हिरोईन कशी चलतली? आय कांट कॉमप्रमायजङ्. म्हाका दुसरी हिरोईन हाड.

अत्मा : दुसरी? ती कितें बावली? ही ना तर दुसरी?जाता तशी हिकाच चलय.

गोमंतकु० : म्हणजे?

अत्मा : पयल्या आठ दिसांच्या शुटींगान तिका थोंटी दाखय. मागीर सारखी चलता अशी दाखय.

गोमंतकु० : पयलीं थोंटी आनी मागीर सारखी?

अत्मा : आतां तेंवूय तुकां हांव शिकोवं? सारखी चलता तो भाग पयलीं घाल आनी थोंटेपणाचो भाग मागील घाल. काम जालें.

गोमंतकु० : पूण अशें कशें जातलें?

अत्मा : (थोडेशे दटायेन) तशेंच जातलें.

(गोमंतकुमार तसोच भितर वता.)

अत्मा : कसल्या पांयांचे घेवन बसला रे हो? हांगा आशिल्लो पांय ना करता. नाशिल्लो पांय दाखयता. करपीच जाय.

दत्ता : बरोबर. इत्सा आसता थंय मार्ग ना पडला?

अत्मा : हांकां सगळें आयतें हाताकडेन जाय. तकली वापरपाक नाका.

दत्ता : बरोबर. शिकल्या आनी खंय!

(इतल्यान थाणू नायक धांवत येता.)

थाणू : अत्मारामबाब, हें हांव कितें आयकतां? म्हजी हिरोईन थोंटी दाखोवपाची?

अत्मा : हय.

थाणू : पूण मूळ कथेंत ती तशी ना.

अत्मा : मूळ कथेंत नासूं पूण खरेपणी ती थोंटी आसा काय ना?

थाणू : आसा.

अत्मा : मागीर तुजे कथेंत तिका तशी कर. तुकां येवजना जाल्यार म्हाका विचार. हांव सांगतां. अशें कर. ती कोण तुजी विपाशा, तर तिचो बापूय तो विघ्नराज. विक्रांताचो मोग करता म्हण तो आदींच धुवेचेर कोंत्र. आपलें म्हणणें आयकून घेना म्हण तो तिच्या पांयार दांडो मारता आनी तिका लंगडी करता अशें दाखय. कितें सीन जातलो!

थाणू : अशें कर म्हणटा?

अत्मा : अशेंच करपाचें. शंकरमामाकडेन दांड्यासारखें रोत लेगीत आसा.

थाणू : पूण-

अत्मा : पूण हें सगळें करताना तुजे मूळ कथावस्तूक खंयच बादा येवची ना हाची काळजी तुजेपरीन तूं घे. आनी म्हजेपरीन हांव घेता. समजलें?

(थाणू मोन्यानी मान सकयल घालून भितर वता.)

दत्ता : वा! अत्मा मानलो तुकां आं. कितें तकली रे! खरें म्हटल्यार ह्या फिल्माची इस्टोरी तुवेंच रचपाची. वगीच त्या नाटक्याची इस्टोरी घेतली.

अत्मा : पूण भुरग्यांकूय म्हण संद दिवपाकूय जाय न्हय. पूण संद दिली म्हण हांकां माथ्यार चडूंक दिवपाक फावना. हांगा भुजामेरेन हाडपाचें. बस्स. पळय, सगळे कशे मोन्यांनी कामांक लागले.

(गोमंतकुमार, थाणू भायर येतात. वांगडा कॅमरामन, ध्वनिमुद्रक, लायटमन, स्पॉटबॉयज. गोमंतकुमार एकएकल्याक कामां फर्मायता.)

गोमंतकु० : चलो, पयलो शॉट. शॉट नंबर नायन्टी. होच म्हुर्ताचो शॉट. प्रोपर्टी रेडी करात.

(एक एकलो एक एक सामान हाडून दवरता. अत्मा आनी दत्ता कवतुकान पळयतात.पयलीं एकलो एक कोंड्याचें किरवड हाडून दवरता. कॅमरा युनीट किरवडा वटेन कॅमरा लायतात. तेवटेन लायट एडजस्ट करतात. अत्माक आनी दत्ताक अजाप जाता. दत्ता अत्माक विचारपाचो यत्न करता. पूण अत्मा ताका मुखार पळोवया म्हण समजायता. थोड्या वेळान एकटो कोंड्याच्या तिखट्याचेर बांदिल्ले कुयणें / मडकी घेवन येता. तातूंत धूप घातला. ताचो धुंवोर येता. किरवडा कुशीक दवरता.)

गोमंतकु० : (आड्डता.) कॅरेक्टर.

(ते सरशीं दुर्गेश आनी पौर्णिमा रडक्या मुखामळान भायर

येतात. ताणी दुसरो भेस केला. तीं येवन किरवडा म्हऱ्यांत मानो सकयल घालून उबीं रावतात.)

गोमंतकु० : (आइडत) शंकरमाम,
(तेसरशीं तोंड वांकडें करीत शंकरमाम येता. ताणें धोतर, खोमीस असो सादो भेस केला. तो किरवडाचेर उदारो न्हिदता.)

गोमंतकु० : (आइडत) ट्रायल शॉट. लाऽऽयट.साऽऽ वंड. एऽऽक्शन.
(तेसरशीं दुर्गेश आनी पौर्णिमा व्हडल्यान आडेच्यो बोबो मारून रडटात.)

गोमंतकु० : (मर्दीच) कट. ओ.के. प्रोड्युसर शॉट रेडी. तुगेलो मंत्री खंय?

दत्ता : (मुखार येत) त्या मंत्र्याचें बरें आसा. तो येता तेन्ना खरो. पूण म्हाका एक सांगात.

गोमंतकु० : सायलेन्स. बोवाळ नाका.

दत्ता : आरे, हांव तुकांच विचारतां. म्हज्या घरांत तूं म्हाकाच दटायता?

गोमंतकु० : कितें करपाचें आसा तें प्रोड्युसराक विचार.

दत्ता : ताका विचारपाक जाय तेन्ना विचारतां रे. पयलीं हांव विचारतां ताची जाप दी.

गोमंतकु० : कितें?

दत्ता : हें कितें चल्लां?

गोमंतकु० : शुटींग.

दत्ता : तें खबर आसा म्हाका. (बोट दाखोवन) हें हें कितें चल्लां?

गोमंतकु० : सीन. सीन म्हणटा ताका.

दत्ता : तेंवूय कळटा म्हाका. पूण ही सीन कसली?

गोमंतकु० : कसली म्हणजे? तें कळना तुकां? मर्णाचो सीन

दत्ता : आनी ती सीन सगळ्यान पयलीं. पिच्चराचो म्हूर्तच मर्णान?

थाणू : खरें म्हणल्यार हांवें तो सीन पयलो बरोवंक ना. णव्वदावो

बरयला.

गोमंतकु० : पूण सोयीखातीर तो पयलो घेतला.

अत्मा : (रागान) तुकां कितें अक्कल बी आसा कांय ना? कसलो डायरेक्टर तूं? पिच्चरां डायरेक्ट करता. तेपरस तुवें दत्ताल्यो म्हशी राखिल्ल्यो बऱ्यो!

दत्ता : म्हज्या घरांत आनीक कितेंय करात. मोग-फोग, लग्नां-फळी सोबनां, झगडीं-झुजां सगळें. पूण हो असलो मर्णाची सीन करपाक मेळची ना. ही सीन ह्या घरांत फक्त एकदांच जातली. म्हज्या मर्णाच्या वेळार. (अत्माक) तुवें जर म्हाका आदींच चत्राय दिल्ली, ह्यो असल्यो सीनी बी आसात म्हणून जाल्यार हांव तुकां घराचो हुमरोच हुपूंक दिवचो नासलों.

अत्मा : म्हाका म्हणून हें आतांच कळ्ळां. खरें म्हणल्यार मर्णाचो सीन,त्यो बोबो-हुयेली दाखोवपाच्यो कांयच गरज ना. भायर उक्ताडार एक बरें सुक्या लाकडाचें सरण रचपाचें. आनी पेत्रोल घालून ताका उजो लावपाचो. वयर मनशाक सुद्धा न्हिदोवपाची गरज ना. कुशीक सोयऱ्या धायऱ्यांक धवे कपडे घालून मानो सकयल घालून एके हारीन उबे करपाचे. कॅमरान हेवटेन तेवटेन चार अँगल घेवपाचे. फाटल्यान ‘ओंव ओंव ओंव’ वाजता असलें व्हायोलिनाचे बॅकग्रावंड म्युझिक घालपाचें जालें मर्ण!

दत्ता : वा! ही काय बरी सीन जाली! ही असली सीन फाटल्या पोरसांत बी करपाक म्हजी कसली हरकत ना.

थाणू : बरोबर. हो सीन भायरूच करपाचो. हांव तसो तो बरयतां.

गोमंतकु० : बरें आसा. आदीं तूं सीन बरय. मागीर हांव ताचेर विचार करतां.

अत्मा : तातूंत विचार कसलो कपलाचो करपाचो? ताचे मूळ कथेक बादा येना जातकूच जालें.

गोमंतकु० : ओ.के. हो सीन कॅन्सल.

दत्ता : उठ शंकरमाम, तुजें मर्ण टळ्ळें.

शंकर : (उठत) तरी म्हटलें, हे सिनीक डायलॉग ना कशे! (दत्ताक) तुवें बरें केलें आं. घरकार सोबलो तूं. तुवें घर दिलां म्हणजे घराची इभ्रत दिवंक ना.

(मनीस मांडिल्लें सामान कडेक काडटात.)

पौर्णिमा : (दुर्गेशाक) हो सीन असोच जाल्लो जाल्यार म्हाका खूब बऱ्याक पडटलें आसलें.

दुर्गेश : कित्याक म्हणटा तूं?

पौर्णिमा : पांयाचे सणसण आजून वचूं ना. तेखातीर म्हाका आपशींच रडपाक येता. आडेचें आनी रडचें पडचें नासलें.

गोमंतकु० : सगळे लागीं येयात. मुखावयलो सीन समजून घेयात. दुर्गेश, पौर्णिमा, शंकरबाब.

(सगळेजाण गोमंतकुमाराकडेन वतात. कॅमरा युनीटय थंय आसा. गोमंतकुमार तांका फुडलो सीन समजावन सांगता. भायरसान मंत्र्याचे गाडयेचो सायरन आयकूंक येता. थोड्या-वेळान भायरसावन बुदो धांवत येता.)

बुदो : भाटकारा, भाटकारा,

दत्ता : कितें जालां रे?

बुदो : म्हशी भुजल्यो.

दत्ता : म्हशी भुजल्यो?

बुदो : हय. तांबड्या दिव्याची गाडी पळोवन म्हशी भुजल्यो. भाटकारा मंत्र्याची गाडी येता.

अत्मा : आं. हो उद्देगमंत्री आयलो दिसता. (दत्ताक) हांवें सांगूंक नासलो? तसो उतराचो सेर्त. फाटलीं तीन इलेसांवां वगीच हारोहार जिकूंना! (गोमंतकुमाराक) हें पळय मंत्री येता. म्हुर्ताची शॉट आतां जातली. बरीचशी सीन वेंचून काडात. ना जाल्यार नव्यान बरयात. मंत्री खुश जावपाक जाय. नाजाल्यार आसा तीं म्हजीं खणींचीं लायसनां कॅन्सल करीत. (दत्ताक) मंत्री म्हज्या

पिच्चराखातीर येवं पूण तुज्याय घरांत येता.

दत्ता : जावं! तुजेखातीर म्हज्या घराक मंत्र्याचो पांय लागतलो.

अत्मा : हांव भायर वतां. तूं दारांत येवकाराक राव. आनी हें पळय, एक नाल्ल लागतलो.

(ताकतिकेन भायर वता.)

दत्ता : एक कित्याक, धा हजर करतां. बुद्या,

बुदो : भाटकारा, धा नाल्ल कित्याक ते?

दत्ता : पंचखाद्य करपाक. सांगता तें आयक. भितर वचून एक बरोसो नाल्ल घेवन यो.

बुदो : सोल्लेलो काय सोलूंक नासलेलो?

दत्ता : फोडपाक कसलो नाल्ल लागता?

बुदो : सोल्लेलो. आनी नाल्ल फोडपाक कितें हाडूं?

दत्ता : तुजो (तकलेचो) खड्डो आसा तो पुरो ना? आनी एक दिवली. वाती आशिल्ली काय वाती नाशिल्ली हें विचारूं नाका. पेटोवन हाड.

बुदो : बरें.

दत्ता : हें पळय, पेटोवन हाडूं नाका.

बुदो : बरें. पालोवन हाडटां.

दत्ता : नाका. तशीय नाका. म्हणजे दिवलीच नाका. अत्मान फक्त नाल्लूच सांगला. तितलो एक नाल्ल घेवन यो.

बुदो : आनी आडसरां बी नाका न्हू?

दत्ता : आडसरां? क़ोणांक उपास आसा?

बुदो : मंत्र्याक.

दत्ता : तें बरें कळटा मरे तुकां? तुजीं आडसरां पिवपाक ताका फुरसत आसपाक नाका? आनी देसाय तो. सकाळीं आडसराच्या उदकान तोंड धुता आसतलो. तूं नाका आशिल्लें एक एक मुखार काडूं नाका. त्या म्हशींचेर लक्ष आसा मरे?

बुदो : आसा तर. तुमकां पिच्चराचें पडलां तशें म्हाका म्हज्या म्हशींचें

पडलां.

दत्ता : शाणो तो!

बुदो : फुलां माळूं नाका म्हाका. ते मंत्री येता तेका माळ तीं, तुगेलीं पिशीं आबोलीं!

(भितर वता. भायरसावन अत्मा ताकतिकेन येता.)

अत्मा : मंत्र्याक खूब गडबड आसा. आयज ताका पोळें साकून तेरेखोल मेरेन तरातरांचें कार्यक्रम आसात. हांगा आडवाटेन आयलो तें आमचें नशीब. तो येतलो. नाल्ल फोडटलो, चेप काडटलो, (क्लॅप ह्या अर्थान) एक भाशण फोडटलो – करतलो आनी वतलो.

दत्ता : हो बुदो आडसरां आनी काडूया म्हणटालो.

अत्मा : काडूं दी.

दत्ता : मंत्र्याखातीर.

अत्मा : आं. ताचेखातीर? पळयिल्लेभितर ताका आडसर पिवपाक सोड, आडसराक हात लावपाक लेगीत फुरसत ना. आतां गाड्येन ह्योऽऽ फायली आनी हेऽऽ दोन ऑफीसर भरून घेवन आयला. (गोमंतकुमाराक) तुमी तयार आसात?

गोमंतकु० : एस. रेडी. (तो युनीटाक चत्राय दिता.)

कॅमराऽऽ, सांवऽऽड, लाऽऽयट –

(सगळे तयारेन रावता. दुर्गेश आनी पौर्णिमा एके विशिश्ट सुवातेर दिग्दर्शकान आदीं सांगल्लेप्रमाण थीर रावतात, आज्ञेची वाट पळयत. बाकिचे कलाकार कुशीक उबे रावतात. अत्मा भायर वता. रोखडोच भितर येता. फाटोफाट धना देसाय. मख्ख मुखामळ. खूब कामाचो ताण आशिल्ले भशेन. भेस मंत्र्याक सोबसारखो. एके विशिश्ट पद्धतीन येता. बुदो भितरसावन भायर येता. नाल्ल हाडून दत्ताच्या हातांत दिता. मंत्री सगळ्यांक नमंस्कार करीत येता. दत्ताकडेन पावतकूच दत्ता हातांतलो नाल्ल ताचेकडेन दिता. मंत्री नाल्ल घेवन मुखार वता. अत्मा

एके सुवातेर खुणा करता. मंत्री नाल्ल आदळटा. तेसरशीं सगळें आंग काडटात. मंत्री नाल्ल फोडून थंयच दवरता. सगळे दुबावान नाल्लाकडेन पळयतात. एकामेकाक कुरवांनीच नाल्ल कुसला म्हणून सांगतात. बुद्याचेर आकांत येता. मंत्री आपलेच तनरेंत. तसोच मुखार येता. एक मनीस (थरिल्लो) मुखार येता. ताच्या हातांत क्लॅप आसा. ताचेर Mohoort म्हणून बरयलां.तो पाटी मंत्र्याच्या हातांत दिता. मंत्री ती घेवन सीनामुखार उबो रावता. क्लॅप दिता.कुशीक सरता.)

गोमंतकु० : (आड्डत) ॲक्शन.

(कॅमेरा चलता. सीन सुरू जाता.)

(विक्रांताचो-दुर्गेशाचो हात पोशेत विपाशा - पौर्णिमा उबें आसा. इतल्यान विघ्नराज-शंकरमाम येता. ताच्या हातांत बॅत आसा.)

शंकर : (आड्डत) विपाशा, हांव हें कितें पळयतां? म्हजे दोळे म्हाका फटयतात काय स्वतः म्हजी एकुलती धुवूच म्हाका फटयता?

पौर्णिमा : पापा, तुमचे दोळे तुमकां केन्नाच फटोवचे नात.कारण तुमचे दोळे तुमी दोतोर कैसऱ्याकडल्यान नित्यनेमान तपासून घेतात. पूण तुमी जें पळयतात तें मात तुमच्या फुटक्या नशिबान खरें आसा.

शंकर : (आड्डत) स्वताचीच धूव बापायक फुटक्या नशिबाची लेखता? हाय रे देवा! हांव चिऱ्यांचें खणिचो धनी. आयुष्यभर हांवें असंख्य फातरांक आकार दिवन तांचे चिरे घडोवपाचें काम केलें पूण म्हज्या एकुलत्या एका भुरग्याक आकार दिवन हांव मनीस म्हण घडोवंक पावलो ना. हाय! हाय कितें हो दैवदुर्विलास!

पौर्णिमा : पापा, तुज्या काळजाचे उतळताप आनी उल्हास म्हाका कळटात पूण मोगामुखार म्हजो नाईलाज आसा.

शंकर : कसलो मोग? विंचवाक चिन्यापोंदा चेंचून मारचो तसो तुगेलो मोग हांव थंयचे थंय काबार करूंक आसा. तुज्या मोगाक उजो लावंक आसा.

दुर्गेश : पापा, चुकता तूं. उजो लायतात फोगाक, न्हय मोगाक. मोग अव्रंवर आसा. मोग अमर–अकबर–अँथनी आसा.

शंकर : तोंड बंद कर विक्रांत. हो विघ्नराज तुकां फर्मायता. म्हजे धुवेचो हात तुज्या हातांत आसा म्हणजे सगळें ब्रह्मांड तुज्या हातांत आसा अशें समजूं नाका. गिरेस्तांच्या धुवांक आपल्या नादाक लावपी तुज्या सारख्या देड दमडेच्या नावाडग्यांकडेन हांव उलोवपाक सोदीना.

दुर्गेश : तूं उलय वा उलोवं नाका. पूण हांव तुजो जावंय जातलों हें सूर्यप्रकाशा इतलें सत् आसा.

शंकर : म्हजो जावंय जातलो? चल दळडिन्या, बापायक माटोव रचपाक सांग आनी आवयक दांती मांडपाक लाय. म्हजो जांवय जावपाचीं सपनां पळयता? जांवय जावपाक पयलीं म्हजी धूव उरपाक नाका. लक्षांत धरात, हो विघ्नराज जशी खण खणपाक जाणां तशी ती पुरोवपाकूय जाणां. तूं म्हगेर जालें खरें पूण तूं जितेपणीं म्हजेखातीर सोंपलें म्हणून हरवळ्यां तिर्थार वचून धर्मशास्त्राप्रमाण तुजें घटश्राद्ध करपाक हांव फाटीं ना.

पौर्णिमा : जो बापूय जित्याचें श्राद्ध घालता तो फातरापरसूय निबर काळजाचोच आसता.

शंकर : खूब बेगीन कळ्ळें तुकां. आतां त्या फातराच्या काळजाचो प्रताप तुकां दाखोवपाक जाय न्हय?

पौर्णिमा : कितें करतलो तूं?

शंकर : कितें करतलों? तुवें म्हजे अब्रुचें दिवाळें काडलें म्हणून हांव तुकां दुशणां दियत White paper श्वेतपत्रीका काडीत बसचो ना. पिंडूच हुमटावन वडयतलों.

पौर्णिमा : कसो?

शंकर : हो असो.

(रागान हातांतलें बेत ताच्या पांयार मारता, म्हणल्यार मारपाची ॲक्शन करता. विपाशा आरड मारता. न्हिन्नळटा. बापूय व्हडल्यान हांसता. विक्रांत ताका सांवरता.)

गोमंतकु० : (आइ्डत) सीन ओ. के.

(मंत्री धरून सगळे ताळयो मारतात. सगळे वचून दुर्गेशाक आनी पौर्णिमाक हात दितात. तातूंत बुदोय आसा. हेवटेन मंत्री आपलें भाशण सुरू करता. बरोवन हाडलां. हातांत तीन चार बरयिल्लीं पानां आसता. एक वाचता.)

मंत्री : मर्ण हो एक पवित्र असो संस्कार! जिवितांत कितल्योश्योच गजाली चुकोवं येता. लागींचो-पयसुल्लो प्रवास चुकोवं येता. आप्तेश्टांच्यो भेटी-गांठी चुकोवं येता.पूण चुकोवं नजो तें मर्ण. देखूनच मर्णाची जंय सांगता जाता ती मसंडभूंय तितलीत म्हत्वाची. आयज हें मसंडभुंयेचे शेडीचें म्हजे हस्तुकीं उक्तावण जाता हें हांव म्हजें भाग्य समजतां. हे मसंडभुंयेची दिसानदीस अशीच उदरगत जावं-

(आयकुप्यांक पयलीं अर्थबोध जायना. पूण मागीर कळटा. ते मुमुरख्यांनी हांसतात. अकस्मात मंत्र्याच्या तें लक्षांत येता. तो ल्हवूच दुसरें पान काडटा. वाचून पळयता. भलतेंच भाशण. तिसरें काडटा. तेवूय भलतेंच. मागीर पानां बल्सांत घालता आनी हांगाथंय पळोवन उत्स्फूर्त उलोवपाक लागता.)

मंत्री : सिनेमाचे निर्माते, बरयणार, दिग्दर्शक, कलाकार, तंत्रज्ञ, भावांनो आनी भयणिंनो, सिनेमा हो एक सुंदर सोबीत असो कलेचो प्रकार. जिवितांत आमी जायत्यो गजाली पळय नासताना उरतात. कोणें नाटक पळयिल्लें नासता.कोणें चित्रांची प्रदर्शनां पळयिल्लीं नासतात. कोणें संगीत संमेलनां आयकल्लीं नासतात.पूण जाणें सिनेमा पळोवंक ना असो मनीस सोदूनय सांपडचो ना. देखून सिनेमा आमकां गरजेचे. ह्या सिनेमाच्या

शूटींगाचे उक्तावण म्हज्या हातांतल्यान जाता हें हांव म्हजें भाग्य समजतां. पणसाल्या घरांत ह्या सिनेमाचो म्हूर्त जालो देखून हांव पणसाक परबीं दितां, आनी पणसाची अशीच उदरगत जावं अशें मागतां. अत्माराम चिरेकार फुडाकार घेवन हो सिनेमा निर्माण करता. गोंय ही खरेंच कलेची खण. आमी हे खणींतल्यान चिरे काडपाक जाय. जशे हिऱ्याक पैलू पडटा तशे ते चिरे आडवे उबे तासपाक जाय. एकार एक दाळपाक जाय आनी ताचें एक मंदिर करपात जाय. कला मंदिर! (सगले ताळयो मारतात.) अत्माराम चिरेकाराचो हो सिनेमा बरो जातलो हाची म्हाका खात्री आसा. तो म्हजो कार्यकर्तो म्हणून हांव हें म्हणना. ताणें खूब कश्ट घेतल्या.गोंयच्च्या सगळ्या बारीक मोट्या कलाकारांक ताणें आपल्या सिनेमांत घेतल्यात. आतांच आमी एक ल्हानसो प्रसंग पळयलो. एक बापूय रागान दांडो मारून आपणाले धुवेचो पांय मोडटा. दांडो मारपाचें काम जितलें उठावदार जालें तितलेंच पांय मोडिल्ल्याचें संवंगूय अप्रतिम जालें अशें दिसलें, नायिकेचो पांय खऱ्यांनीच मोडला! हाका म्हणटा अभिनय! ॲक्टींग! सगळ्यांक म्हजीं परबीं! गोयांत जायत्यो अकादेमी आसात. जायत आसात. कला अकादेमी, कोंकणी अकादेमी, मराठी अकादेमी, शिवाय संगीत अकादेमी, नाटक अकादेमी, तियात्र अकादेमी, हातुंतल्यो ज्यो सरकारी अकादेमी आसात तातुंतल्यान आमी ह्या असल्या सिनेमांक कांय लाख रुपया अनुदान दितले. अत्मारामाकूय तें मेळटलें. गोंय हें आतां आंतरराष्ट्रीय फिल्म महोत्सवाचें केंद्र जालां. येता त्या महोत्सवांत आमचो सरकार अत्माराम चिरेकाराचो हो सिनेमा पयल्या दिसा दाखयतलो.

(ताळयो.)

धन्यवाद! देव बरें करूं!

(सगळ्यांक नमस्कार करीत आयिल्लो तसो वता. ताच्या

फाटोफाट अत्मा वता. युनीट दुसऱ्या सीनाची तयारी करता. दुर्गेश आनी पौर्णिमा कूस मारतात. मंत्री गेल्याची खात्री जातकूच बुदो ल्हवूच फोडिल्लो नाल्ल आसा थंय वता आनी नाल्ल उखलून पोटाकडेन लिपयता. दत्ताच्या तें लक्षांत येता.)

दत्ता : बुद्या, असो हांगा यो.

बुदो : कितें भाटकारा?

दत्ता : तुकां बरोसो नाल्ल हाड म्हणून सांगिल्लो. तुवें कुसको नाल्ल कसो हाडलो?

बुदो : भाटकारा, नाल्ल बरोच आसलो. मंत्र्यान फोडिना बरोबर कुसलो. एक एकल्याचो हातगूण.

दत्ता : कितें?

बुदो : ना भाटकारा. नाल्ल कुसला म्हणपाचें म्हाका आदीं कळ्ळें ना.

दत्ता : कित्याक कळ्ळें ना?

बुदो : म्हाका नाल्लांत भितर वचोन पळोवपाक जमना न्हू?
(दत्ता रागान ताचेकडेन पळयता. तो नाल्ल घेवन भितर धांवता. इतल्यान भायरसावन अत्मा येता. ताचेमदीं शंकरमामय आसा.)

दत्ता : (शंकराक) तरी बरें. मंत्र्यान तो कुसको नाल्ल पळयलो ना. ताका कितें जावपाचें!

अत्मा : हांवे पळयला. पूण म्हाका कांय जालें ना. कारण सकाळपासून इतल्यो नखलामी जायत आसात. पौर्णिमाचो पांय मोडलो ती पयली नखलामी, उद्देगमंत्र्यान चुकून मर्णाचे शेडीच्या उक्तावणाचें भाशण केलें ती आनीक एक नखलामी, हें इतलें जातकूच म्हुर्ताचो नाल्ल कुसको नाशिल्लो जाल्यारूच अजाप जावपाचें.

शंकर : (समजायत) तशें म्हुर्ताच्या नाल्लाचेर कांय नासता तें. एकदां

कितें जालें जाणां! आरे दत्ता, तुकां याद ना? आतां पळोवया मुखार कितें कितें जावपाचें आसा तें. तुमगेल्या शिगम्याचीं आठ नाटकां. दर दिसा फोडिल्लो नाल्ल कुसको. पूण आठांचीं आठूय नाटकां केन्ना न्हय इतलीं उठलीं. म्हणून म्हणटां, म्हुर्ताच्या नाल्लाचेर कांय ना.

दत्ता : बरोबर. एक एक पाडो असो कुसको आसता.

शंकर : जें जालां तें बरें जालां अशें मानपाचें. नायिकेचो एकूच पांय मोडला. पिच्चरांत बदल जायत आसा. पूण ते मूळ सुत्राक धरून जातात. आनी मंत्र्याचें भाशण अप्रतिम जालें!

दत्ता : मुखावयलें सगलें बरें बरें जावं दी. म्हज्या घरांत सगळें सुरळीत जालें म्हणटकच म्हाकाय समाधान, तुमकांय समाधान. अत्मा, म्हूर्त जालो. आतां घर तुजे सुवादीन. कितें जाय नाका तें पळोवपाक आमचो बुदो आसा. घराक हें मुखावयलें दार तशें फाटल्यान मागीलदार आसा. जाय तशें वापरपाचें. हांव सकाळसावन भायर सरून रावलां. मातशें एक येवजिल्लें काम आसा. थंय वचून येतां. दनपार मेरेन पावलों ना जाल्यार सांजसूर पावतलों. हांगासावन भायर सरून परत येवप म्हणजे उण्यांत उणें एक आदेस तरी खर्चता. तुमची जेवणाची वेवस्था बी?

अत्मा : सगळें तयार आसा. भायरसावन जेवण येतलें.

दत्ता : घरांत कामाचो पत्कर घेवपी कोण ना. नाजाल्यार तुमी पांच पंचवीस जाण म्हाका चड न्हय. तुमी समजून घेवपाचें. घरासारखो सोयरो.

अत्मा : ते खातीर तुमी चिंता करूं नाकात. तुमचें घर मेळ्ळें खूब जालें.

दत्ता : फक्त घर न्हय, कटकटीबगर घर हें म्हत्वाचें.

अत्मा : बरोबर!

दत्ता : बरें. सगलें थरील्ल्याप्रमाण जावं दी. घर तुमचेंच आसा अशें

धरून सगळे वेवहार करपाचे. येतां हांव.

(दत्ता भायर वता. तो गेल्ल्याची खात्री जातकूच अत्मा सुस्कार सोडटा.)

अत्मा : जावं, गाडी मातशी रूळार आयली.

शंकर : मातशी? खूबशी. आतां सगळें नीट चलतलें.

अत्मा : हांव मातशी भायर पासय मारून येतां. आमचेपुरती तयारी जाली.आयचें जेवणाचें पळोवपाक जाय आनी मातशें फाल्यांचें जाग्यार घालपाक जाय.

शंकर : हांवूय येतां वांगडा. म्हजी सीन बेगीन ना.

(दोगूय भायर वतात. युनीट भायर येता. एका नव्या सीनाची तयारी चल्ल्या. एका गीताचें चित्रीकरण. दुर्गेश आनी पौर्णिमा हांचेर. ताणी नवो भेस केला. तीं घोव बायलां जावन घरांत नंदतात असो सीनाचो आशय. गोमंतकुमार आज्ञा दिता.)

गोमंतकु० : ऍक्शन.

(रीकॉर्डराचेर गीताचें कडवें वाजता.)

तो : **तुजे खातीर मोगा हांव देड पांयार उबो**
लाय लाय लाय म्हाका प्रेमाचो तिबो

ती : **म्हजे खातीर मोगा तूं देड पांयार उबो**
घे घे घे म्हज्या मोगाचो ताबो

(दुर्गेश आनी पौर्णिमा गिताच्या उतरांप्रमाण ओंठ हालोवन तालार नाच करतात. पौर्णिमा तसेच लंगडत लंगडत नाचता. नाच चालू आसताना अकस्मात एक आडसाठी चली मदल्यान वता. तिणें लांब घागरो पोलको असो भेस केला. केंसांची लांब विणी, माथेंभर फुलां. गळ्यांत हातांत, कानांत अळंकार. तिचें तोंड सारखें दिसूंना.)

गोमंतकु० : (आडूडत) कट्. आरे, कोण तो मदींच गेलो?

1 आवाज : तो न्हय तें.

गोमंतकु० : थंय कोण आसा? प्रोड्युसर?

1 आवाज : तो भायर गेला.

गोमंतकु० : तेवटेच्यान कोणांक सोडूं नाका. हांगासर शुटींग चलता, फकाणां चलना.

पौर्णिमा : (दुर्गेशाक) आनी म्हजो पांय दुखता. म्हाका भूकय लागल्या. काय बरो शॉट जाल्लो.

दुर्गेश : खरेंच बरो जाल्लो. तोच परत आनी एकदां घेवचो अशें म्हाका जाल्लें.

पौर्णिमा : चल, तुज्या मनासारखेंच जालें. आतां मात म्हज्या मनासारखें जावंदी. खरेंच रे म्हजो पांय दुखता.

दुर्गेश : मागीर (उपरांत) हांव तुजो पांय घेवन बसतां.

पौर्णिमा : खंय खांदार?

(तेवूय अवस्थेंत दोगांय हांसतात.)

गोमंतकु० : सायलेन्स. परतून तोच शॉट. रेडी. लायट, सावंड, ऍक्शन–

तो : **तुजे खातीर मोगा हांव चडून आयलां घाट**
हाय हाय हाय मोगा वांकडी केली वाट

ती : **तुजे खातीर मोगा थंय धारेक गेलो सूर्या**
सांग सांग सांग मोगा आतां कितें करुंया

(आदलेंच गीताचें कडवें परत वाजता. दुर्गेश आनी पौर्णिमा परत तशेच तरेन अभिनय करून नाचतात. देखाव रंगार येता आनी व्हदळचें चली परत मदल्यान धांवत वता. व्हदळ गेल्लें ताचे विरूद्ध दिशेन वता. गोमंतकुमार आनी युनीट बेजारता.)

गोमंतकु० : कट्. आरे, तो कोण रे मदल्यान धांवता? नॉनसेन्स.

1 आवाज : तो न्हय, तें.

गोमंतकु० : कोण तें? तें आमच्या फिल्मांतलें कोण आर्टीस्ट? जाल्यार ताका आतांच घरा धाड. आय कान्ट टोलरेट धीस नॉनसेन्स. म्हाका

असलीं बेशिस्तपणां सोंसना. ही कितें काल्याच्या नाटकाची येसाय? ताका पयलीं भायर धांवडायात.

1 आवाज : गेलें. गेलें.

गोमंतकु० : कोण आसा रे थंय?

तिळू : (मुखार येता) हांव आसा सर.

गोमंतकु० : कितें करता?

तिळू : कांय ना सर. मॅकअप करून प्रॅक्टीस करतां.

गोमंतकु० : कसली प्रॅक्टीस?

तिळू : बलात्काराच्या सीनाची सर.

गोमंतकु० : ताका आजून वेळ आसा.

तिळू : यस सर.

गोमंतकु० : हे चलयेचेर मातशें लक्ष दवर
(तो समजता पौर्णिमाचेर म्हणून.)

तिळू : (ताका पळोवन) बरें आसा सर.

गोमंतकु० : ताचेर न्हय. (थोमणो मारीत) ताचेर लक्ष दवरपी त्याच्याच म्हऱ्यात आसा.

तिळू : कोणाचेर सर?

गोमंतकु० : तें मदल्यान धांवता ताचेर?

तिळू : तें खंय आसा सर?

गोमंतकु० : तें खंयूय आसूं. आमकां डिस्टर्ब करपाक दिवं नाका. आनी हाताक मेळ्यार सोडूं नाका.

तिळू : सोडीना सर. कशेंच सोडीना.
(खलनायकाच्या अविर्भावांत हांगा थंय पळयत वता.)

पौर्णिमा : (दुर्गेशाक) कर्माभोग! तुज्या मनासारखेंच जालें.

दुर्गेश : म्हाका दिसता, मुखार सगळें हांव येवजितां तशेंच जातलें.

पौर्णिमा : कितें येवजिता तूं?

दुर्गेश : ह्या सीनाचें शुटींग सोपूं दी मागीर सांगतां.

पौर्णिमा : मागीर कित्याक? आतां कित्याक न्हय?

दुर्गेश : हांगा कशें शक्य आसा? फक्त उतरांच ना.ऍक्शनूय आसा.

पौर्णिमा : कसली ऍक्शन?

दुर्गेश : लीप्स मूवमेंट आसा.

पौर्णिमा : (लजत) शट् अप!

गोमंतकु० : (आड्डत) सायलन्स. (परत आज्ञा दिता.) ऍक्शन–

(परतून सीन सुरू जाता. गीत वाजता. आरंभाकूच व्हदळचें चली हेवटेंतल्यान तेवटेन धांवपाक लागता. तिळू दोनूय हात मुखार करून ताका आडायता. तें किळांचता. तो ताका भिवयता.)

तिळू : (हांसत) हाऽऽ हाऽऽ हाऽऽ धरलें. खंय वतलें पळून? एकदां म्हजे तावडींत सांपडिल्लें मनीस कशेंच पळून वचपाक शकना. बायलमनीस तर नाच ना. हाऽऽ हाऽऽ. (हांसता.)

गोमंतकु० : (मुखार येत) हाड ताका हांगां. (ताका धुकलता.) हांगा कितें चल्लां म्हण समजलें तूं? कोणाचे परवानगेन तूं ह्या घरांत आयलें? आयलें तें आयलें मार हेवटेन तेवटेन नाचता तें कितें? तुज्या बापायचें घर हें?

(हें चित्रांगदा. कांयशें वाडिल्लें दत्तालें मोनें चली.तें आपलेपरीन मोन्यांनी ताका कितें तरी सागंपाचो यत्न करता पूण गोमंतकुमार आयकून घेवपाचे मनस्थितींत ना.)

गोमंतकु० : आतां मोन्याचें संवंग बरें करता. तुजे कांयच आयकुपाचो ना. तुवें आमचो कितलो वेळ पेड्ड्यार केलो तुकां खबर आसा? वच, तोंड घेवन वच हांगासरलें. परत हांगा दिसतलें न्हय. गेट आवट.

(गोमंतकुमार ताका धुकलून धुकलून भायर धांवडायता. तें व्हडल्या व्हडल्यान रडत वता. गोमंतकुमार उबगला. तो युनीटाक फर्मायता.)

गोमंतकु० : फाय मिनीटस् रिसेस. पांच मिनटांखातीर शुटींग बंद. विसव घेयात.

(सगळें युनीट फासफता. एक एकलो आडेकडेक वता. तिळू ल्हवूच गोमंतकुमारा म्हऱ्यांत येता.)

तिळू : सर, म्हजो शॉट केन्ना?

गोमंतकु० : (शांतपणान) प्लीज, गेट आवट.

तिळू : थँक्यू सर.

(तिळू थंयसावन कडसरता आनी कुशीक उबो रावता. दुर्गेश आनी पौर्णिमाक सेटार सावन कूस मारपाची कल्पना येवजल्या तीं एकामेकाच्या कानांत फुतफुततात आनी गोमंतकुमारा म्हऱ्यांत येता.)

पौर्णिमा : सर, आमी कितें म्हणटालीं जाणां?

गोमंतकु० : कितें म्हणटालीं म्हणजे? गीत म्हणटालीं.

पौर्णिमा : तें जालेंच.

गोमंतकु० : खंय जालां? जाल्लें जाल्लें उबाडलें ना? सगळो मूड पेड्ड्यार केलो ते आलमपेड्यार चलयेन.

पौर्णिमा : सर, तेखातीर आमी कितें म्हणटालीं जाणां?

गोमंतकु० : कितें म्हणटालीं?

पौर्णिमा : कितें म्हणटालीं रे आमी दुर्गेश?

दुर्गेश : सर, आमी म्हणटालीं, हो सीन मागीर घेतलो जाल्यार कशें? तुमकां मूड ना न्हय! तेखातीर. आनी दनपार जाली. तुमकां आतां भुकय लागल्या आसतली न्हय?

गोमंतकु० : म्हज्या मुडाचें आनी भुकेचें तुमकां लागना. तुमकां हो सीन घेतलेलो नाका? खंय भायर वचून हो सीन प्रत्यक्ष करपाची उत्सा जाल्या?

पौर्णिमा : ना. ना तशें ना सर. आमी तो हांगाच करपाक तयार आसा. (ताका गोमंतकुमाराचो राग आयला.)

गोमंतकु० : खंयचेय परिस्थितींत आयचें शेड्यूल पुराय करपाकूच जाय. आयचें काम फाल्यांर ना. कितें?

दुर्गेश : यस सर. आयचें काम आजूच करूंया.

गोमंतकु० : चला. शूटींग सुरू
(भायरसावन दत्ता तांबडोगुंज जावन आयला. वांगडा तागेलें मोने चली चित्रांगदा आसा.)

दत्ता : शूटींग सुरू? कशें सुरू जाता तें हांव पळयतां. ह्या पणसाक वळखून नकळो तुमी. हो पणस बऱ्याक म्होवाळ घरो, वायटाक चारीचो कांटो. सांग बाय, तुकां कोणें भायर घातलें तें सांग. म्हज्या घरांत म्हजेच धुवेक तुमी भायर धांवडावन घालता? समजता कितें तुमी स्वतःक? घराचो ताबो तुमचेकडेन दिलो म्हणजे कितें तुमी घराचें धनी जाले? आनी म्हजे धुवेक तुमी मारून बडोवन भायर घालता? आर्र! तर्पाशोर खंयचेकडले! सांग बाय, तुकां कोणे कितें केलें तें सविस्तर सांग. तसो तसो हांव एक एकल्याक उजरावन काडटां. पयलीं तुज्या आंगाक कोणें हात लायलो?
(चित्रांगदा मोन्यांनी कुरवो करून सांगता.)

चित्रांगदा : (पयलीं आंगाक हात लावना. पयलीं म्हाका भेकडायलें.)

दत्ता : अशें. पयलीं हात लावना. पयलीं तुकां भेकडायलें. (दुर्गेश, पौर्णिमा, गोमंतकुमार, तिळू सगळीं भिल्यांत.) हाणें? हाणें हाणें? (तिळूचेर येतकच तें हय म्हणटा.) अशें! म्हणटकच ह्या तिळू फुलकारान तुकां भेकडायलें! बरें आसा. फुलकारा, तुजीं फुलां न्हय, तुजीं सगळीं पानां पासून देंवयतां हांव. (तिळूक) असो मुखार उबो राव. (तिळू थरथरत उबो रावता.) बाय, म्हाका एक सांग, तुकां अशें भेकडायसर तुवें तांचें कितें केलें?

चित्रांगदा : (कांयच ना. हांव फक्त हे वटेंतल्यान तेवटेन वतालें.)

दत्ता : कांयच ना. फक्त हे वटेंतल्यान तेवटेन गेल्लें? अब्बा! तुज्या घरांत हे वटेंतल्यान तेवटेन वचचें ना जाल्यार आनीक कोणाल्या घरांत वतलें?

गोमंतकु० : ताचें कितें आसा जाणां, दत्ताबाब –

दत्ता : (ताका थांबयत) मागीर. मागीर. पयलीं म्हजे धुवेचें आयकतां. सांग बाय. मागीर कितें जालें?

गोमंतकु० : (ह्या डायरेक्टरान म्हाका धुकलून धुकलून भायर घातलें. गेट् आवट म्हणलें)

दत्ता : अशें. ह्या डायरेक्टरान तुकां धुकलून. अब्बा! म्हजे धुवेच्या आंगार हात घातलो! धुकलून धुकलून भायर घातलें! वयल्यान गेट आवट म्हटलें.

गोमंतकु० : दत्ताबाब, म्हजें आयकून तरी घेयात.

दत्ता : (ताचेकडेन आडनदर करीत आपलेभितर) तुजी सारखी वळख काडून आयलां हांव मास्टर गोमंतकुमार. चोरासारखी खरी वळख लिपयता आनी म्हजी धुवेच्या आंगाक हात लायता? त्याच हातात जर तुकां –

(वळटा. इतल्यान भायरसावन अत्मा आनी शंकरमाम येतात. तेवूय काचाबूल जाल्यात.)

अत्मा : कितें जालां?

दत्ता : ही म्हजी धूव चित्रा. (शंकर तिचे फाटीर मायेन हात भोंवडायता.) तें आपलें आपले कुडींत बसून आसा. तें आनी तागेलो मोनो टीव्ही.

शंकर : मोनो म्हणजे?

दत्ता : मोनो म्हणजे केन्ना तरी मोडलो. चित्र दिसता पूण आवाज येना. ताका ताची गरजूय ना म्हण.

अत्मा : त्या टीव्हीचें कितें जालें?

दत्ता : गजाल टीव्हीची न्हय. ताचीच. तें दिसता केन्नातरी आपले कुडींतल्यान भायर सरून हेवटेन आयलें जाल्यार कितें काय म्हणल्यार म्हज्याच घरांत म्हजे धुवेक धुकलून धुकलून भायर घाली. एकवेळ हांव म्हजो अपमान सहन करीन, म्हजे धुवेचो न्हय. ताचे आवय उपरांत हांवें आवय जावन वाडयलां ताका आनी तुमी कितें काय म्हणल्यार तें कांय ना. तें शूटींग-बिटींग

बंद.

चित्रांगदा : (बापायक – नाकां नाकां)

दत्ता : बऽऽरें. नाका जाल्यार आसूं. पूण ज्याचे करणेची ख्यास्त ताका भोगोंकूच जाय.

चित्रांगदा : (ह्या तिळूचो गुन्यांव ना.)

दत्ता : तिळू फुलकाराचो गुन्यांव ना. चल, सुटलो तूं.
(तिळू सुस्कारो सोडून कूस मारता.)

चित्रांगदा : (ह्या डायरेक्टराक मात सोडूं नाका.)

दत्ता : ना. ह्या तुगेल्या डायरेक्टराक कसोच सोडिना. हरशीं म्हण ताका सोडचोनाच म्हण येवजून आयिल्लों.

गोमंतकु० : दत्ताबाब, तुमी म्हजें म्हणणें आयकून तरी घेतले काय ना?

अत्मा : तुजें म्हणणे आनी कितें कर्म आयकुपाचें? (ताका वगी रावपाक शिटकायता.) दत्ता, रागाक दोळे नासता. जाल्ले चुकिखातीर हांव तुजी क्षमा मागतां. ह्या पोराची (चित्रांगदाची) क्षमा हांव मागना, पूण तुजेर मात म्हजो व्हडलो शीण आसा.

दत्ता : कसलो शीण?

अत्मा : आरे, हें इतलें सुंदर माणिक हे खणींत आसताना आमकां हांगाथंय फोणकुलां उस्तुपाक कित्याक धांवडायले?

दत्ता : म्हणजे?

अत्मा : आरे, तुगेलें चली इतलें देखणें सुंदर आनी इतलें शीटूक म्हण कळिल्लें जाल्यार हांव हाकाच पिच्चराची हिरोईन करतलों आसलों.
(पौर्णिमाक राग येता. शंकरमाम ताका कुरवांनीच शांत रावपाक सांगता.)

अत्मा : आतां म्हण हांव तुजे हे सुंदरीक सोडटां काय कितें? (उलो मारून) थाणूऽऽ

थाणू : (धांवत भायर येता.) कितें अत्मारामबाब?

अत्मा : एक बरेशें सायट हिरोईनचे संवग बरय. सायट हिरोईन म्हणजे

कळ्ळें न्हय? म्हणजे हिरोची भयण बी दाखय.

थाणू : पूण सायड हिरोईनचें संवंग कोणाखातीर?

अत्मा : (चित्रांगदाक लेखून) हे आमचे सुंदरीखातीर. डायलॉग बी भरपूर घाल.

दत्ता : पूण अत्मा म्हजी धूव मोनी. संवाद ताका कशे जमतले?

अत्मा : (चित्रांगदाकडेन पळयत) कित्याक जमचे ना?

(शंकरमाम गोमंतकुमाराक परिस्थितीप्रमाण वागपाक खुणायता.)

गोमंतकु० : बरोबर. कित्याक जमचे ना? डायलॉग डब करूं येता.

दत्ता : डब म्हणजे?

गोमंतकु० : म्हणजे तोंड तुमचे चलयेचें.

दत्ता : चित्रांगदा नांव ताचें.

गोमंतकु० : वा! नांवसुद्धां सुंदर आसा. आमी चित्रा म्हणटात. चित्रांगदा! म्हणजे ऍक्टींग तुमची चली चित्रांगदा करतली. ती फक्त तोंड हालयतली. तिच्या तोंडांत मागीर दुसऱ्यान म्हणिल्लो संवाद घालपाचो . पळय. प्रात्यक्षिकच करून दाखयतां. पौर्णिमा मातशें मुखार यो.

पौर्णिमा : म्हजो पांय दुखता.

गोमंतकु० : तुज्या पांयाक काम ना.

पौर्णिमा : कसलें काम? हांव आदींच सांगतां, ॲक्टींग सोडून हांव हेर कसलीं कामां करचें ना.

गोमंतकु० : ॲक्टींगूच. मुखार यो.

(दुर्गेश ताका मुखार वचपाक समजायता. तें नाईलाजान मुखार येता. गोमंतकुमार पौर्णिमाक चित्रांगदाच्या फाटल्यान दवरता. आपूण चित्रांगदामुखार रावून हातांच्यो खुणो करता. ह्यो खुणो भेड्ड्या आनी मोन्यांखातीर दूरदर्शनाचेर आसतात तश्यो.)

गोमंतकु० : (कुरवो करून) चित्रांगदा, तुजें नांव कितें?

चित्रांगदा : (कुरवो करता.)

पौर्णिमा : (फाटसून आवाज) गाडवा, म्हाका नांवानूच उलो मारता आनी वयल्यान नांव विचारता.

गोमंतकु० : (कुरवो) सॉरी चित्रांगदा!

चित्रांगदा : (फाटल्यान आवाज) कांय नजो मास्टर गोमंतकुमार!

गोमंतकु० : (कुरवो) तुमकां सिनेमांत काम करपाक आवडटा?

चित्रांगदा : (कुरवो करता.)

पौर्णिमा : (फाटल्यान आवाज) हय. म्हाका सिनेमांत काम करपाक खूब आवडटा.

गोमंतकु० : (कुरवो) तुजो आवडटो हिरो कोण?

चित्रांगदा : (कुरवो करता.)

पौर्णिमा : (फाटल्यान आवाज) सलमान खान!

(सगळ्यान पयलीं शंकरमाम ताळयो मारता आनी हेरांक ताळयो मारपाक लायता. दुर्गेश, थाणू, गोमंतकुमार ताळयो मारतात.)

शंकर : वा! वा! कितें अभिनय! कितें आवाज!

गोमंतकु० : अभिनय चित्रांगदाचो, आवाज पौर्णिमेचो.

शंकर : (फुसलायत) आनी डायरेक्शन तुजें. खरेंच सांगतां, तुमी नांव काडटले. तुमी ही फिल्म खंयच्या खंय पावयतले. दत्ता पणसाचें घर तुमी अजरामर करतले.

अत्मा : थाणू नायक. समजलें न्हय? अशें फस्कलास संवंग बरय आमच्या चित्राखातीर. फिल्म कंपिटीशनाक गेलें जाल्यार सायडहिरोईनचो प्रायज दोळे धांपून मेळपाक जाय. डायलॉग अशेच कचकचीत घाल आनी गोमंतकुमार, थाणू नायक आयज जितल्यो सीनी बरयतलो तितल्योय फाल्यां एका दिसान हांगासर खंय खंय शूट करून वडय.

गोमंतकु० : यस्. हांव तें जुस्त करतां.

अत्मा : आनी एक. तागेले मूळ कथेक खंयच बादा येवंक फावना.

गोमंतकु० : यस. देट आय वील टेक केअर.

(भितरसावन बुदो येता.)

बुदो : भाटकारा, आमची बाये खऱ्यांनीच पिच्चरांनी काम करतली?

दत्ता : करतली म्हणजे?

बुदो : जाल्यार मागीर लग्नाचो हुस्को ना. तुयें आनीक जोतीं झरोवपाची गरज ना. बायेक घरा बसोन सोयरीको येतल्यो.

गोमंतकु० : म्हणजे?

दत्ता : म्हणजे कितें? मोनी म्हणून तिचें लग्न जायनासताना उरलां.

गोमंतकु० : इतलेचखातीर? फिल्मांत तिगेली ॲक्टींग पळयतकूच पळयात हांगासर लायनी लागतल्यो. तुमकां न्हवरो वेंचून काडपाक त्रास पडटले.

दत्ता : अशें म्हणटा तूं?

गोमंतकु० : म्हणटा म्हणजे!

दत्ता : म्हजी चली इतली सुंदर आसा?

गोमंतकु० : हें आनी विचारता? आसाच. तुमकां फट दिसता जाल्यार पळयात आं.
(चित्राक कुरवांनी लजपाक सांगता आनी ऑर्डर दिता.)
एक्शनऽऽ
(तेसरशीं चित्रा मुरको मारून लजता आनी भितर धांव मारता. सगळे हांसतात.)

अत्मा : (व्हडल्यान) कट्! कट्!
(सगळे वग्गी पडटात.)

शंकर : आरे हो प्रोड्युसराचो डायरेक्टर जालो!

अत्मा : हांव सर्वेसर्वाः! लंची (लंच) ब्रेक वरा खातीर.
(सगळे परत हांसतात)
(काळोख.)

(पयलो अंक सोंपता.)

अंक – दुसरो

(दत्ता पणसालें आदलेंच घर. घरांत कसलो खास बदल ना. शंकरमाम एकीकडेन आपली पथारी मांडून बसला. आपले मर्दींच अभिनयसो करून ओठांतल्या ओंठांत भाशण गुणगणटा. दत्ता भायर सरून वचपाचे तयारेंत भितर सावन भायर येता. शंकराची अवतिकाय पळोवन कुरवांनीच ताका हडकून चवकशी करता. शंकरूय ताका तेच पद्धतीन आपलें सगळें वेवस्थित आशिल्ल्याचें सांगता. कांय वेळान भायरसावन बुदो येता. ताच्या हातांत दुदाचे रिते कॅन आसता. शिवाय हातांत दिसाळें आनी अर्जीपत्रां आसता. तो येनाबरोबर दत्ता ताका कुरवांनीच विचारता.)

दत्ता : (बुद्या, कितलो वेळ रे?)

बुदो : वगत? खंयचो वगत भाटकारा?

दत्ता : (ल्हवू. तो – शंकरमाम भाशण पाठ करता.)

बुदो : हें कितें? तुंवूय बायेसारखो (मोनो) जालो काय कितें?

शंकर : (तांकां) उलयात. उलयात तुमी. हांव आपलो म्हजेभितर येसाय मारतां. कोण उलयलो आनी कोणे बोबो–हुयेली माल्ल्यो म्हणून म्हाका बादना. (बुद्याक) हाड तो पेपर दी.

(बुदो पेपर शंकराकडेन दिता.)

बुदो : भाटकारा, घरांत आनी घराभायर हें सगळें अशेंच चल्लां.

दत्ता : कितें तें?

बुदो : ही अशी येसाय. तो हिरो आनी ती हिरोईन पळयिल्ले खेप गोठ्यांत येसायो मारता. तो तिळू कुळागरांत केळिचे गबे सोलता.

दत्ता : आनी तूं कितें करता? तांका पळयत वेळ सारता?

बुदो : शे! त्यो येसायो आनी तीं शूटींगां पळोवपाचीं आसतात? (आड्डत) लायट, सावंड, ॲक्शन – कट्. परत परत एक आनी दोन फावट न्हू. शंबर फावट. शाण्या मनशान हेंचीं पिच्चरांच पळोवपाचीं. चुकोनसुद्धां शूटींगां पळोवपाचीं ना. आनी जाणां भाटकारा, ह्या आठ दिसांत आमच्या म्हशींकसुद्धा संवंय जाल्या.

दत्ता : कसली संवंय?

बुदो : पळय आं. (गोठ्याकडेन तोंड करून) ॲक्शण –
(तेसरशीं गोठ्यांत म्हशी हांबेवपाक लागता. दुसरेवटेनच्यान गोमंतकुमाराचो आवाज – 'सायलेन्स!' तेसरशीं म्हशी अकस्मात हांबेवपाच्यो थारतात. परत बुदो आदलेवरीच आवाज करता.)

बुदो : ॲक्शण –
(ते सरशीं म्हशी परत हांबेतात. परत गोमंतकुमार आड्डता – 'सायलेन्स!' तेसरशीं म्हशी परत अकस्मात थारतात. दत्ताक कवतूक आनी अजाप जाता.)

दत्ता : हांबेतात तें बरें आसा. ॲक्शन म्हणनाबरोबर पान्यांतल्यान दुदाच्यो धारो बी सोडीनात मरे त्यो?

बुदो : ना. ती संवंय जावूं ना तेंकां.

दत्ता : तेंवूय करपाक म्हजी हरकत ना.

बुदो : (अर्जिपत्रां दीत.) हीं फॉर्मां.

दत्ता : कसलीं फॉर्मां?

बुदो : आनीक कसलीं? त्या दिसा दुदाचे सोसायटींतल्यान हाडूंक सांगूं नासलीं? सुवन्नधेणू काय कितें तें?

दत्ता : तें सांगून तुकां आठ दीस जाले.

बुदो : कालूच येयल्यां तीं. तेणीं पयल्यान पयलीं आपल्या लोकांक वांटून उल्लेलीं धाडून दिल्यांत खंय.

दत्ता : भरूंया मरे?

बुदो : तूं म्हशिचीं फॉर्मां भर. हांव म्हशिचें शेण भरूंक वयतां.

दत्ता : जावं बुद्या, तुवें एक बरें केलें.

बुदो : तितूंत कसलें बरें? फॉर्मा सांगलीं, फॉर्मा हाडलीं. तेकां कितें वजन आसा?

दत्ता : फॉर्माचें जालेंच रे. पूण तुवें बरें केलें म्हणटा तें तुगेले ते नोटीशीचें.

बुदो : (चत्रायेन) नोटिशीचें कितें?

दत्ता : नोटीस तुवें फाटीं घेतली!

बुदो : नोटीस फाटीं घेतली? केन्ना? ना. ना. गोरवाक दायें, मनशाक उतर. हांये तुकां आदींच सांगलां, म्हाका ही शिर्वीस नाकां. भावोजीचो रकाद येयनाबरोबर हांव धरी नळी. मागीर म्हाजेर नसतो बोल नाका.

दत्ता : मागीर हीं फॉर्मां कोणाच्या नांवान भरपाचीं तर?

बुदो : भर तुज्या घरजांवयाच्या नांवान

दत्ता : ताचो आजून पत्तो ना. हो असो सद्दां भायर सरून ताचेच सोदीक वतां न्हय.

बुदो : आयजूय बरी यॅळ आसा?

दत्ता : वॅळ बरी आनी वायट तातूंत कांय फरक पडना.

बुदो : भाटकारा, तूं मातशें पासियेंस कित्याक काडीना?

दत्ता : कसलें पासियेंस?

बुदो : बायेन ह्या 'मोगाच्या फोणांत' न्हू, 'मोगाचे खणींत' काम केलांच. पयलेच शॉटींत बायेन ते थोंटे हिरोईणीक पासून खाल्ली.

दत्ता : आतां थोंटी ना ती. बरी जाली.

बुदो : जावं! पूण दिसपाक आनी ॲक्टीगांक आमचे बायन तिका खाल्ली काय ना?

दत्ता : अशें म्हणटा तूं?

बुदो : हांव म्हणटां? सगळो पिच्चरांतलो लोक उलयता. ते मुंबयकार पासून. म्हणोन हांव कितें म्हणटां जाणा? मातसें पासिसेंस काड. हो 'मोगाची खण' भायर सरों दी. मागीर बायेक कितल्यो सोयरीगती येतल्यो त्यो पळय.

दत्ता : तोमेरेन कावळे धवे जातले. आनी एकदा पिच्चरांनी कामां करतकूत चलयांत सोयरिको येता? तांणी मागीर पिच्चरांतल्या पिच्चरांत आपणांभितर जुळोवपाचें. तूं घरांत लक्ष दवर. बायेचेर लक्ष दवर.

बुदो : आतां बायेचेर लक्ष दवरपाची गरज ना. बायेचो पांय जमनीक लागना.

दत्ता : (चुरचुऱ्यान) पांय. जमनीक लागना? कितें जालें? खंय पडलें काय कितें?

बुदो : पडपाक तें कितें कुड्डें? तें फक्त मोनें.

दत्ता : म्हणूनच म्हणटां तुकां, मातशें लक्ष दवर.

बुदो : लक्ष दवरपाची कसली गरज? बाये सामकी भुल्लुसुल्ल्या. कोणें पळोवंक नाशिल्लें धॅरकॅल ताणें पळयलें कालूं! तशी दशा जाल्या तेची. तेच्या भोंवतणी सगळे नाचतात न्हू!

दत्ता : तशें जाल्यार ताचेर नदर दवरपाची चड गरज आसा.

बुदो : कांय गरज ना. घडये तुगेलो प्रस्न आपसींच सुटावो जावं येता.

दत्ता : कसो रे?

(भायर पळयता आनी ताका वगी रावपाक शिटकायता. भायरसावन चित्रा नाचत मुरकत येता. ताणें नवो भेस केला. ताच्या हातांत फुलांचो कुरपणो आसा. कुरपण्यांत फुलां आसात. आपूण बागेंत आसा अशें मानून हांगाथंय भोंवर

मारता आनी झाडावयलीं फुलां खुंटपाचो अभिनय करता. ताणें बुद्याक आनी बापायक पळोवं ना.)

दत्ता : हें कितें चल्लां?

(बुदो ताका वगी रावपाक शिटकायता.)

दत्ता : आरे सभाग्या, मोने म्हणजे भेरेंय तें. ताका आयकूंक येना.

बुदो : हय भाटकारा, चत्रायूच उल्ली ना. बायेक पळय. पोरसांत भोंवोन खरेलीं फुलां खुंटल्यां आनी आतां घरांतूय फुलां खुंटपाची एक्शण करता.

दत्ता : हें पिशें हाकाय लागलें काय कितें!

(शंकराचें पेपर वाचून जालां. तोवूय आतां बुदो आनी दत्ताच्या उलोवपाचेर लक्ष दिता आनी चित्राची करामत पळयता. दत्ता चित्राम्हऱ्यांत वता. ताची फाट आसा. ल्हवूच फाटीर हात दवरता. तें कांचवेता. बापायक पळयता. बापूय ताचेकडेन उलयताना हातांनी कुरवो करता. तेंवूय कुरवांनी सांगता.)

दत्ता : बाय, कितें करता?

चित्रा : (फुलां खुंट्टां.)

दत्ता : आवयस! कितलीं खुंटली गो? कित्याक खुंटल्यांत इतलीं फुलां? खेळपाक?


चित्रा : (ना. ना. हार गुंथपाक)

दत्ता : (हार? कित्याखातीर?)

चित्रा : गळ्यांत घालपाखातीर.

दया : गळ्यांत? कोणाच्या गळ्यांत?

चित्रा : (म्हाका लज दिसता - लजता.)



बुदो : भाटकारा, तुगेलो प्रश्न बेगीन सुट्टासो दिसता.

दत्ता : आरे, ताणें हार गुंथलो म्हणून जालो? ताचेकडल्यान तो कोणेंतरी गळ्यांत घालून घेवपाक नाका?

बुदो : घेतलो कोणूय घालून. आनी तेणें हार गुंथला जाल्यार हार घालपाचे तकलेचो विचारूय केला आसतलो न्हू?

दत्ता : अशें म्हणटा तूं? (पळोवया तर!) बाय, हो बुदो तुकां आवडटा?

(चित्रा व्हदळचे भाशेन लजता. बुद्याचेर आकांत येता. तो गडबडटा. बेगीबेगीन गोठ्यावटेन तोंड करून आड्डता - एक्शण ते सरशीं म्हशी हांबेवपाक लागता.)

बुदो : भाटकारा, म्हज्यो हिरोईणी म्हाका गोठ्यांत बोलयता.

(दुदाचे कॅन घेवन भितर धांव मारता. दत्ता आनी शंकर मोटमोट्यान हांसतात. शंकर चित्रा म्हऱ्यांत वता. चित्रा ताच्या पायांक हात लावन नमस्कार करता.)

शंकर : शाणें बाय तें. एक वाचा सोडली जाल्यार पोराक धावूय गूण आसात. हो परमेश्वर म्हणून विचित्रूच. कोणांक कितें दित आनी कोणाचें कितें काडून घेत हाचो कसलोच भरवंसो ना.

(चित्रा एकिकडेन बसून फुलां गुंथता. दत्ता आनी शंकर उलयतात.)

फाटले आठ दीस, हांगा येतपासून म्हाका चिंता त्या पिच्चराची न्हय. चिंता ह्या पोराची. आनी दत्ता, तुकां तेंवूंय सांगतां, प्रश्न कठीण आसा खरो पूण अशक्य ना.

दत्ता : ना शंकरमाम, सगळे उपाय करून जाले. ताका तशी वाचा येवं नजो.

शंकर : तें जालेंच. अदृश्टाचें देणें म्हणून तें मानून घेवपाबगर दुसरो पर्याय ना. हांव म्हणटां तें ताच्या लग्नाचें. भांगरासारखें पोर! खंयचेय परिस्थितींत ताका उजोवपाकूच जाय.

दत्ता : ताका स्विकारता त्या मनशाक हांव घर जावंयपासून करपाक तयार आसा.

शंकर : आरे, घरजांवय कित्याक जावंचो ना? चली मेळटा. वयल्यान पांच म्हशी.

दत्ता : ताणें मनार घेतलें जाल्यार फुडाराक धा जावं येता. धा म्हशींक घेवन रावल्यार आनींक दुसरें कितें जाय? आयच्या भुरग्यांक

कसली नदरूनच ना. सरकाराच्यो सुवर्णधेनूसारख्यो काय बऱ्यो येवजण्यो आसतात. कितें काय म्हणल्यार त्यो घेवपाच्यो सोडून त्या नाटकां आनी पिच्चरांफाटल्यान लागतात.

शंकर : लागू रे लागूं. कला ती. तिवूय जाय. नाजाल्यार हे शंकरमाम कशे घडटले आसले?

दत्ता : हय. तेंवूय खरें. पूण म्हजें फट जाल्यार सांग तूं.

शंकर : ना रे बाबा. तुजें फट न्हय आनी म्हजेंय खरें. (दोगूय हांसतात.)

हांव कितें म्हणटालों जाणां? चित्राच्या लग्नाचो प्रश्न तूं येवजिता तसो अशक्य ना.

दत्ता : अशें म्हणटा तूं! सांग, खंय वचून उतर घालूं?

शंकर : पयली गजाल म्हणल्यार भायर वचूं नाका.

दत्ता : भायर वचनासतना कशें जातलें?

शंकर : हे तुगेल्या घरांत कोण कोण बोवाळटा ताचेर लक्ष दिलां तुवें?

दत्ता : हे पिच्चराखातीर आयल्यात तातूंतले म्हणटा तूं? तशी एक दोगांची खबर काडल्या हांवें. एकाची सारखी खबर येवपाची आसा, पूण –

शंकर : तें जात कात धर्म बी घेवन बसपाचे दीस ना आतां. मना-शरीरान दोगांची जोडी जुळ्ळी म्हणजे जालें.

दत्ता : हांव तितलें नमतें घेवपाक तयार आसां. पूण जो कोण मुखार सरता ताणें घरजांवय जावपाचें मात मनार घेवपाक जाय.

शंकर : बेश्टो घरजांवय न्हय, घरभाटजांवय! त्या दिसा तुवें पळय संवंग केल्लें तें बेस्टूच जालें.

दत्ता : कसलें संवंग?

शंकर : (याद करीत) शूटींग – बिटींग बंद.

दत्ता : (खजील जावन) चुकलेंच तें.

शंकर : शो! ताका लागून परिस्थिती बदल्ली. आतां सगळे चित्राक

कितले बरें करतात जाणां! ताचेखातीर संवंग म्हणून बरयतात, ताची येसाय म्हणून घेतात, कोण ताच्यो मस्कऱ्यो करता, कोण ताचेकडेन बरेपण जोडटा. ह्या बरेपणाचो विचार करपाक जाता.

दत्ता : पूण हो विचार ताणी कोणेंतरी करपाचो न्हय?

शंकर : ते करतले म्हणून पायतेवन रावल्यार हांगा उजवाडटलें. विचार करपाची परिस्थिती निर्माण करपाक जाय.

दत्ता : कळूना म्हाका.

शंकर : तें तुकां कळिल्लें जाल्यार तूं येन्ना फक्त म्हशींचो धनी उरनासतना डेअरीचो चेअरमन जातलो आसलो.

(इतल्यान भितरसावन दुर्गेश चोरयां उलो मारता तें आयकूंक येता.)

दुर्गेश : पौर्णिमाऽऽ पौर्णिमाऽऽ

(शंकर दत्ताक घेवन कडेक रावता. दुर्गेश उलो मारीत येता. चित्रा फाट करून फुलां गुंथीत आसा. दुर्गेश ल्हवूच वचून ताका फाटसून हात लायता. तेसरशीं चित्रा कांचवेता. वळून दुर्गेशाक पळयता. लजता. दुर्गेशूय कांचवेल्ल्याभशेन करता. इतल्यान भितरसावन पौर्णिमाचो उलो आयकूंक येता –)

पौर्णिमा : दुर्गेशऽऽ खंय आसा तूं?

(तेसरशीं दुर्गेश वळटा आनी भितर धांवता. चित्रा आसा तशीं फुलां गुंथपाक लागता.)

दत्ता : हें प्रकरण कितें?

शंकर : म्हणजे खरेंय आसूं येता.

दत्ता : कितें खरें?

शंकर : तो खऱ्यांनीच पौर्णिमाक सोदीत आयिल्लो. फाटसून तो चित्राकूच पौर्णिमा म्हण समजलो आनी ताणे चित्राक हात लायलो.

दत्ता : अशें जांव येता.

शंकर : आनी अशें जावपाकूय नजो. म्हणजे तें ताचें नाटकूय आसूं येता.

दत्ता : हे कलाकार म्हणटात ते अशे नाटकी आसतात?

शंकर : आसूं येतात. पूण म्हाका असलो नाटकी समजूं नाका. म्हाकां असलीं हात-बोटां लावपाची संवंय आशिल्ली जाल्यार हांव असो आयुश्यभर आंकवार उरचो नासलो.

दत्ता : अखेर आंकवारूय उल्लो तूं न्हय?

शंकर : उरूंना. रावलों. आनी तातूंत कितें? व्हडले व्हडले लोक आंकवार रावल्यात. प्रधानमंत्री! राष्ट्रपती! म्हजी कसली गत?

दत्ता : आनी आंकवार म्हणजे ब्रह्मचारी न्हय.
(दोगूय हांसतात.)

शंकर : कितें आसा जाणां मरे, दादल्याची जात ही किराभशेन. दर एका पिकलेल्या फळाचेर ताका चोंच मारपाक आवडटा. फक्त संद मेळपाक जाय.

दत्ता : पूण म्हज्या घरांत अश्यो चोंची मारपाखातीर हांवें फळ पिकोवंक ना.

शंकर : हें पळय, तुकां आदींच सांगला, खरेंय आसूं येता, नाटकूय आसूं येता. आतां संदीचो फायदो जर ताका घेवपाक कळटा जाल्यार आमची अक्कल कितें शेण खावपाक गेल्या?

दत्ता : म्हाका तरीय कळ्ळूं ना.

शंकर : तें कळिल्ले जाल्यार तूं येन्ना त्या गोरवां वासरां सांबाळ खात्याचो, एनिमल हजबंड्रीचो डायरेक्टर जातलो आसलो.

दत्ता : म्हणजे?

शंकर : म्हणजे कर्म तुजें. म्हाका सांग, चलो कसो आसा?

दत्ता : खंयचो चलो?

शंकर : मस्णांतलो! हो आतां बोट लावन गेला तो.

दत्ता : दुर्गेश?

शंकर : दुर्गेश पर्वतकार.

दत्ता : वायट ना. बरो आसा. म्हणून तर ताका पिच्चराचो हिरो केलो न्हय.

शंकर : हो हिरो आमचे हिरोईनीक कसो सोबतलो?

दत्ता : चित्राखातीर? तसो वायट ना. पूण उपेग कितें? तो मातयेंत पडलेलो शेणाचो थापो.

शंकर : म्हणजे?

दत्ता : म्हणजे मातयेंत पडलेलो शेणाचो थापो जसो मातयेसकट हातांत येता तसो तो. तो येतनाच वांगडा लफडें घेवन आयला.

शंकर : तें लफड्याचें बरे आसा. तें एकतर्फीय आसूं येता. आमी जर तशी परिस्थिती निर्माण केली जाल्यार आमचें दालें आमचेवटेन जड जावं येता.

दत्ता : ना म्हणल्यार आतां म्हाका थोडें थोडें कळपाक लागलें.

शंकर : थोडें थोडें कळटा तेंच बरें. म्हणटकूच हो एक गडो आसा अशें मतींत धरून, ताका मनाचे गवणींत हाडून दाव्यान अचळय बांदून दवरपाचो.

दत्ता : बरोबर.

(भितरसावन तिळू हांसत भायर येता. तो आपलेच खलनायकाचे भुमिकेंत आसा.)

शंकर : हें दुसरें संवंग आयलें शिगम्यांतलें.

दत्ता : हाचो मात म्हाका भंय दिसता.

शंकर : भंय कसलो? संवंग करता तो! ताचे शूटींग जातलें तेन्ना तो सुट्टलो. माकडाक भांग घालतकूच जें जाता तें जालां ताचें. तें आदलेंच संवंग. तातूंत ताचेर संवंग चडलां. पूण भोंकता तें सुणें चाबना हें खरें.

(शंकर दत्ताक कुशीक काडटा. तिळू उडक्यो मारीत येता.)

तिळू : खंय गेली म्हजी प्रिया? खंय लिपली? झिलींत काय तणाच्या गुडयांत? तूं खंयूय वच. हांव तुजी फाट सोडपी न्हय. तूं मुंबई

गेलें, हांव मुंबई वचपी. तूं कोलकोता गेलें, हांव कोलकोता वचपी, तूं पाताळांत गेलें, हांव थंय पावलोंच म्हणून समज. म्हज्या मोगा, हांव तुजो पयलो प्रेम! तुज्या मोगाचे मोगरेचो हांव पयलो-वयलो कळो! तुज्या मोगाच्या मंदिराचो हांव बुन्यादिचो चिरो! परत यो मोगा, तूं जंय आसा थंयसावन परत यो. भुलूं तूं दुसऱ्याक, भुल्लेलें आसल्यार ताचो नाद सोड, परत यो. शेणलेलें गोरूं परत गोठ्यांत येता तशें यो. शेणलेलो राजकारणी धा कडेन शेण खावन परत स्वघरा येता तशें यो. हांव तुजो स्वीकार करतां. रावणान उबारून व्हेल्ले सीतेचो रामान स्वीकार केलो ना, पूण हांव तुजो स्वीकार करतां. कितें तूं येवचेना? म्हज्या हाताक गावचेंना? तूं ओसामा बीन लादेन जायशी जाल्यार हांव जॉर्ज डब्लू बुश जावपी. तूं इराणाक लीपशी जाल्यार हांव इराणाचो धूप करपी. तूं सद्दाम हुसेन जायशी जाल्यार हांव परत जॉर्ज डब्लू बुश जावपी. इराकाचो गोबर करपी. पूण तुकां सोडपी न्हय.

(अकस्मात आपली नदर चित्राचेर पडिल्लेभाशेन करता आनी खोशी जावन हांसता.) हाऽऽ हाऽऽ खंय वतलें? धांवून धांवून बावलें तारीकडेन पावलें! ही धर्तरी वांटकुळी आसा. कितलेंय धांवल्यार परत त्याच जाग्यार पावता. तुकां आतां कशेंच सोडीना. तूं म्हजें जायना जाल्यार मोगरेचो कळो कशें तुकां पिसडून पिसडून वडयतां.

(चित्रा मुखार उडकी मारून हांसता. ताका धरपाक सोदता. चित्रा उठटा. मात्तूय कांचवेना. वयल्यान ताका पळोवन लजून मुरको मारता. तो परत ताका भेकडावपाचो यत्न करता. तें परत मुरको मारता. तिळूचो नेट पोको जाता. दो गडबडटा. तसोच धांवत भितर वता. चित्रा परत आपलेच तनरेंत रावन फुलांचो हार गुंथता. दत्ता आनी शंकर मुखार येता.)

दत्ता : हें आनी कसलें खूळ? ताचें संवग कितलें खरें आनी कितलें

फट तेंच कळना जालें. पयलीं हांव कसलो भिलों.

शंकर : हांवें आदींच सांगूंक नासलें? भोंकता तो सुणो चाबना. सांग, भुरगो कसो आसा?

दत्ता : (सहज) बरो आसा. (कळून) आं. आं. भुरगो वायट ना.

शंकर : त्या डायलॉगांचेर वचूं नाका. तीं सगळी थाणू नायकाची करामत. तो पेपर वाचता, टीव्ही पळयता आनी असले फिल्मांतले संवाद बरयता. संवादांचें सोड, तो कसो तें सांग.

दत्ता : चलता. म्हणजे मोन्यांक चलता.

शंकर : बांद. होवूय एक गडो आसा अशें धरून हाकाय मनाचे गवणींत अचळय दावें घालून बांद.

दत्ता : बांदलो.

शंकर : कितले जाले?

दत्ता : तीन?

शंकर : (अजापान) तीन? एक दुर्गेश, दुसरो हो तिळू. तिसरो कोण?

दत्ता : आमचो निळू!

शंकर : म्हणजे?

दत्ता : तें जाती-कातीचें नाका म्हणलें न्हय तुवें म्हणटकूच हावें मनाचे गवणींत आमच्या बुद्याकूय अचळय दावें घालून बांदलो.

शंकर : वा! शाब्बास! जाणां दत्ता, तुजेसारखे बापूय जर असो मेकळो विचार करपाक लागले जाल्यार ह्या समाजांत लग्नाचे प्रश्न निर्माणूच जावंचेना.

दत्ता : तुकां सांगपाक बरें. तूं लग्न जाल्लो आनी तुकां जर एक - दोन भुरगीं आशिल्लीं जाल्यार कळटलें आसलें. आसूं तें. हांवें तें कॉम्प्रमायज काय कितें तें केलें काय ना? पूण लक्षांत दवर, हांवें केलां म्हण तो बुदो करपाक ना आं.

शंकर : तें मागीर पळोवया. सद्याक आमी फक्त शक्यता अदमासून पळयतात.

दत्ता : आतां कोणाचो प्रवेश आसा?

शंकर : (कळून) आं. नाटकांतलो प्रवेश, सिनेमांतली एन्ट्री.

दत्ता : आतां कोणाली एन्ट्री?

शंकर : कोणाची एन्ट्री जाली ना जाल्यार आमी हांगासल्ल्यान एक्झीट घेवपाचें.

दत्ता : तसेंच केल्यार बरें. अशी बांदार पासय मारून येवंया. (इतल्यान भितरसान थाणूचो उलो आयकूंक येता.)

थाणू : मीस पणसऽऽ मीस पणसऽऽ

दत्ता : हो कसल्या पणसाक उलो मारता? कापो पणस, रोसाळ पणस सोडून मीस पणस?

(शंकर ताका वगी रावपाक शिटकायता.)

थाणू : मीस चित्रांगदा, मीस पणसऽऽ चित्रांगदाबायऽऽ

दत्ता : हो आमच्या चित्राक उलो मारता.

शंकर : मारूंदी.

दत्ता : पूण चित्राक आयकूंक येना हें ताका खबर ना.

शंकर : कोण सांगता खबर ना? आनी खबर आसून नाटक करता काय कितें तें तूं जाणां?

दत्ता : बरोबर.

शंकर : मागीर वगी राव. तुका म्हणे वगी रहावे! जे जे होईल ते ते पहावे। मोन्यांनी।

(दोगूय कडेक सरून वग्गी रावतात. भितरसावन थाणू नायक ल्हवपीक पावलांनी उलो मारीत येता. ताका पळोवन बेगीबेगीन ताच्या मुखार वचून उबो रावता. कुरवांनी ताचेकडेन उलयता. तेंवूय कुरवांनी सांगता.)

थाणू : चित्रांगदा, तुका खंय खंय सोदलें. सगल्या पोरसांत, आनी तूं कितें काय म्हणल्यार हांगाच बसून आसा?

चित्रा : (हांव व्हदळ पोरसांत वचून आयलें.)

थाणू : बरोबर. म्हाका मातसो उशीर जालो. कितें करता?

(तें लजता.)

थाणू : कितें करता काय म्हणून विचारतालों.

चित्रा : (हार दाखोवन – पळयना हो हार गुंथता तो?)

थाणू : हार? कोणाखातीर? देवाखातीर?
(तें लजता.)
देवाखातीर गुंथता जाल्यार लजपाक कित्याक जाय? (हेवटेन तेवटेन पळोवन) हांव कित्याखातीर आयिल्लों जाणां?

चित्रा : (कित्याखातीर?)

थाणू : आतां तुजेखातीर बरयतां त्या सीनाक कितले डायलॉग घालूं?

चित्रा : (एक्कूय नाका.)

थाणू : एक्कूय डायलॉग नाका? अशें कशें? तुकां उलोवपाक कळ्ळें ना म्हण कितें जालें? मागीर आमी ते दुसऱ्याच्या आवाजान डब करतले.

चित्रा : (म्हाका डायलॉग नाका आनी सीनूय नाका.)

थाणू : डायलॉग नाका आनी सीनूय नाका? कित्याक? म्हजेर रागार?
(तें लजता.)

थाणू : सांग न्हय.

चित्रा : (म्हजी उमेद भागली!)

थाणू : तुजी उमेद भागली? पूण म्हजी आजून आसा ती. म्हाका तुकां आनीक आनीक सीन बरयन दिसता.

चित्रा : (नाका. नाका. अजिबात नाका.)

थाणू : अशें एकलें बसून तुकां वाज येवचोना?

चित्रा : (ना. हांव हार गुंथतां.)
(इतल्यान भितरसावन मा. गोमंतकुमार येता. तांकां दोगांकूय पळयता.)

गोमंतकु० : आरे थाणू, तूं हांगासर कितें करता? तो सीन तुकां परतून बरय म्हण सांगिल्लो मरे.

थाणू : खंयचो सीन?

गोमंतकु० : पौर्णिमाचो पांय आतां बरो जाला. तुवें आजून ताका थोटें दाखयलां.

थाणू : करतां. सारखो करतां.

गोमंतकु० : तूं सारको कितें करतलो? तो सारखो जालो.

थाणू : ताचो पांय न्हय, सीन सारखो करतां.

गोमंतकु० : हांगा कितें करतालो?

थाणू : चित्रांगदाक विचारतालों, आनीक सीन बरोवं काय म्हणून?

गोमंतकु० : डायरेक्टर हांव, आनी तूं ताका विचारता?

थाणू : म्हाका तशी प्रोड्युसराची अत्माची ऑर्डर आसा न्हय?

गोमंतकु० : ती ऑर्डर गेली ताच्या फाटल्यान. तुवें म्हजें आयकुपाचें.

थाणू : तेंच करतां हांव.

गोमंतकु० : ताका कितले सीन जाय तें हांव पळयतां.

थाणू : आनीक नाका म्हणटा तें.

गोमंतकु० : तें हांव पळयतां. तूं तो सीन परत बरय आनी पौर्णिमाकडेन पाठ करपाक दी. तीं दोगांय गोठ्यांत आसतलीं. ना जाल्यार पोरसांत.
(थाणू मोन्यांनी भितर वता. मा. गोमंतकुमार चित्राच्या म्हऱ्यांत वचून ताचेलागीं कुरवांनी उलयता.)

गोमंतकु० : तुकां आनीक सीन नाका म्हणटा तें खरें?

चित्रा : (हय. खरें.)

गोमंतकु० : कित्याक?

चित्रा : (म्हाका वाज येता.)

गोमंतकु० : तशें जाल्यार अशें करूंया. फाटलो एक सीन परत शूट करूंया.

चित्रा : (परत कित्याक?)

गोमंतकु० : तो परफेक्ट जावंक ना. चल, आमी थंय बसून येसाय घेवंया. हें कितें करता?

चित्रा : (हार गुंथतां.)

गोमंतकु० : तें कळटा म्हाका. पूण हार कोणांक?
(चित्रा लजत मुरको मारीत भितर वता. फाटोफाट मा. गोमंतकुमार भितर वता. कुशीक सरिल्ले दत्ता आनी शंकर मुखार येतात.)

दत्ता : म्हाका ह्या पोराचीं लक्षणां बरीं दिसनात.

शंकर : खंयच्या पोराचीं? थाणूचीं? ह्या मास्टर गोमंतकुमाराचीं काय तुगेल्या पोराचीं?

दत्ता : सगळ्यांचींच.

शंकर : आरे जुवानी! तुजें जुवानपण याद करून पळय.

दत्ता : आमकां केन्ना अशी संद मेळ्ळीच ना.

शंकर : संद मेळिल्ली जाल्यार सोडटलो आसलो?
(दत्ता वगी रावता.) ना मरे? मागीर जालें.

दत्ता : तरीपूण हांव पडलों चलयेचो बापूय.

शंकर : जालेंच. पूण तुजी चिंता तीच म्हजी चिंता. चित्राचो कोणें गैरफायदो घेवंक जायना. बरोबर? पूण तेचबरोबरआमीच परिस्थितीचो फायदो घेवपाक जाय.

दत्ता : म्हाका कळ्ूंना.

शंकर : तुकां तें कळिल्लें जाल्यार तूं येन्ना शेतकीमंत्री जावपाचो. आतां पळय, इतलो वेळ आमी हांगा कडेक रावून नियाळ केलो. त्या नियाळांतल्यान आमी एक पांच जाणांची वळेरी तयार केली. हे पांचूय जाण चित्राखातीर योग्य आसात.

दत्ता : म्हजी धूव चित्रा, पांचाली न्हय, पांच पांडवांची.

शंकर : तुजी धूव द्रौपदी न्हय आनी हेवूय पांडव न्हय. जालें. आतां चित्राखातीर हातूंतल्या एकल्याची निवड करपाची.

दत्ता : माजराच्या गळ्यांत घांट कोण बांदतलो? तातूंतल्या दर एकल्याक विचारून पळोवचें पडटलें.

शंकर : आनी पांचूय जाणांकडल्यान नकार आयलो जाल्यार?

दत्ता : म्हाकाय तशेंच दिसता. बरें, चित्राक कोणूय आवडलो पूण ताची संमती नाका? कोणाची गॅरंटी आसा?

शंकर : ना.

दत्ता : मागीर ही सगळी कसरत करून उपेग कितें? सगळें उमथ्या कळशार उदक!

शंकर : दत्ता, तुवें तुजो बुडकुलो (तकली) खाली केलो. म्हजो आजून भरिल्लो आसा.

दत्ता : कळूंना म्हाका.

शंकर : तें कळिल्लें जाल्यार आज तूं मुख्यमंत्र्याच्या जाग्यार आसपाचो.

दत्ता : नशीब म्हजें, ना तो!

(इतल्यान भायरसावन अत्मा येता.)

अत्मा : कितें दत्ताबाब, शंकरमाम कसल्यो गजाली चल्ल्या?

शंकर : मुख्यमंत्र्याच्यो.

अत्मा : हांव थंयसूनच आयलां. सकाळीफुडें आल्तीनोर बंगल्यारूच घालून घेतलें. म्हणलें तुगेल्या उद्देगमंत्र्यान अशें अशें सांगलें. म्हणपाक लागलो, तुगेल्या उद्देगमंत्र्याक दुसरो कसलो उद्देग आसा? अशी मर्दी मर्दी कोमेडी करता तो. हांव धना देसायाचो घट कार्यकर्तो म्हण जाणा तो. हांव चिरे मारपाचे सोडून पिच्चर काडटां म्हणून म्हजीय कोमेडी केली. तूं पिच्चरूच काड खंय! कोणांक दाखोवपाचें तें आपणें पळयतां म्हणलां त्या फिल्म फेस्टीवलांत म्हजें पिच्चर लागलेंच. ऍवार्डबी तोवूय मेळटलो. आमी सराकारांतले मनीस म्हणटकूच जांव घुमटांच्या आरतींच्यो स्पर्धा, जावं नाटकां सिनेमांच्यो स्पर्धा, ऍवार्डां कार्यकर्त्यांकूच मेळपाक जाय काय ना? सगळ्याक अशेंच चलता. आदींय अशेंच चलतालें. मागीर आमीच सवळे कित्याक रावप?

शंकर : बरोबर. गंगा धा जाणांची! व्हांवतें गंगेंत हात धुवून घेवप!

अत्मा : आतां म्हाका पिच्चराचो हुस्को ना. असो फाटल्यान कोणतरी जाय. तसो तुमीय म्हाका कितलो आदार केलो. हो शंकरमाम केदो कलाकार! हे गोमंतकुमार आतांचे. हो आमचो गोमंतमाम! पूण एका उतराचेर मोटरसायकल करून हांगा हजर जालो आनी ह्या दत्ताचे उपकार दोंगरायेदे! फाटले आठ दीस तागेलें घर आमी झरयतात.

दत्ता : कांय नजो. आनीक आठ दीस सुद्धां काडल्यार जाता.

अत्मा : शे!शे! तुजे तकलेर आनीक पेज नाका. पळयल्यार कळटा, कितले चिंतेन आनी हुस्क्यान भरला तूं.

दत्ता : तसो चिंता-हुस्को आसा, पूण तो तुमचेखातीर न्हय.

अत्मा : ना दत्ता आतां आनीक तुमकां त्रास दिवप ना. त्या गोमंतेश्वराक आजूच सांगतां, अशे तशे दोन दीस. दोन दिसांभितर ह्या घरांतलें सगलें शूटींग एका दमान सोपोवन वडय. परत हांगासर येवंचें पडूंक जायना. आतां हांगा परत येवपाचें तें बद्द पिच्चराक ऍवार्ड मेळटकूच पार्टी करपाक.

दत्ता : हयवय. तेन्ना हांवूच तुमकां पार्टी दिता. तुमी ऍवार्ड हाडूनच दाखयात.

अत्मा : कोणाची जाग नाशी? हे काम करता काय ना? काय सरकारी नोकरांभशेन? हांव खंय दोळ्यांआड जालो म्हणटकूच हांगा हांची पिकनीक!

शंकर : ना. ना. दर एकलो आपणाल्या कामांत गुल्ल आसा. आमी दोगूय अशे बेकार. ह्या दत्ताक काम ना आनी म्हाका शूटींग ना. म्हणून आमी अश्यो बल्कावांवयल्यो गजाली चलयल्या.

अत्मा : चलूं दीं तुमचें. हांव भितर पळोवन येतां. म्हाकाय नवें कितें येवजलां, तेंवूय तांचे तकलेंत घालतां.
(अत्मा भितर वता.)

शंकर : दत्ता, फक्त दोनूच दीस उल्ल्यात मागीर तुजें घर रितें.

दत्ता : मागीर घर खावंक येतलें म्हणटा तें खरें.

शंकर : कितें करतात तें बेगीनांत बेगीन करपाक जाय. निदान फाल्यां तरी. जाता जाल्यार आयचे आयज. ह्या खिणांकसुद्धा.

दत्ता : शंकरमाम, तूं कितें सांगूंक सोदता तें म्हाका कळूंना.

शंकर : तें तुकां कळिल्लें जाल्यार –

दत्ता : जाल्यार हांव देशाचो प्रधानमंत्री जातलो आसलों. तें नाका. मुद्याचें उलय.

शंकर : मुद्दो होच. तुगेल्या त्या सुवर्णधेनुसारखीच ही एक सुवर्णसंद! ह्या दोन दिसांत हांगासर असो एक पेचप्रसंग निर्माण करप जातूंतल्यान कोणूच सुटपाक शकचो ना आनी येवजिल्लो हेतू साध्य जातलो.

दत्ता : शंकरमाम, तुमी शकुनीमाम जायात आनी ह्या नेणार भाच्याक त्या पेच प्रसंगाविशीं सांगात.

शंकर : (शकुनीच्या अविर्भावांत लंगडत लंगडत हांगा थंय भोंवता.) भांजेऽऽ मामला बहूत पेचिदा है।

(दत्ता तो सांगता तें आयकुपाखातीर ताचे फाटोफाट वता. कांयवेळान शंकरमाम शकुनीची भुमिका सोडटा आनी नारदाचे भुमिकेंत पावता.)

शंकर : नाराऽऽयण!

दत्ता : (नमळायेन) सांगात नारदमुनी,पेचप्रसंग कसो निर्माण करपाचो तें ह्या नेणार दत्ताबाळाक सांगात. हांव आयुष्यभर तुमच्या तंबोऱ्याच्यो तारो जुळोवन दितां आनी तुमी धर्तरेर आयिल्ले खेप तुमकां दुदाचो अभिषेक घालून तुमची पाद्यपुजा करतां.

शंकर : (उस्वासून) नारायण!

(इतल्यान भितरसावन थाणू नायक बेजारून हात-पांय आदळीत भायर येता.)

थाणू : शंकरमाम, तुमी सगळ्यांत जाणटे कलाकार. आतां तुमीच सांगात, तुमी एक नाटक बरयिल्लें. आनी तो निर्मातो आनी डायरेक्टर जर आपणांक जाय तितले बदल करपाक लागिल्लो

जाल्यार तुमी कितें करतले आसले?

शंकर : अशे हात-पांय बडोवपचे परस रागान तें नाटकूच काडून भायर मारतलो आसलों.

थाणू : हांवूय तसेंच करतलो आसलों, पूण हें पडलें फिल्म. अर्दें अदीक शूटींग जालां म्हणून.

शंकर : कितें म्हणटा तुगेलो मास्टर गोमंतकुमार?

थाणू : तो कितें म्हणटलो? आनी ताका कळटा कितें? लायट, सावंड, ॲक्शन, कट्ट म्हणून आड्डी माल्ल्यो म्हणून जाता? ताका माती कळना आनी त्या निर्मात्याक अती कळटा. तागेले खणींत चिरे मारपी मानायांक फर्मायता तशें तो म्हाका सांगता. अशें कर, तशें कर. आदींसावन कथेंत इतले बदल जायत गेल्यात. ती म्हजी कथा उरूंकच ना.

मिनेराचो चिरेकार जालो. बंगल्याचें घर जालें. मर्दी थोटें येवन गेलें. मोने-भेड्डे जालें.

शंकर : तो आतां कितें कर म्हणटा?

थाणू : विक्रांत आनी विपाशा लग्न जावंक सोदता. विपासाचो बापूय विघ्नराज लग्नांक विरोध करता. पूण निमाणें तो लग्नाक मान्यताय दिता. आनी निमाणें दोगांयचें बरेभशेन लग्न जाता.

अत्मा : (येत) हय रे, पूण हांव म्हणटां, बापूय लग्नांक मान्यताय दितलोच कसो? तो नांवाचोच विघ्नराज. तो विघ्नां हाडीत रावतलो. तो ह्या लग्नांक मान्यताय दितलो जाल्यार कथेंत ताचेखातीर कसलोतरी पेंच निर्माण करपाक नाका?

शंकर : पेंच?

अत्मा : हय. पेंचप्रसंग. म्हणून हांवें सुचयलें तें अशें - विघ्नराज लग्नांक विरोध करता आसतानाच आनी दोगांकूय मेळपाक बंदी आसतानाच तीं दोगांय लिपचोरयां दोंगरार झिलींनी मेळटा. तीं रोमीयो-ज्युलीयट, लिला-मजनू बी मेळनाशिल्लीं? तशीं. तर त्या मेळपांतल्यान विपाशाक दीस वतात. प्रॅग्नंट!

तें गुरवार जाता. आतां विघ्नराज कितें करतलो? पडलो ना पेंचांत? लग्नाक न्हयकार दिल्यार विपाशाच्या पोटांत तागेल्या घराण्याचो वंशरूख वाडटा ताचें कितें करतलो? म्हणटकूच मुठींत नाक धरून म्हणटा तशी लग्नांक मान्यताय दिवची पडलीना? हो इतलो बदल सुचयल्यार मार तूं सॅन्सोर बोर्डान कातर लायिल्लेभशेन पिंडळटा कित्याक? हो बदल त्या डायरेक्टराक पसंत आसा. हो सीन फाटल्या दोंगरार करपाक दुर्गेश आनी पौर्णिमा एका पांयार तयार आसात. मागीर तूंच कोण स्वतःक राजकपूर समजता काय गुलजार? आनी लक्षांत दवर. हो इतलो बदल केलो म्हण तुजे मूळ कथेक खंयच बादा येना.

शंकर : बरो पेचप्रसंग आसा? (दत्ताक खोंच कळची म्हणून) कितें दत्ता?

दत्ता : बरो आसा.

शंकर : (थाणूक) पळय, सगळ्यांक पसंत आसा. तुजे नखरे नाका. हो निमाणो सीन करपाचो आनी दत्ताल्या घरांतल्यान बिटकी कवळपाची. म्हाका दत्ताल्या कपलार आनीक आंठयो चडोवपाच्यो नात.

(थाणू तसेच पांय आदळीत भितर वता.)

अत्मा : पयले खेप म्हण हांच्या इतलो पांयां पडलां हांव. दुसऱ्या पिच्चराक हे म्हाका कित्याक जाय? फुडले खेप इस्टोरी म्हजी. डायरेक्शनूय हांवूच करपी. कामां करपाकातीर नट-नटयो हाडपाच्यो धरून. उमेदी गडे कितले आसतात. हांचे नखरे चड. वयल्यान हांच्यो गोठ्यांत भानगडी. आत्तां पळोवन आयलां हांव. शंकरमाम, तूं मात जाय आं.

शंकर : म्हजी उमेद भागली. पूण वांचून उल्लों जाल्यार रकाद धाड. हांव आसांच .

अत्मा : आनी दत्ता, तुजें कितें? फुडें अशेंच सहकार्य आसतलें काय

ना?

(दत्ता आपल्याच चिंतनांत आसा.)

आरे दत्ता, तुका विचारतां हांव.

दत्ता : वा! सुंदर! प्रश्नूच ना.

अत्मा : कितें?

दत्ता : पेचप्रसंग! असोच पेचप्रसंग जाय.

(अत्मा हांसपाक लागता. दत्ता आपलेच तनरेंत आसा. इतल्यान भितरसावन बुदो कागाळ करीत येता.)

बुदो : भाटकारा, त्या हिरोईणीक आनी हिरोक मातशीं पळय. तीं गोठ्यांत पळय कितें करता तें पळोवन म्हशी भुजता. (हातांतली चीट दित) भाटकारा, पोस्टमनान ही चीट दिल्या. हांव मागीलदारा गोठ्यांत आसलों थंयच काडून दिली.

(दत्ता चीट घेता. पूण तो फोडटा आनी वाचीत भितर वता.)

भाटकार आयज बरो ना.

(बुदो ताचेफाटोफाट भितर वता. शंकरमाम आपणाल्या जाग्यार वचून बसता. अत्मा गोठ्याकडेन वचपाक वता इतल्यान तेवटेंतल्यान तिळू येता. तो बेजारला.)

तिळू : अत्मारामबाब, हें कितें चल्लां? सद्दां सकाळीं हांव मेकप करून येतां. दीसभर तसोच मेकप घेवन रावतां आनी रातचो पुसतां. हें फाटले आठ दीस अशेंच चल्लां. विचारिल्ले खेप, तुजो शॉट मागीर!

अत्मा : कसलो शॉट तुजो?

तिळू : बलात्काराचो. कोणाचेर बलात्कार तेंवूय म्हाका सांगूना.

अत्मा : सांगून फायदो कितें?

तिळू : प्रॅक्टीस करपाक जाता न्हय? एकलो हांव कितली म्हण प्रॅक्टीस करतलों? आनी शूटींग ना जाल्यार ती प्रॅक्टीस तरी कित्याक? कर्माक? आयज म्हजो कितें तो सोक्षमोक्ष लाय. नाजाल्यार रोलाखातीर म्हजेकडल्यान घेतिल्ले ते पयशे परत कर.

(अत्मा बेगीबेगीन ताचें तोंड बंद करता. कोणें आयकूं बी ना ताचो अदमास घेता.)

अत्मा : तुजो प्रश्न आयज मिट्टलो. तो मास्टर गोमंतकुमार तुजो शॉट जर आयज घेना जाल्यार ताचो बापूय घेतलो.

तिळू : ह्या युनिटांत ताचो बापूयय आसा तर?

अत्मा : आयज तुजो शॉट जालो म्हण समजुपाचें. मागीर तूं मेकळो. आनी फुडल्या पिच्चरानूय तूं म्हाका जाय. तातूंतय अश्योच सीनी आसतल्यो.

(इतल्यान भितरसावन पौर्णिमा आनी मा. गोमंतकुमार झगडत येतात. फाटल्यान दुर्गेस आसा.)

पौर्णिमा : हांव तुकां आदींच सांगतां, तूं सांगता तें हांव करचें ना.

अत्मा : कितें करपाक सांगता तूं ताका?

गोमंतकुमार: बांयतलें उदक काडपाचो एक सीन आसा. राजवान कळशी काडपाची.

पौर्णिमा : म्हाका भंय दिसता. हांवें केन्नाच बांयचें उदक काडूंना.

गोमंतकु० : तातूंत भिवपाचें कितें? बांयंत कितें तूं देंवचें ना. कळशी देंवतली.

पौर्णिमा : तरी लेगीत म्हाका भंय दिसता.

दुर्गेश : पूण हांव म्हणटां हो सीन जायच कित्याक?

अत्मा : तुजो प्रस्न हांगा खंय येता? नाका थंय नाका आशिल्ल्या सीनींत गरजेभायर भाग घेवं नाका.

गोमंतकु० : (पौर्णिमाक) बांयंतल्यान उदक काडपाचो सीन म्हत्वाचो आसा. बांयचो आनी बायलमनशेचो लागींचो संबंद आसा. वेळाकाळाक तिका जीव दिवपाक बांयूच उपकारा पडटा – अशें म्हाका दाखोवपाचें आसा.

अत्मा : तो प्रयोग मागीर सवकासायेन स्वतःचे बायलेचेर कर. सद्याक ही सीन दुसरेभाशेन शूट कर.

गोमंतकु० : कसो? कशी?

अत्मा : कळशीभर उदकाची गरज मूं? नळाचेर बालदीभर उदक भरता अशें दाखय. (पौर्णिमाक) तुकां नळाचो भंय दिसना मुगो? (ना म्हणून मान हालयता.) आनी बालदेचो? कारण भल्लेली आसतली ती. तातूंत तसो नाकयां पडून मनीस मरूंक शकता. भिना मुगो? (ना म्हणून मान हालयता.) चल, प्रश्न मिटलो. (गोमंतकुमाराक) हो सीन आयचे आयज करून वडय. (पौर्णिमाक-दुर्गेशाक) चलात. आनी मातसे उपकार करात. गोठ्यांतूच येसाय मारप बरी पडटा जाल्यार म्हशी भुजता असली कसलीच ऍक्शण थंय करूं नाकात.

(दोगांय वतात.)

अत्मा : (गोमंतकुमाराक) आनी ह्या तिळूचें कितें जालां? ताचें शूटींग ना जाल्यार ताका सद्दां गंधपुजा कित्याक करपाक लायता?

गोमंतकु० : गंधपुजा?

अत्मा : मेकप.

गोमंतकु० : कोण करपाक लायता? तो आपले आपूण करून येता.

अत्मा : आनी ताणें कितली म्हणून येसाय करप?

गोमंतकु० : तो स्वतःक मार निळू फुले आनी प्रेम चोपडा समजता!

अत्मा : तो समजता म्हणजे? तूं आपणांक XXX नामनेचो दिग्दर्शक समजना? आनी हांव म्हाका XXX नामनेचो निर्मातो समजना? हे लायणींत हे अशेंच समजप आसता. तागेली सीन करून वडय. बलात्कार म्हटल्यार तोवूय फुल्ला. पूण सादेपणी दाखय. फक्त नायिकेचे साडयेक हात लायता असो दाखय. आनी मागीर वयल्यान एक एक वस्त्र अशें येवन पडटा अशें दाखय. शिम्बोलीक कर. हें कितें इंग्लीश पिच्चर न्हय. आमचे संस्कृतायेक सोबता अशे दाखय. नाजाल्यार तें पौर्णिमाय तयार जावचें ना. आनी हें पळय, थाणू नायकाचे मूळ कथावस्तूक हात लावं नाका.

(तिळू आनी गोमंतकुमार भितर वतात.)

अत्मा : चला, सगळे प्रश्न एका दमान सोडयले. कितें शंकरमाम?

शंकर : मानलो तुकां.

अत्मा : आतां हांव हुस्क्यामेकळो जालों. शंकरमाम, आयज जेवणांक विस्वण हाडला आनी फॉरेन व्हिस्कीची बाटली. बसपाचें. दनपारां बसुंया काय सांजे?

शंकर : तुकां जाय तशें. आनी दत्ताक विचारून पळय.

अत्मा : हय तर. दत्ता येजमान. आनी ताकाच करूंया उत्सवमुर्ती. (पियेवन) पणसाक सामको आड करूंया.

(युनीट आसा तेवटेन वता. शंकर आपल्या जाग्यार बसून आसा. कांयवेळ शांततेंत वता आनी अकस्मात दत्ता भायर येता. ताच्या एका हातांत एक व्हडली परात आसा आनी दुसऱ्या हातांत लाटणें. तो लाटणें परातीचेर मारून वाजयता. मुखामळ निश्चेवी. ताचे करणेन शंकर अजापला. उठटा आनी ताचे म्हऱ्यांत वता. ताका वाजोवपाचो थारायता.)

शंकर : आरे दत्ता, हें कितें चल्लां?

दत्ता : पेचप्रसंग निर्माण करतां.

शंकर : पेचप्रसंग? कसो रे? म्हाका कांय कळूंना.

दत्ता : तें जर तुकां कळिल्ले जाल्यार तूं हांगा शूटींगाच्या नांवान दत्तागेर मुसकां मारीत कित्याक बसतलो आसलो? येन्ना कला अकादमीच्या एअरकंडीशन नाट्यगृहांत नाटकांचे सर्तीचो परीक्षक जावन आवांताद बसतलो आसलो.

(शंकर खजील जाता आनी मोन्यांनी वचून आपणाले सुवातीर बसता. दत्ता परात वाजोवपाक लागता. कांय वेळान एक एकलो येता. एकेवटेन बुदो. दुसरेवटेन थाणू नायक. मा. गोमंतकुमार, मागीर तिळू, तिसरेवटेन दुर्गेश आनी पौर्णिमा, मागीर अत्मा. अत्मा फाटोफाट युनीटांतलेय लोक येवपाक लागतात. आत्मा तांकां थंयसावनूच परत वचपाक सांगता. सगले आपआपले परीन काचाबूल जाल्यात. दत्ता

थीरआसा. सगळे हाजीर जाल्यात म्हणपाची सुलूस घेवन दत्ता परात बडोवपाचें बंद करता. कांय वेळ शांतताय. फक्त एकामेकाच्या तोंडाक पळयतात. कोणेंतरी तोंड उगडचें अशें दिसता आसतानाच भितरसावन म्हशींच्या हांबेवपाचो आवाज. तेसरशीं बुदो, दत्ता आनी अत्मा हे सोडून हेरांक हांसूंक आवरना पूण सगळे परिस्थितीची गंभीरता मतींत घेवन हांशें दामून धरतात. बुदो गोठ्यावटेन तोंड करून एका विशिश्ट आवाजान आड्डता.)

बुदो : सायलेन्स!

(तेसरशीं म्हशींचे हांबेवप बंद जाता. परत सगळ्यांक हांशें आवरना पूण आदलेवरीच सगळें हांशे दामून दवरपाचो यत्न करतात. अत्मा शंकरा म्हऱ्यांत वता.)

अत्मा : शंकरमाम, कितें जालां?

शंकर : हांव हांगा बसून आसां, म्हणल्यार म्हाकाय खबर ना.

अत्मा : पूण ही मदींच घंटा कित्याक? कांय कळना. म्हजे म्हायतीप्रमाण अशी घंटा ह्या घरांत आदीं वाजताली.

शंकर : म्हणजे?

अत्मा : म्हणजे पयलीं ह्या घराचो सगळो वेल–विस्तार हांगाच वाडटालो. घरांत जाणटो–नेणटो धरून पन्नास–पाऊणशीं लोक. सकाळचे पेज्जेवेळार, दनपारच्या जेवणावेळार आनी सांजेच्या जेवणावेळार घरांतलो कर्तो मनीस हे अशे पद्धतीन घांट वाजोवन सगळ्यांक आपयतालो.

अत्मा : (ल्हवूच) आतां आमकां पेजेक लावपाचो विचार ना मूं?

(शंकर आपणांक खबर ना म्हण खांदे वावुडटा. अत्मा दत्ता म्हऱ्यांत ताका विचारपाक वता. इतल्यान)

दत्ता : बुद्या,

बुदो : भाटकारा,

दत्ता : तांका सांग, शुटींग–बिटींग कांय ना. सगळें बंद. म्हज्या जिवाक

बरें ना. (बुद्याच्या हातांत लाटणें आनी परात दिवन ग़डसडीत भितर वता. सगळ्यांक आनीक अजाप जाता. शंकर तागेले वागणुकेचो अर्थ लावपाचो यत्न करता. बुदो आपूण उमेदीन पत्कर घेवन परात वाजयता.)

बुदो : आयकात. सगळे कान दिवन आयकात–

गोमंतकु० : तें बडयनासताना सांग रे. सगळे लागींच आसा.

बुदो : शुटींग–बिटींग कांय ना. सगलें बंद. भाटकाराच्या जिवाक बरें ना. आनी म्हज्याय जिवाक बरें ना.

थाणू : तुजें बरें आसा. तुजें क़ोणांक पडलां?

गोमंतकु० : पूण हें कितें? जिवाक बरें नासल्यार दोतोराक हाडपाचो. दुर्गेश, मोटारसायकल भायर काड.

दुर्गेश : आं?

पौर्णिमा : (दुर्गेशाक) तूं मोटारसायकलीन वता जाल्यार तुजेबरोबर हांवूय येतलें.

दुर्गेश : (तांकां) पूण म्हजे माटारसायकलीर ट्रीपल सीट जायना.

गोमंतकु० : फक्त दोतोराक हाडपाचो. दोतोराबरोबर नर्सीक न्हय.

दुर्गेश : पूण–

अत्मा : दोतोराचें तुमकां कित्याक पडलां? तुमची मोटारसायकल बी कांय एक नाका. म्हजो ट्रक ना तर? दोतोरूच कित्याक? आख्खें हॉस्पिटल ट्रकांत घालून हाडीन हांव. पूण पयलीं कितें जालां तें कळपाक जाय न्हय?

बुदो : भाटकाराच्या जिवाक बरें ना.

गोमंतकु० : हो वगीच मदलेमदीं भाव खाता.

बुदो : ए गोमंतक, तूं गाळी मारूं नाका आं. भाव खाता म्हणजे? म्हाज्या भावाक हांयें खाला? कामीण जावन मेला तो.

थाणू : पूण जिवाक बरें ना म्हणजे हें कितें दुयेंस जालें?

बुदो : भाटकाराचें दुयेंस खबर आसा तुमकां? तुमकां तुमची चींता आसा मरे? तुमकां दर एकल्या तुमच्या पिच्चराची चींता आसा

मरे? तशी भाटकाराकूय तेगेल्या पिच्चराची चींता आसा.

गोमंतकु० : तुगेलो भाटकारूच पिक्चर काडटा कांय कितें रे?

बुदो : काडटा म्हणजे?

थाणू : नांव कितें रे पिक्चराचें?

बुदो : नांव जाय? नांव चित्रांगधा! (आनी परात बडोवन आड्डता.) शुटींग-बिटींग कांय ना. सगलें बंद. भाटकाराच्या जिवाक बरें ना. आनी म्हाज्याय जिवाक बरें ना.

(सडसडीत भितर वता. सगळ्यांक अजाप. शंकर आत्मा म्हऱ्यांत वता.)

अत्मा : गजाल खरी?

शंकर : कसली गजाल?

अत्मा : चित्रांगदा!

शंकर : बरोबर. ताका तागेले धुवेची सुमाराभायली चिंता जाल्या. तिच्या लग्नाची चिंता.

अत्मा : पूण ती आतांच कशी?

शंकर : ती आदींसावन आशिल्ली पूण आतां तिचो स्पोट जाला, इतलेंच.

गोमंतकु० : पूण शुटींग बंद म्हणजे? कशें शक्य आसा? हांगासर आनींक दोन दिसांचें शुटींग आसा. ते सीन हांगाच घेवपाक जाय कारण मुखावयले सीन आदीं घेतल्यात. आतां आरंभाचे घेवपाक जाय.

शंकर : हं अशें पयलीं पर्तें आनी मागीर आर्तें कित्याक केलें?

गोमंतकु० : फिल्मांत हें अशेंच करतात. म्हजेर विश्वास ना जाल्यार त्या मुंबयच्या कॅमरामनाक विचारात.

अत्मा : बरें आसा.

थाणू : हें पळय अत्मारामबाब, तुकां आदींच सांगतां, हे कथेंत आनीक कितेंय बदल कर म्हण सांगल्यार हांव आयकुचोंना आं.

अत्मा : तूं आयकुचोना जाल्यार तुजो बापूय आयकतलो.

थाणू : (आपलेभितर) बापायन आयकून उपेग कितें? ताका बरोवपाक थोडेंच कळटा!

अत्मा : व्हडलो बरोवपी जालो तूं. बाकीबाब बोरकार काय रवीन्द्र केळेकार? तुजो बापूय आयकतलो म्हणटा ते फट दिसलें तुकां? घराखातीर चार ट्रक चिरो घातिल्लो ताचो पानदुडू आजून फारीक जावंक ना. तुजी इस्टोरी बेश्टीच घेतल्या म्हण समजलो तूं?

शंकर : हें, हागेले स्टोरीचें बरें आसा. ही स्टोरी जाग्यार घालपाक जाय.

अत्मा : तिवूय जाग्यार पडटली. दत्ताची चिंता सामकी रास्त आसा. कोणाय बापायक अशेंच भोगूंक फाव. घरांत वाडिल्ली धूव आसप म्हणजे ताळटावयलो इंगळो!

शंकर : आनी तातूंत मोनी!

अत्मा : मोनी तें बरें आसा. ती उलोवंक कळना म्हणून मोनी आनी उलोवंक कळटा तीं मोनी नासतात? (सगळ्यांक) तुमी हुस्को करूं नाकात. शूटींग परत सुरू जातलें. दत्ताचो प्रश्न हांव सुटावो करतां. तुमी एक करपाचें. मास्टर गोमंतकुमार तुवें, थाणू नायक तुवें, तिळू फुलकार तुवें आनी पर्वतकार तुवें लेगीत. तुमचेमदल्या कोणेंय एकान चित्राबरोबर लग्न जावपाक तयार जावपाचें. (सगळे काचाबूल जातात.) सगळे काचाबूल कित्याक जाले? कोणेंतरी एकल्यान मुखार सरपाचें.आनी आतां काचाबूल जातात? ताचेकडेन किटकिट्टा आसताना कळनाशिल्लें? म्हाका सगलें खबर आसा. खंयचेय परिस्थितींत म्हजें पिच्चर पुराय जावपाकूच जाय. तुमी तुमचेमदीं थारायात. हांव दत्ताची समजिकाय काडटां. (अत्मा भितर वता.)

पौर्णिमा : दुर्गेश, हांव हें कितें आयकतां?

दुर्गेश : कितें तें?

पौर्णिमा : हांव आसताना तूं त्या चित्राकडेन किटकिटटालो?

दुर्गेश : केन्ना गो? फाटल्या आठ दिसांत हांव फक्त तुज्याच फाटल्यान-फुडल्यान आसां.

शंकर : फक्त एकदांच चित्राच्या फाटल्यान गेल्लो.

पौर्णिमा : कितें?

शंकर : म्हणजे फाटसून चित्रा तें ताका तूंच पौर्णिमा कशें दिसलें.

दुर्गेश : हय. फक्त एकदांच फसलों हांव.

पौर्णिमा : आतां तूं कितें करतलो?

दुर्गेश : आनीक फसचो ना.

पौर्णिमा : अत्मारामबाब सांगता तें?

दुर्गेश : ताणें बरें सांगलें म्हण हांव कितें हांगा एकलोच आसां?

पौर्णिमा : (रडकुऱ्यां येवन) जाणां शंकरमाम, आमचें सगळें थारलां. हें फिल्म रिलीज जायनाफुडें आमी लग्नाची तारीक थारायतलीं. न्हय रे दुर्गेश?

दुर्गेश : हय पौर्णिमा. खरें शंकरमाम. रंगदेवतेचो सोपूत!

शंकर : नाका, तिका वगीच त्रासांत घालूं नाका. आनी फिल्माचेर पातयेवन रावूं नाका. तुमचें कितें करपाचें तें करून मेकळे जायात.

थाणू : हांव कितलोय जाल्यार लेखक. सगळें गोंय म्हाका वळखता. हांव एके मोने चलयेकडेन कसो लग्न जावं? ते म्हजे इश्ट म्हाका कितें म्हणटले? सगळे म्हाका हांसतले. टिकाकार म्हजी टिका मारतले. इतल्या सभा संमेलनांनी वता म्हणटले. एखाद्री कविता गायता तसली कवयित्री वा आड्डी मारता तसली कथा लेखिका सोडून मोनीशी चली वेंचून काडली?

तिळू : हरशीं हांव ह्या मताचो. म्हणजे तोंड आसलें म्हण बायलांनी उलोवपाकूच जाय अशें ना. पूण आयचो काळ मातसो वेगळो. बायलांकडेन पळोवपाची दादल्यांची नदर सारखी ना. म्हणटकच वेळाकाळाक बायलेक बोबो हुयेली मारून आपणालो जीव वांटावपाक कळपाक जाय. चली मोनी आसा

म्हणून जाल्यार म्हजी हरकत नाशिल्ली.

गोमंतकु० : म्हजी गजाल तुमचेपरस वेगळी, कारण तुमी सगळेजाण आयज ना फाल्यां लग्न जातलेच. म्हजें तशें ना. म्हाका फक्त म्हजो करिअर करपाचो आसा. हांव फिल्मांत नांव काडपाक जल्मांक आयलां. लग्न जावन तारापोरांक जल्मांक घालूंक येवंक ना. लग्न जावपाचें आसलें जाल्यार म्हाका अशें नांव लिपोवन भोंवपाची गरज नासली. म्हज्या खऱ्या नांवाचेर म्हजीं सोयरीं धायरीं सोयरिको घेवन येतलीं आसलीं. म्हज्या जीवनांत लग्नाक अजिबात सुवात ना.

तिळू : आमी अशें कित्याक करचें न्हय? आमी त्या मुंबयकाराक, त्या कॅमरामनाक आनी सावंडरिकोर्डिस्टाक मुखार काडुंया.

शंकर : तांकां कित्याक त्रासांत घालता? अशे वता थंय ते लग्ना जावपाक लागले जाल्यार तांका वर्साक कितलीं लग्नां करचीं पडटलीं! तुमचें कितें तें पळयात.

पौर्णिमा : शंकरमाम, तुमी तुमच्या चल्याक मोने चलयेकडेन लग्न जावपाक दितले आसले?

शंकर : बरेभशेन.

पौर्णिमा : मागीर चित्राक करात तर तुमची सून.

शंकर : तें शक्य ना.

पौर्णिमा : पळय.

शंकर : हांव लग्नूच जावंक ना.

थाणू : शंकरमाम, तुमी कितेंय म्हणात, पूण ही गजाल बरोबर न्हय.

शंकर : कसली गजाल?

थाणू : ह्या निर्मात्यान आमकां असे पेंचांत घालप.

शंकर : तो तरी बाबडो कितें करतलो! ताणें इतलो पयसो ओतला.

तिळू : म्हणून आमच्या फुडाराकडेन खेळप? हो पणस बरोच भितल्ले गांठीचो. वयल्यान गोड भितर कांटे

दुर्गेश : सामकी खऱ्या पणसाची उरफाटी तरा.

पौर्णिमा : हो पणस न्हय, पणसावयलो घोणस!

गोमंतकु० : पळयिल्ले भितर पणसाची तकली इतलेमेरेन पावत अशें दिसना. ताका आमचे मदल्या कोणेंतरी ही बुद्ध दिल्या आसूंक जाय. (शंकर कांचवेता.)

पौर्णिमा : जाणें बुद्ध दिल्या तागेल्या भुरग्याबाळांचें केन्नाच बरें जावचेंना.

(शंकरमाम उस्वास सोडटा. इतल्यान भितरसावन दत्ता भायर येता. फाटोफाट अत्मा आसा. दत्ता आदल्याच निश्चेवी मुद्रेन आसा.)

दत्ता : ना. अत्मा हें शक्य ना. म्हाका हो प्रकार निखालस मान्य ना. हे सगळे म्हजे चलयेक पळयतलो आनी तातुंतलो कोणतरी एकलो तिका पसंत करतले हाचो अर्थ कितें? सगळ्यान पयली गजाल म्हणल्यार तुमकां सगळ्यांक सांगतां, शंकरमाम, तुमकां लेगीत. चली ही पळोवपाची वस्त न्हय. म्हणजे पळोवपाक ती वस्त न्हय. समजलें? तुमी चलयेक पळयतले, पास करतले, नापास करतले म्हणजे कितें? तिका स्वतःची आवड निवड ना? आनी चली पळोवपाची ही नश्टी प्रथा कोणें निर्माण केली? (सगळे वग्गी) सांग शंकरमाम, चली पळोवपाची ही प्रथा कोणें निर्माण केली?

शंकर : खबर ना. म्हणजे म्हाकाय खबर ना आनी हांगासर कोणांक खबर आसत अशेंय दिसना. आमी मुखार गेल्ले बरे.

अत्मा : म्हाकांय तशेंच दिसता.

दत्ता : तशें जाल्यार चलात मुखार.

अत्मा : म्हणटकूच हाणीं कोणेंच चलयेक पसंत करपाची गरज ना.

दत्ता : ना. चली तांकां पसंत करतली.

सगळे : म्हणजे?

दत्ता : म्हणजे तुमच्यांतल्या एकल्याक म्हजें चित्रा पसंत करतलें.

अत्मा : (सगळ्यांक) आयकलें? तुमचेमदल्या एकल्याक चित्रा पसंत

करतलें? तुमकां मान्य आसा?

सगळे : ना.

दत्ता : बरें तर. शुटींग-बिटींग बंद. (वचपाक वता. अत्मा ताका थातारता.)

अत्मा : दत्ता, अशी टोकाची भुमिका घेवं नाका. ताणीं बरें ना म्हणलें म्हणून? हांवें ना म्हणलां व्हय?

दत्ता : लग्न ते जातले. म्हणजे हातूंतलो एकलो.

अत्मा : जातलोच. तो कोण जायना जाल्यार ताचो बापूय जातलो. आमी अशें करूंया. आधुनिक स्वयंवर. आदल्या काळांत जशीं स्वयंवरां जातालीं तशीं. शंकरमाम, तुवें कितलीं स्वयंवरां केल्यां?

शंकर : हावें? ना. ना. (कळून) हां. हां. केल्यां रुक्मिणी स्वयंवर, सीता स्वयंवर. द्रौपदी स्वयंवर. सगळ्या स्वयंवरांनी हांवें भुमिका केल्या.

अत्मा : आतांय भुमिका कर. आमी रचुंया अशेंच एक चित्रस्वयंवर.

शंकर : वा! वा! स्वयंवर! येन्ना चित्राचो फुलांचो हार गुंथून जाला आसतलो.

अत्मा : दत्ता, तुजें म्हणणे कितें?

दत्ता : म्हाका ही प्रथा मान्य आसा. शंकरमाम, ही इतली बरी प्रथा कोणें निर्माण केली?

शंकर : रूक्मीणीच्या बापायन, सीतेच्या बापायन, द्रौपदीच्या बापायन.

दत्ता : चलयेक म्हत्व दिवपी ही प्रथा परत सुरू करपाक जाय. आयजवेर आमचे पुरुषप्रधान संस्कृतीन दादल्यान बायलेक पळोवपाची वस्त मानली. आतां ती पाळी दादल्याचेर येवपाक जाय.

शंकर : आसा. दादल्यांचेर तीच पाळी येवपाची आसा.

आत्मा : पण बीण कसलो दवरपाचो? धनुष्य उखलपाचो? बाणान

नुस्त्याचो दोळो फोडपाचो?

दत्ता : तसली मोडतोड, तोडफोड नाका. म्हजें चित्रा आपणांक पसंत आसा ताच्या गळ्यांत माळ घालतलें.

अत्मा : चलात, एके हारीन उबे रावात.

पौर्णिमा : दुर्गेश, तूं थंय उबो रावूं नाका. आनी तुकां ताणें माळ घातल्यार हांव कितें करूं?

अत्मा : कितें करूं? तुकांय काम आसा. स्वयंवराचें पद म्हण. आनी ते खंय रे मुंबयकार? (उलो मारून) बी. प्रभाकर, सुदेश पित्रे, हांगा येयात. हो सीन शूट करपाचो आसा. (बी. प्रभाकर, सुदेश आनी हेर तकनिकी मनीस येतात. लायट कॅमरा मांडटात. थाणू, गोमंतकुमार, तिळू, दुर्गेश एकामेकाच्या आदारान उबे रावतात. उइल्यान भितससावन बुदो येता. ताच्या हातांत दुदाचे रिते कॅन आसात. ताचें कोणाचेर लक्ष ना.)

बुदो : भाटकारा, भावोजीचो रकाद आयला. फाल्यां लांब कालसांव घालून वयपाचें. खबर बरी आसा काय ना?

दत्ता : ना. कारण ताचेपरस बरी खबर म्हजेकडेन आसा.

बुदो : कसली बरी खबर? आनी हें कितें चल्लां? परत शुटींग सुरू?

दत्ता : थंय तांचेमदीं उबो राव.

बुदो : कित्याक म्हणून?

दत्ता : तुगेले बायेचें स्वयंवर मांडटां.

बुदो : खरेंच? आनी तिणें म्हाका पसंत केलो जाल्यार? हांव हेंच्या भाशेन न्हू. तें म्हाका आदींपासून वळखता.

दत्ता : जाल्यार तुगेलें लांब कालसांव शेणलें.

बुदो : शे! अशें कशें! भावोजी म्हाका फटींग म्हणटलो.

दत्ता : चूप! मोन्यांनी उबो राव.

बुदो : भाटकारा, तुज्या जिवाक बरें ना म्हणटालो न्हय?

दत्ता : तें तुकां पडूंना.

(इतल्यान भितरसावन चित्रा भायर येता. तें होंकलेवरी सजलां. हातांत फुलांची माळ आसा, जी तें आदीं गुंथतालें ती. दोळयांचेर पट्टी बांदल्या.)

शंकर : आरे, हें तर गांधारी जालां!

दत्ता : म्हजी धूव दोळे धांपून आपलो वर वेंचून काडटली. तें भेड्डें आनी मोनें आशिल्लें आतां कुड्डेंय जालां. ह्या आठ दिसांत ताणें आपलो सांगाती कोण रें थारायलां. आयज सकाळधरयां ताणें आपल्या आवडट्या मनशाखातीर स्वतः पोरसांतलीं फुलां खुंटून हार गुंथला. आयज ह्या घरांत तुमचेमदल्या कोणां भाग्यवंताचें भाग्य फळटलें. म्हजी धूव फक्त वासावयल्यान आपल्या मनशाक वेंचून काडटली.

शंकर : वा! वा! खरें म्हणल्यार अशा वेळार वयर देव बी जागे आसल्यार ताणी पुष्पवृष्टी करपाक जाय.

अत्मा : (दिग्दर्शकाच्या नेटान) लायट, सावंड (पौर्णिमाक) सोंग, ॲक्शन–

(ते सरशीं दत्ता चित्राच्या फाटल्यान वचून ताका ल्हवूच धुकलता. तें ल्हवू ल्हवू मुखार वता. लायट, कॅमरा चलता. स्वयंवराक उबे राविल्याचेर आकांत आयला. पौर्णिमा गीत गायता.)

नवकाळाचें, बळाबळाचें, चित्र स्वयंवर घड्टा
कोण दोळ्यांत, कोण गळ्यांत, कोण काळजांत रड्टा।।

सोबीत सुंदर गुणी सद्गुणी, फक्त नायिका मोनी
नीत्य शांती घरांत नंदतली, सदा सुखी घरधनी।।

आशिर्वचना तत्पर रावल्या, रावल्या दादामुनी
थरथर गार, हरहर हार, कोणा गळ्यांत पडटा।।

चित्रा एक एकल्याच्या म्हऱ्यांत वता. तसो दर एकलो भिता. तें एक-दोन फावट फाटीं-फुडें वता. आनी अकस्मात गोमंतकुमाराच्या गळ्यांत माळ घालता. सगळे ताळयो मारतात. चित्रा दोळ्यांवयली पट्टी काडटा. आनी लजत गोमंतकुमारा कुशीक उबें रावता.)

गोमंतकु० : हांव हांव, म्हाका लग्न जावपाचें ना.

दत्ता : नांव लिपोवन भोंवता गोमंतकुमारा? आरे, तूं गोमतीलो आनी हनुमंतालो पूत चित्रानंद. आमचो पयसुल्लो भाचो. (पत्र दाखोवन) पयल्याच दिसा तुजो दुबाव येनाफुडें हांवें तुजी चवकशी करपाक आरंभ केलो. आनी हें गोमतीलें पत्र. आयजूच हातांत पडलें. तुकां कसोच सोडूं नाका म्हण बरयलां. आरे, भाचे कित्याखातीर आसतात? असल्या नोतांच्या भुरग्यांक उजोवपाखातीरूच आसतात. ह्या शंकरमामाचो शकुनीमामा आनी नारदमुनी बऱ्याक पडलो आनी अत्माचें पिच्चर ! आतां फुडलें शुटींग तुमकां जाय तेन्ना करात. म्हजो घरजांवय म्हाका मेळ्ळो. (उलो मारता.) बुद्या,

बुदो : समजलें भाटकारा.
(दुदाचे रिते कॅन हाडून चित्रानंदाच्या हातांत दिता.)

बुदो : भाटकारा, सुवन्नधेनुची याद आसा न्हू? फॉर्मां भरपाक जाय.

दत्ता : खबर आसा.

बुदो : (दाराकडेन वता आनी आड्डता.) ऍक्शण-
(तेसरशीं गोठ्यांत म्हशी हांबेवपाक लागता.)
(चित्रानंदाक) यो, चित्रानंद भावोजी, गोठ्यांत यो. हांव तुकां दूद काडपाक शिकयता. (ताका ओडीत व्हरता.)


(पार्श्वभागाचेर शिर्शक गीत)


(काळोख)

(सोंपता)

अथश्री, फोंडें निर्मित -
'चित्रस्वयंवर' (2003)...

कलाकार : चंद्रानंद नायक, व्यंकटेश गावणेकार, सुशांत सरदेसाय, दयानंद नाडकर्णी, संतोष देसाय, प्रियांका बिडये, जितेंद्र जोशी, मनोज देसाय, वर्धन सहकारी आनी हेमंत भांडणकर





गोंयांत नव्यानूच चित्रसंस्कृती तयार जावपाक लागल्या. तेच फाटभुंयेचेर विनोदी ढंगान ह्या नाटकाची उबारणी केल्या. मूळ कथावस्तूच्या परिघांत प्रासंगीक स्वरुपाचें सामाजीक व्यंग आनी विडंबन घडयलां. पूण तें करताना विखारा बगरच्या निखळ आनी नितळ नर्मविनोदाची तरा आपणायल्या. कथासंस्कृतींत पोसवल्लें भारतीय मन, नाटक पळयताना तातूंत कथेचो पोत सोदपाचो यत्न करता, हें मतींत धरून ह्या नाटकांत प्रसंग आनी व्यक्तिरेखांचो मेळ घातला आनी तातूंतल्यान एक कथाय गुंथून काडल्या. जायते फावट जिवितांत आपशींच कांय पेचप्रसंग निर्माण जातात. कांय वेळार धूर्तपणान अशाच पेंचप्रसंगांची रचना जाता. हें नाटक ह्याच विशयाचेर आटापलां.



ISBN 81-86488-91-X